# पडसाद

## वयचारीक संपादकीय लेकनां

वल्ली क्वाड्रस, अजेकार



आशावादी प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

# पडसाद

## वल्ली क्वाड्रसाच्या संपादकीयांचें तिसरें पुस्तक

**राश्ट्रीय/अंतरराश्ट्रीय साहितीक सम्मेळलांनी सादर केल्लीं प्रबंधां**

**PODDSAD** - *A collection of Editorials written & edited by* ***Valley Quadros****, and published by Ashawadi Prakashan.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN

| | |
|---|---|
| First Edition | : 2022 |
| Cover | : Ashawadi |
| Copyright | : Author |
| Layout | : Enigma Creations |
| Pages | : 100 + 2 |

For communication **Email**: ashawadi@gmail.com

**WhatsApp**: 7021967880

# मांडावळ


| | | |
|---|---|---|
| – | समाजीक काळजी आनी मनशापणाचो धर्म जागंवचीं बरपां | ४ |
| – | चार उतरां शाणेपणाचीं | ६ |
| १. | कोंकणी २५ वरसांनी आनी फुडें | ९ |
| २. | मास्क, शिक्षण आनी योग्यता | १३ |
| ३. | डिजिटल कोंकणिचो फुडार | १७ |
| ४. | जापी नातल्लीं सवालां | २१ |
| ५. | थकानातल्लें पयण | २४ |
| ६. | मिसांव, तेसांव, पाशांव, म्हळ्ळें तेंतेसांव | २७ |
| ७. | हासतेल्यांचे दांत दिसतात | ३१ |
| ८. | पारंपरीक विमर्सो – एक विचार | ३४ |
| ९. | समाजीक माध्यमां, धर्म अनी मनीस | ३७ |
| १०. | रडोंक मेळ्यां आमी समॅस्त | ४० |
| ११. | कोंकणी भास आळवोन वचानाशें कर्च्यांत आमचो पात्र | ४४ |
| १२. | नीद, मनीस आनी जिवीत | ५१ |
| १३. | कोंकणी, खोंकली आनी साहितीक स्पर्धे | ५३ |
| १४. | आटव्या वोळेरिंत कोंकणी आनी आमची खोंकली | ५६ |
| १५. | फिल्मां आनी समाज | ५९ |
| १६. | एक नवो संसार | ६२ |
| १७. | झूज आनी संघर्श | ६५ |
| १८. | कोंकणी नाटक – एक विचार | ६८ |
| १९. | मायानगरी, जोपडप ी आनी वयरस | ७१ |
| २०. | मनशापणाक सकला देंवयिल्लें लोकडावन | ७७ |
| २१. | बहुसंस्कृती आनी कोंकणी साहित्याचेर ताचो प्रभाव | ८१ |
| २२. | काळ आनी बदलोंचीं मनशामोलां | ८६ |
| – | अजब वल्लीचो गाज – अजब पडसाद | ८९ |

# समाजीक काळजी आनी मनशापणाचो धर्म जागंवचीं बरपां



वल्ली क्वाड्रोस हांच्या लेखांच्या तीसऱ्या संग्रहाक ही प्रसतावना बरयतना म्हजें मन ताच्या व ` वावराविशीं कवतुकान भरलां. कांय कार्णांक लागून कोकणीच्या मूळ पीठासावन पयस गेल्ल्या कोकणी पुतांनी आपली भाशेकडली नाळ तुटची न्हय म्हूण जे निरंतर यत्न चालू दवरल्यात तांचे सध्याचे पिळगेंत वल्ली करता तो वावर दोळे दिपकावपीच. आज मूळ पीठांतूच कोंकणीच्यो भोयोभोयो जावपाक लागल्या आसतना मंगळुरा सार्किल्या वाटारांत रावन वल्लीन केल्लो वावर कोकणी आनी तिच्या पुतांनी मतींत धर्पाक जाय.

वल्लीचें बरोवप आनी तांतुतल्या अणभवांची मांडावळ ताची साहित्यीक तांक दाखयता. पूण ह्या पुसतकांत ताचे मदल्या बरोवप्या परस ताच्या रक्तांत मुरिल्लो काऱ्यक्र्तोच धिटायेन मुखार आयला. कोकणीच्या उजू फुडाराची आस लागिल्लो हो काऱ्यक्र्तो निर्भीडपणान आपलें मन उक्तें करता तेन्ना ताचे विचार मंगळुराची शीम हुपून अचळय गोंयातूय पावतात आणी गोंयच्या कोकणी चळवळीचो आटाप आपले वेंगेंत घेतात.

कोकणीचो वावर देंवता म्हण वल्ली हुस्को करता, कोकणी साहित्याच्या रुखार चडिल्ल्या आत्मसंतुषटतायेच्या बेंदुल्लेक हुमटावपा खातीर तो उलो घाल्ता. निवृत्तीची पिराय जात्कच कोकणीचो मोग येवज्ल्ल्यांक तो खेंप्ता आणी पुर्सकारा खातीर वंयो उबारपी 'हव्यासी' वर्गाची धाड कोकणीचेर पडल्या म्हूण खंती जाता. पूण फकत नकारघंटा हो वल्लीचो

सभाव न्हय, कोकणीक आयिल्ली मर्गळ पयसावचे खातीर आमच्यानी कितें करूं येता, हेंय तो उमेदीन सांग्ता. मुखेल्यांनी (म्हळ्यार म्हालगड्यांनी) 'व्हिजनरी' आस्पाक जाय आणी कार्यकर्त्यांनी परत एकदां जिणेच्या मशाली कश्यो पेटोवंक जाय, हाचीय चिकित्सा तो करता. आठवे वळेरेंत कोकणी गेली म्हूण काम सोपूंक ना तर कामाक आतांच सुर्वात जाल्या हे भावनेन आमी पेंगट बांदपाक जाय अशें मत तो मांडता. वल्लीचे हे विचार कोकणी खातीरची तळमळ काळजांत घेवन वावुरपी दरेका वावुर्प्याक प ले, हातूंत दुबाव ना.

कोकणी व्हड जातली जाल्यार कोकणी मनशाचें विचारविश्व विसतृत जावंक जाय, हो वल्लीचो आग्रो. कोकणी रयतेच्या वैचारीक भलायकेविशींचो ताचो हुस्को साहित्य निर्मणेच्या आंगांन विचारांत घेवपाक जाय. मनरिझवणे कडेन आशिल्लो कल वाडपांत गैर कांयच नासलें तरी वैचारीक, संशोधनात्मक साहित्याचो दुकळ दोळ्यांक खुप्ता. वल्ली हे तृटीचेर बोट दवरतना आमच्या दोळ्यांत तेल ओत्ता. कोकणी मनीस कुडी भिर्तले मतीक खाण दिना म्हणपाचें ताचें निरिक्षण आमचे भितरल्या कितल्या जाणांक चिंत्पाक लायतलें काय?

साहित्यांतले आत्मसंतुषटतायेचो उल्लेख वयर आयला. आमचे मदले कांयजाण स्वताचे मोटवेंपण सोबोवन व्हर्पाक हेरांची उंचाय मेजतना चुकीची फूटप ी वापरतात. 'तूं म्हजी फाट थापट, हांव तुजी तुसत करतां' असे तरेची वृत्ती साहित्याच्या वट्ट पांवड्याक सकयल घेवन येता. तटस्थ विम्रष घेवप म्हणजे वायटपण आपोवन हाडप अशें म्हणत आमी तुसतीची जी वाट धरल्या, तिचे पसून कोकणी साहित्याक खरी भिरांत आसा. वल्ली आपले खाशेले शब्दकळे सयत हें सत सांग्ता.

समाजमाध्यमांनी भौसांमदीं केल्ली रीग आनी तिका लागून समाजांत तयार जाल्लीं 'तोटां– बेटां' हो वल्ली मदल्या विचारवंताच्या हुसक्याचो आनीक एक विशय. ह्या पुसतकांत ताचे सामाजीक जाण्विकायेक पर्गटावपी साबार लेख आसात. मनीसपणाचो धर्म जागोवपाचो वल्लीचो हावेस ह्या बर्पांत पावला कणकणी दिसता.

बऱ्याच तेंपान एक बरें पुसतक वाचिल्ल्याचो अणभव चिकित्सक वाचप्याक वल्लीची ही नवी निर्मणी दितली. ताच्या हातांतल्यान अशेंच भोव– तासांचे बरवप जावचें हेच म्हजे आवंडे.

**– राजू नायक**
(संपादक– लोक्मत)

# चार उतरां शाणेपणाचीं



समाजीक आदान–प्रदान ही समाजशासतरांतली एक म्हत्वाची संकल्पना. मनीस हो समाजपरीय प्राणी आनी समाज अनेक चोमब्याचो तशेंच अनेक प्रकार्च्या मनशांचो. ह्या विंगड विंगड मनशांमदीं विचारांचें दिवप घेवप चालू आसता. पिराय, नातेसंबंद, धर्म–पंथ, रिवाज, वेवसाय वेगळे आसून लेगीत गांव, प्रांत, देश, भाशा अशा रासवळ भावनेन विचाराचें आदान– प्रदान जाता.

पांच विंगड विंगड लिप्यांनी संवसारभर फांफडिल्लो कोंकणी समाज हो एक व्हड भाशीक चोंबो. ताका एका सामान सुत्रान एकठांय हाडपाचो यत्न कर्पी बाब वल्ली क्वाड्रस पयणारी.कोम ह्या उपक्रमावरवीं संवसारांतल्या पुराय कोंकणी समाजाकडेन एक भावनीक नातें निर्माण करता.

पयणारीच्या दरेक अंकांत ताणें बरयिल्लें संपादकीय म्हळ्यार कोंकणी भास, कोंकणी मनीस आनी कोंकणी संसकृताय हांचे फाटभुंयेर वेग्वेगळ्या विशयांचेर केल्लें विचारमंथन.

ताच्या विचारांचो आवांठ मऱ्यादीत ना. तो स्पश्ट दिस्पी विश्यांचेर भाश्य करताच पूण सादारण मनशाचे आकलन शक्तीभायले विशय लेगीत मुखार हाडटा, जांचेविशींचीं जागृताय कर्ची, एक सामाजीक बांदीलकी मानून घेवपी सर्जनशील लेखक म्हण ताका गर्जेची दिसता.

मास्क, शिक्षण आनी योग्यता ह्या पयल्याच लेखांत ताचे पोटतिडकीची जाणीव जाता. कोंकणीच्या नांवान फकत तोंडान उलोवन जायना, ताचेपासत काऱ्य म्हत्वाचें. कोवीड १९ उपरांत निर्माण जाल्ले परिस्थतीक लागून एक वेगळें वासतव कशें मुखार आयलें आनी त्या संद्रभांतल्यान नव्यान निर्माण जाल्ल्या आव्हानांचेर जैत मेळवचेखातीर भाशेचे उद्रगतीचे नवे आयाम सोदप कशें गर्जेचें हाचेर बाब वल्ली क्वाड्रस बरेतरेन उज्वाड घाल्ता.

साबार विशय आनी ताचीं चिंत्नां वाचप्याक अंतर्मूख जावन विचार करूंक लायतात. भाशा ही आपलेआपूण तिगून उर्ना तर ती तिगवची पडटा. संवसारांतल्यो असंख्य भाशा बदल्त्या काळापरमाण नश्ट जावन गेल्यात आनी नश्ट जायत आसात अशा लुप्त जाल्ल्या भाशांविशीं आमकां दिसांदीस वाचूंक मेळटा. भाशा अभ्यासक गणेश देवी म्हंटा. ''भाशा केन्नाच स्वता जावन मर्ना, तर तिका मारप जाता. भाशेचें मरण हें एखादऱ्या दोंग्रावरी. एखाद्री म्हस आमकां मरताना दिसता; पूण दोंगर नानपयत जाला आमकां दिस्ना. ताचे वादऱ्यो जाल्ले फातर– गुंडे, माती ह्या माध्यमांतल्यान आमकां दोंग्राचें मरण जाणवता. भाशा नानपयत जावंक अनेक वरसां वच्चीं पडटात. भाशा तिगवचे खातीर ते भाशेंतल्यान जावपी अर्थीक, समाजीक वेव्हार तिगुंक जाय. देखून भाशेच्या असतित्वाचो प्रस्न म्हत्वाचो जाता."

कोंकणी तिगची आनी उद्रगतीक पावची अशी आसत दरेक कोंकणी मनशाक दिसप सभावीक. कांय जाणांक तशें पोटतिडकीन दिसता जाल्यार कांय जाणांखातीर तो एक पबलिसिटी स्टंट. राजकी पक्ष आनी फुडारी हांचेखातीर तें आपले उंडे भाजून घेवपाचें तयार खोर्ण. अशे परिस्थितींत तर्णे पिळगेक मुळावो प्रस्न पडटा तो म्हळ्यार आपणें कोंकणी कित्याक शिकची? जें काम इंगलिशींतल्यान जाता तें कोंकणीतल्यान जावंक जाय असो ह ` कित्याक? असल्या सवालांक लागून मायभाशेची आपले जिणेंतली सुवात आनी तिचें स्वरूप घेवप काळाची गरज. वल्ली बाबाचे चडशे लेख आमच्या ह्या मुळाव्या भाशीक असतित्वाविशीं खोलायेन सोद घेतात.

भाशा फकत संपर्काचें साधन न्हय. आपले विचार, भावना, कल्पना वा हेतू दूसऱ्यामेरेन पावतकच भाशेचें काऱ्य सोंपना तर सुर्वेक बऱ्यिल्ल्या प्रमाण सांसकृतीक आदानपरदान

कर्पाचें भाशा हें एक माध्यम. संसकृतायेचें पडबिमब भाशेंत दिसता. भाशेबगर संसकृताय कशी आसूं येता? देखून भाशा शेणली जाल्यार संसकृताय शेणटा, संसकृताय शेणटकच सभ्यताय सोंप्ता आनी सभ्यताय सोंपली जाल्यार अराजक निर्माण जाता अशें म्हणटात. ह्या संग्रहांतले लेख ह्या विचारांकडेन बरेच लागीं आसात.

संग्रहांतल्या साबार लेखांचेर चड विसतारान बरवप म्हळ्यार एखादऱ्या सस्पेन्स सिनेमाचे रहस्य पयलींच सांगिल्याभशेन जातलें. दरेकल्यान बारीकसाणीन वाचून तांचेर आत्मचिंतन करप चड गर्जेचें. ज्या काळाचे फाटभुंयेर ताणें हे लेख बरयल्यात ताचें भान दवरीत जाल्यार तातूंतल्यान प्रबोधन कर्पी अर्थबोध जांव येता.

सद्याच्या काळांत अल्पकालीक राजकी लावाखातीर फुडल्या कितल्याच पिळग्यांच्या भविश्याचें लुक्साण कर्पी तशेंच स्वार्थाखातीरआनी संप्ती जमवचेखातीर राजकी व व्यक्तिगत इमान घाणाक दवरपी राजकी फुडारी. 'विचारवंत' हें पद नेटान मिरवपी, पूण कसलेंच समाजीक दायित्व न मानपी साहित्य, कला आनी वेवसायीक सेवा देशाक आनी प्रांताक फुडें व्हरतात कांय फाटीं? असो प्रस्न कोणाकूय पडप सभावीक. समाज जसो जसो सुशिक्षीत जातलो तेपरमाण तो अदीक विचारी, विवेकी, विनयशील आनी सुसंसकारीत जातलो हो आदले पिळगेच्या पुरोगामी विचारवंतांचो अद्मास फट जाता काय कितें? असोय दुबाव दिसता. संवसारीकरणान उक्ते केल्ले खाजगी बाजारपेठेचे सर्तींत आपापलीं उत्पादनां खपवपाचें पिशें प्रसारमाध्यमांतल्यान हिस्पाभयार व्यक्त जाता. नव्यान आयिल्लो पैसो उर्मट आनी मदाचे प्रवृत्तीक सारें घालून वाडयतना जनतेमदीं वंटी बांदपाचो नवो वेवसाय निर्माण करता. सोशल मीडिया असभ्य भाशा आनी हिंसा हांचें सम्रथन करीत नाग्रिकशासत्राचे सादे नेम आनी संकेत विस्रायेर घालूंक लागला. म्हापुरसांचें नांव घड्डी घड्डीक घेत तांच्या विचारांक मात समाजान पराभूत केल्यात. आपल्याक फायद्याचें आसा तितलेंच वेंचून, नव्यो फटकीऱ्यो घोश्णा तयार करून झुंडशाय पोस्पाची संव्य वाडीक लागल्या. हांतूंतल्यान सादारण लोकांच्या मनांत राग, लोभ, दुस्वास, हिंसा हे दुस्मान विखावरी भरसल्ल्यान फट अपेक्षेन तांकां कुड्डे केल्यात.

ह्या वातावरणांत वल्ली क्वाड्रस हाणें आपली लिखणी नव्या तंत्रगिन्यानाच्या माध्यमांतल्यान समॅस्त कोंकणी समाजाक एक नवी नदर दिवंचेपासत झरयल्या. फुडारावटेन बोट दाखवपी ताचे विचार नवे पिळगेक नवो मार्ग दाखयतले.

**शैलेंद्र मेहता**

# कोंकणी २५ वरसांनी आनी फुडें

४ फेबरेर १९८७: कोंकणी भास गोंयची राज्य भास म्हणून मांदून घेतली. २० अगोसत १९९२: कोंकणी भासेक भारताच्या संविधानाच्या आटव्या वोळेरिंत रीग.

कन्नड लिपियेच्या कोंकणिंत अजीक लगबग पंचवीस वर्साधीं मंगळुरांत तशेंच मुंबयांत थोडीं लोकामोगाळ पतरां छापून येतालीं; मुंबय थावन 'पयणारी' जांव, मंगळूर थावन 'राकणो', 'मित्र', 'उदेव' हफ्त्याळीं तर, 'काणीक' पंद्राळें, 'झेलो', 'सेवक', 'उमाळो', 'आमची मांय' आनी थोडीं हेर मयन्याळीं पतरां, 'अमर कोंकणी' स-मयन्याळें पत्र आनी हेर थोडीं पतरां. भूरग्यां खातीर आसलीं 'जेजुराय', 'काजुलो' पतरां. युवजणांक 'आमचो युवक' पर्त. अशें ह्या पतरांक जायते वाचपी आसले आनी ह्या पतरांनी पर्गटून येंवच्या सांकळ काणियांक/कादंबरिंक सयत वाचुंक आनी तांचेर आपली प्रतिक्रिया दीवंक जायते वाचपी आसले. गांवांत तशेंच पर्गांवांत सयत ह्या पत्राचे वर्गणदार आसले, खूब वाचपी आसले. सभार कोंकणी बूक पर्गटून येताले आनी लोक सयत ते बूक मोलावन वाचतालो. हें साहितीक स्थराचेर तर, कला-सांसकृतीक स्थरार सयत तवळ-तवळ नाटक, संगीत-सांजो पळेवंक वेच्या लोकाचो संखो चड आसलो. मनरंजनाच्या नद्रेन सयत फिल्मां मात्र दुस्रो निर्वोग जावनासलो.

हेच्च काळार टिवीन आमच्या देशांत अपलें अस्थित्व धाखवंक धरल्लें मात. शेरांनी आसच्यांक डिडी मेट्रो चानल मेळतालें तर ग्रामीण प्रदेशाच्या लोकांक फकत डिडी चानल मेळतालें. हफ्त्याक एक फिल्म चड जावन लोकांक पळेंवचो आवकास आसतालो. कंप्यूटर आयिल्लें मात्र आनी ताची क्रांती सुरू जावंक नातल्लो काळ तो जावनासलो. मोबायलां सयत नातलीं देकून लोकाक अपल्या मोगाच्याच्यांसवें संपर्काक फकत कागदां आशार पाशार करुंक पडतालें. गांवांनी सयत नाटक, खेळ, जात्रे, उत्सव, सर्कस गांवार गांव सदांचें जावनासलें, हांचेमधें पर्गटून येंवचें साहीत चडीत लोकाक खायस जातालें.

गांवांनी तशेंच पर्गांवांनी वसती कर्तेल्या कोंकणी लोकांनी वेवेगळीं 'संघटनां' घडून कोंकणी जिवाळ उरवंक जायती मिनत केली. गांव-पर्गांव, देस-विदेश अशें कोंकणी कलाकारांक सयत एका थराचो थेंको लाभतालो. हेच्च काळार मुंबयांत 'दिवो' हफ्त्याळें सुरू जालें. कोंकणीक आमच्या देशाच्या संविदानाच्या आटव्या वोळेरिंत स्थान लाभलें म्हणतच कोंकणी भासेक नवें त्राण लाभाजय आसलें पूण हेच्च वेळार टिवी, कंप्यूटर मोबायल आनी इंटरनेट क्रांतीन एक तांत्रीक प्रगतेची वाट रुतां केली. टिविंनी नवीं च्यानलां येवंक सुरू जालीं. प्रांतीय भाशेचीं च्यानलांनी लोकाचो वेळ कयद केलो. मोबायलांनी

कागदां बरवन दीस/हफ्तेभर राकून रांवची अनिवाऱ्यतेक एक पऱ्याय वाट करून दिली, इंटरने ान खिणान माहेत आनी गिन्यान दीवंक लाग्ताना खरेंच जावन दिसानदीस बुका/पतरांरुपार छापून आयिल्लें साहीत वासची सवय उणीं करुंक लागलो. थोडेच्च वरसांनी सभार कोंकणी पतरां बंध पडलीं; 'उमाळो', 'उदेव', 'काणीक', 'मित्र', 'उमाळो', 'पयणारी', 'कुरोव', 'झेलो' हांतलीं प्रमूक पतरां. वाचप्यांचो संखो देंवोन येवंक लागलो आनी बरवप्यांचो संखो सयत दिसान दीस उणो जावन आयलो.

हें पत्रिकोध्यम/साहीत शेताची गजाल तर, माध्यम–कला–संस्कृती शेतांत सयत; टिवी सीरियल्स, डोक्युमेंटरी, फिल्मां आयलीं पूण लोकांचो जोक्तो पाटिंबो नासताना बंध पडलीं वा उणीं जावन आयलीं. कला–सांसकृतीक स्थरार सयत हाचो परिणाम दिसून येवंक लागलो; कोंकणी नाटकां, संगीत–सांजो, कोवळ्यांचो संखो उणो जावन आयलो. आनी नाटकांक तशेंच संगीत सांजेक सयत येंवच्या लोकांचो संखो देंवून आयलो. हरयेका हफ्त्यांत एक म्हळ्ळेपरीं मुंबयांत जावन आसले नाटक मयन्याक व दोन–तीन मयन्याक एक म्हळ्ळेपरीं देंवून आयले.

तांत्रीक प्रगतेचो थेंको घेवन कांय जाळिजाग्यांनी कोंकणी साहीत पर्गटून येवंक सुरू जालें. पूण तांत्रिकतेन सयत तितली प्रगती जावंक नातली देकून इंटरने ाचेर आसची कोंकणी साहितीक कृषी सयत एकाच्च मापान लोकामोगाळ जालिना. पूण दिसानदीस वाचप्यांचो संखो चडून येतालो म्हळ्ळें नख्खें. पयलें मायभास.कोम, उपरांत दायज.कोम अशें कोंकणी साहित्याक सीमीत जाल्ले जाळिजागे उदेले. ई–बूक पर्गटून आयले, ई–काण्यो, ई–कादंबरी आयल्यो पूण एक पर्नो समस्सो अजून तसोच्च आसलो 'वाचप्यांचो संखो उणो जांवचो'. हाचेसवें हेर थोडे समस्से आज आमचेमुकार आसात;

आज आमचेसमोर उभे आसचे समस्से चडताव प्रांतीय भासेंतलेच;

१. अजून सयत आमची समाज 'धर्म केंद्रीत' शिवाय 'भास–संस्कृती केंद्रीत' न्हय.

२. भुर्ग्यांचें प्राथमीक शिकप इंगलिशांत जाता आनी आवय–भास एक ऐच्चीक भास जावन मात्र उरल्या.

३. कोंकणी लिपिवाद आमकां संघटीत करुंक एक भोव व्हड शर्थ उभें करता.

४. वाचपाचो हव्यास उणो जाल्लो, तशेंच लोक जसो पतरां थावन टिवीक, टिवी थावन मोबायलाक गेल्लेपरिंच वाचतेल्यांक सयत जाता तितलें मटवें आनी उणें वाचुंक जाय (म्हळ्यार वेळाचो अभाव)

५. स्थळांतर समस्सो – जायतो लोक जायत्या कारणांक लागून ग्रामीण परिसराथावन शेरांक स्थळांतर जाताना, चडताव लोक वाचपाथावन पयस रावता.

६. थोडेच्च लिपिंक मान्यता – केंद्र साहीत अकाडेमिचो पुरसकार फकत्त 'नागरी' लिपीक प्रमूक जावन लाभता शिवाय हेर लिपिंत आसच्या साहित्याक ती वाट सलीसायेची न्हय.

७. कोंकणी आज सयत 'सायलो (अयसोलेट)' रितीन जियेवन आसांव – गोंयांत कितें जाता म्हळ्ळी माहेत मंगळुरांत जांव केरळांत जांव ना. केरळांत कितें जाता म्हळ्ळें मुंबयांत माहेत ना. अखील भारतीय म ाचें संघटन आमचेलागीं आसा पूण अखील भारतीय म ाची माहेत आटापचें एक पत्र जांव एक जाळिसुवात जांव आमचेलागीं ना. राज्य–राश्ट्र म ार जांवच्या परिशद/सम्मेळानी सयत संवाद–परिसंवादांनी फकत्त एकाच्च राज्याविशीं वा एकाच्च लिपिविशीं वा एकाच्च समुदायाविशीं मात्र चडताव उल्लेक/विवर आटाप्ता शिवाय 'अखील भारतीय कोंकणी – जी समॅस्त लिपी, राज्य, समुदायांक' आटापलेलेविशीं उलवप जांव वाचप जांव आमकां मेळाना – हें भोव व्हड दुरंत.

८. भासेचें प्रमाणिकरण ('स्टांडर्डयजेशन'): कोंकणी भास च्यार राच्यांनी कांय पन्नासां वयर समुदाय उलयता. पांच अधिकृत लिपियांनी व्हापारतात म्हणतच हें भोव गर्जेचें. भासेचो व्हापार, बर्परीत (ओर्थोग्रपी) एक व्हड समस्सो जाला. जेदनां लिपियांतराचो वावर जाता तेदनां हो समस्सो आमचेमुकार उभो जाता.

बरे दीसयी आयल्यात वा फुडें ते येंवचार आसात:

१. कोंकणी भाशेंत शिकेल्यांक 'फुडार' साध्य आसा.

२. आतां प्रिंट माध्यमापरिंच ई–माध्यमांत सयत कोंकणी साहितीक कृषी जायती वाडल्या आनी ताका वासचो लोक सयत चडून आयला. आज कोंकणी भास/साहीत/संगीत/कला हाच्या प्रचाराच्या इराद्याचे सभार जाळिजागे आसात – तेयी वेवेगळ्या लिपियांच्या वाचप्यांक सलीसायेन उपलब्ध जावनासात.

३. कर्नाटकांत इस्कोलांनी कोंकणी शिकयतात, कोंकणेंत पद्युत्तर शिकपाक वेदी आनी कोंकणी अध्ययन पीठ सयत मंगळुरांत स्थापीत जालां.

४. तांत्रीक प्रगती जायती वाडल्या. तांत्रिकतेचो उपेग करून आमी कोंकणी भास विसतारुंच्यो वाटो आमी करुयेता; जशें वाटसापाचेर आज सभार साहितीक, भासीक, कला–सांसकृतीक पंगड करून, देस–विदेशाच्या कोंकणी मोगिंक कोंकणेखातीर वावर करुंक एकामेका थेंको मेळता. हें इतल्यारच सीमीत ना – भाशेविशीं, बोलिविशीं, कोंकणी सब्धांविशीं, साहिताविशीं एकामेका स्पंदन करुंक सलीसायेची वाट आसा. यू–व्यूबा मुखांत्र आमी रेकोर्ड केल्लें साहीत वा संगीत खंच्याय प्रदेशाच्या व खंच्याय लिपिच्यांक पाववंक एक सलीसायेची वाट आसा. हांगासर 'भास' म्हळ्ळें सिंतिमेंत गर्जेचें पूण 'गूणम ' म्हळ्ळें भोव गर्जेचें.

५. ई–बूकांचो संखो चडाजय, आनी चडीत लिपियांनी तो आसुंक जाय, लिपियांतर हांगासर भोव महत्वाचो पात्र घेता – सुर्वात जाल्या पूण ह्या दिशेन जायतो वावर करुंक साध्य आसा.

अखेर करच्याधीं: एक गर्जेची संगत आमी सर्वांनी समजुंक जाय जाल्ली जावनासा – संघटन जांव, सर्कार जांव, मुखेली जांव – फकत्त घोड्याक उदकालागीं व्हरुंक मात्र सक्तीत शिवाय, तें उदाक फकत्त घोड्यान पियेजय. म्हळ्यार कोंकणी आमची भास आनी ती आमी पयली एक वर्ती जवाभदारी जावन घेवंक जाय आनी पाळुंक जाय – तेदनां मात्र कोंकणेच्या बरया 'फाल्याचीं' स्वपणां आमी आज करुयेता. नांतर असलीं उलवपां आमी फुडल्या पंचवीस/पन्नास व ताच्याकी चडीत वरसां परयांतयी उलवनच उर्तेल्यांव. देकून आमचें एकच्च सूत्र, तंत्र, मंत्र आसुंक जाय; 'कोंकणी उलय, कोंकणी उरय, कोंकणी आमची आवय'

[कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमीन २०१८ इस्वेच्या फेबरेर १० तारिकेर दांडेलिंत आसा केल्ल्या कोंकणी मान्यतोत्सवांत आसा केल्ल्या संवादांत, महाराश्ट्राचें प्रतिनिधित्व केल्ल्या वल्ली क्वाड्रसान प्रसतूत केल्लें उलवप]

# मास्क, शिक्षण आनी योग्यता

रानांनी रूक–रान्वटी जीवीं मधें एका तेंपादीं जियेवन आसल्लो मनीस अपल्या सुका–सवलतेक लागून रुकांक खातर्न, जीविंक मारून अपलें कुटम रुतां करून जियेवंक लागलो आनी ह्या प्रक्रियेक 'नागरिकता (civilisation)' म्हणून लेकून जियेलो. मनीस संगजीवी; कोणयी एक्सुरो जियेवंक सकाना देकून अपूण, अपलें कुटम, अपलीं–पेलीं, सेजार, समाज, गांव रचून दीस गेल्लेपरिंच रानाक विस्रोन आयलो. फात्राचीं आयदां वापार्न जियेंवचो मनीस यंतरांचें अविश्कार करून दोंगोर, गांव खिणान धुस्पटंवचीं आयदां एकटावंक लागलो. उपरांत उदेल्यो गडी, त्या गडीक राकुंक वोंय, दोरे तशेंच राकवली. आनी चरित्रेचीं पानां उसतिल्यार आमकां थोड्याच उतरांनी वाचुंक, पळेवंक, समजुंक मेळचें इतलेंच. भाव भावासवें, सेजार सेजारासवें, गांव गांवासवें, राज्य राज्यासवें, राश्ट्र राश्ट्रासवें झुजता वा शाण्विकायेचो कोयतो पाजता तर असल्या गडिंक लागून. पूण रानांनी जियेवन आसच्या जीविंक जांव, स्वतंत्र आकसार उभतेल्या सुकण्यांक जांव कसल्याच गडिंची बंधड ना म्हणतच 'नागरीक' मनशान जेदनां प्रकतीक पयस करून अपलो कृतीम (artificial) संसार रचून केल्लें म्हळ्यार अपणानच अपणाकच बंदी करून जियेंवचें.

ह्या संसारान ह्या आदीं खर्गां पळेवंक नांत म्हणून ना. खर्गां, विघ्नां, म्हा–झूज, दुकोळ, आवर, म्हा–पिडा दरबसत आयल्यात आनी मनीस अजून 'आपूण भळवंत, अपूण बुध्वंत, अपूण शाबीत, अपूण शाश्वत' म्हळ्ळ्या भृमिदेंत अजून जियेवन आसा. आनी ह्या भृमिदेंतलो मनशाक भायर हाडुंक २०२० वर्सान तरयी प्रयत्न केलां जशें वेळाकाळान धर्तेच्या

सुर्वातेथावन हें प्रयत्न केल्लेपरीं. पूण २०२० काळ आमी जियेल्लो काळ देकून लांभ चरित्रा उसतिनासतां अजीक कांय चाळीस–पन्नास वरसां पाटली चरित्रा पळेली तरयी आमकां वाचुंक, समजुंक मेळता; मनीस शेतां–भाटांनी, तोटां–बेटांनी घोळून आसलो. प्रकृतिसवें लागशिलो संबंध (नातें) जोडून आसलो. क्रमेण टिवी म्हळ्ळ्या पिश्या डब्ब्यांत (Idiot Box) भितर रिगलो. घरां घरांनी टिवी आयिल्लीच, त्या टिविंनी देशी विदेशी जाहीरातांनी आमची न्हेस्पाची, जेवपाची, खावपाची आस बदलुंक सकली. इतलेंच न्हय, आमी आमची संस्कृती खिणान सोडून, अर्थ जायनातल्या संसकृतेचे गुलाम जाल्यांव. हांगासर प्रकृतीक नातें तशेंच मनशा नातीं, मनशा मोलां सयत बारीक जावन आयलीं. अशें टिविंनी रीगल्लीं आमी उपरांत अंतरजाळिंत रिगल्यांव, माहेत, जाण्वाय, गिन्यानाचो पाटलावन करून उपरांत मोबायलांनी गुसल्यांव. मोबायलां, स्मार्ट फोनांनी आमकां एक अथवो संसार रचून दिलो वा आमिंच तो रचलो. जियेंवची रीत बदल्ली, दीस्पडती जीण सयत ह्या ल्हान मोबायलान बदलिली.

बदलावणेक विरोद चिंत्पाचो हांव न्हय, बदलावण सहज तशेंच गर्जेची. पूण ह्या बदलावणेंत आमी कितें सांडून आयल्यांव, कितें होगडावन आयल्यांव म्हळ्ळें एक घडी नियाळ कर्चोच म्हजो इरादो.

एका तेंपादीं गांवार गांव फेस्तां आसलीं, सयरीं–नातीं एकामेका वर्साक एक पावटीं तरयी मेळचो एक सुयोग हीं फेस्तां–सोभाणां करून दितालीं पूण आतां मोबायलांनी तांत्रिकता वापार्न जेदनां जाय तेदनां आमी आमच्या सयऱ्यांक, नात्यांक पळेवंक, उलवंक तशेंच संपर्क करुंक साध्य जाता. पयलें तप्पाल एक माध्यम आसलें, टेलिग्राम अन्येक माध्यम आसलें पूण आज कांय शेंभोरांनी माध्यमां आसात, तीं तप्पाल, टेलिग्राम वेवसतेच्याकी भळवंत तशेंच फुंक्याचीं. इतलें सर्व आसूनयी आज लाचार आनी गरीब जाला मनशा भांद. आमच्या मोबायलांनी सर्व आमच्या कुटमा–नात्याचीं, सयऱ्यांचीं नंबरां फिचार केल्लीं आसात, संपर्क कर्च्यो जायत्यो वाटोय आसात; जांव इमेयल, वाटसाप, फेसबूक, मीट, झूम.... इतलेंच न्हय, आमीं आमचे संधेश (टेक्सट, आडियो, विडियो रूपांनी) रेकोर्ड करून सयत फुंक्याक धाडुयेत, तरयी आमीं दीस गेल्लेपरिंच शेवोट नेणासच्या दिशेन धांवून आसांव, आमचेलागीं वेळ ना, चिंतुंक सयत वेळ ना. फकत धांवणी आनी पुंजावणी कर्चोच आमच्या जिविताचो उद्देश म्हळ्ळ्या धृड पात्येणेंत आमी जियेवन आसांव.

२०२० इस्वेंत आमी शिकुयेत जाल्लीं सभार लिसांवां आसात. तांतूं फकत तीन विश्यांचेर हांव नियाळुंक आशेतां; मास्क, शिक्षण (Education)/योग्यता (Qualification):

कोंकणी वावर म्हळ्ळो समाजीक जाळिजाग्यांनी भोव सवायेन पळेवंक मेळचो जाला: चडतांव संस्थ्यांनी पात्येंवचें/चिंतचेपरीं वावर म्हळ्यार; कांय धा–वीस जणांक एकटांय कर्चें, एक वेदी आसा कर्ची, तांतूं थोडीं कदेलां आनी मेज. थोडे फुलांचे बुके. वेदिचेर एक अपुर्भायेन तयार केल्लें ब्यानर, आनी त्या वेदिचेर मांडून दवरलेल्या कदेलांनी बसतेल्यांची शिफारस केल्यार सर्ग मेळता म्हळ्ळ्या चिंत्पान तांची होगळीक आनी वाखण्णी आनी मुकल्यान फोटो काडतेले, विडियो रेकोर्ड कर्न समाजीक जाळिजाग्यांनी घाल्तेले आनी ह्या तसचीरेंक पतरांनी जाहीरातेरुपार मूकपानाचेर सयत छापचे खोंकली संपादकांनी खरेंच जावन कोंकणीक 'खोंकली' कर्च्यांत प्रमूक पात्र घेतला. आनी हाजर आसल्ल्या मत–गत नातलेल्या धा–वीस जणांक खावंक–जेवंक दिल्यार जालें. जालो कोंकणी वावर. वर्साक एक व दोन असलो डोंग जाल्यार जालें कोंकणी उद्दार. हें कांय घडपांकाणी न्हय बगर हकीगत.

भास/संस्कृती/कला सोड्यां, साहितीक संस्थे पळेव्यां; मुंबय शेरांत कोंकणी चळवळेची बुन्याद जाल्ली तरयी महाराश्ट्रंत अजून 'कोंकणी अकाडेमी' ना म्हळ्ळीं दुकां वर्साक एक पावटीं पुणीं काडचीं सिस्री संयबाचीं अजून आसात. पूण हेर राज्यांनी आसच्या अकाडेमिंक आनी तांचो वावर पळेल्यार साहित्य अकाडेमी सयत आसची कोणाचीं बोल्सां भरुंक आनी नांव कमावंक सोडल्यार साहितीक वाडावळेच्या नद्रेन तांकां कितेंच पडून गेल्लें ना. सक्कड सोड्यां, तांकां 'साहित्य म्हळ्यार कितें?' म्हळ्ळें प्रश्न केल्यार तांचेलागीं वोडल्यारी जीब आसचिना. तांचिंय कामां दाकवपाक वेदिकाऱ्यीं कर्चीं आनी खबरो (News/Hype) छापच्यो. एक घडी चिंत्यां; कितें, आमी फकत खबरो आनी गर्जेभायलो आवाज (हैप) कर्तच साहित्य उद्दार जाता? कोंकणी संघटनांनी चड करून कर्चें इतलेंच. साहित्य अकाडेमी तसल्या संस्थ्यांनी मुंबय तसल्या प्रांतीय दफ्तरांत कर्चेंय इतलेंच. तांकां सर्काराचो दुडू गळसिल्लो दाकलो दिल्यार जालें. आनी ह्या साहितीक भेटेंक सयत कंय थावन कोणाक आनी कितलेपावटीं आनी कशें हाडंवचें आनी अशें केल्ल्यांक आमकां कसलो आदाय आसा म्हळ्ळें सयत लेक जाता. आनी ह्या भोंगोसतोळाक कोंकणीक 'घासचें/पुसचें' आनी दंदो चलंवचो पळेताना तांचेर खरेंच जावन वोंकारे येतात. आतां तुमिंच सांगा; हें 'शिकप' वा 'योग्यता?', दोनयी एक न्हय, वेग–वेगळें. गाडवाक डिग्री दितच गाडांव शिकपी जरूर जाता पूण 'योग्य' न्हय. कोंकणी फुडाराची खंत हुस्को म्हळ्ळें मास्क न्हेसून वर्साक एक–दोन पावटीं पुसकी मार्तच कोंकणी फुल्ता? हें प्रश्न असल्या नालायकांलागीं विचार्चें गर्जेचें. उपरांत लिपी, बोली, प्रांत्य, धर्म, जात, उंचली जात–सकयली जात म्हळ्ळ्यो गडी. आनी कितल्यो चड गडी तितले शाबीत हे.

शिक्षण आनी योग्यता दोनयी एक न्हय; वे–वेगळें. हें कोंकणी भास आनी कोंकणी फुडाराच्ये नद्रेन घेंवचें भोव गर्जेचें.

एका तेंपादीं रानांत जियेवन आसल्ले दीस नाकात, पूण थोड्याच शेकड्याचो इतिहास आमी घेतलो तर गोंय थावन कोंकणी लोक पोळून गेलो. पोळून गेलो म्हळ्ळें उतर अढूक दिसत तर 'जाग्यांतर' जालो म्हणतां. कारणां कसलींय आसुयेता; धर्मीक बंधड, भासीक बंधड वा समाजीक अनिवार?यता. पूण हेच वेळार आमच्या देशाची राज्वटकी करुंक आयिल्ल्या वेग–वेगळ्यांनी; जांव इंगलीश, पोर्चुगीस वा हेरांनी सयत सभारांक धर्म परिवर्तीत केलें आनी कोंकणी लोक समाजीक नद्रेन गरीब आनी कश्टी जावनासलो जाल्ल्यान असल्यांची शिकार कर्चें काम तांकां सलीसायेचें जालें. आनी गोंया भायर कोंकणिच्यो रोंपियो ताणीं रोयल्यो आनी कोंकणी फुल्ली आनी पालेली. त्या वेळार सयत शिकप नातलें म्हण लेक्यां. पूण तांकां समजणी आसली. आज आमचो कोंकणी लोक कित्तून पावला? आज आमच्या कोंकणी लोकालागीं शिकप आसा, सनद्यो/डीगऱ्यो आसात, पोसट ग्राजुयेट, दोतोरगिरी, वैग्यानीक तकली, कृतीम मुध्वंत्काय Artificial Intelligence आसा. पूण इतलें सयत आसूनयी आमी जेराल रितीन कंय आसांव? आमची समजणी आमच्या पुर्वजांच्या समजणेच्याकी वर्ती आसा? आमचेलागीं डीगऱ्यो आसात, सर्टिफिकेटो आसात, पूण कोंकणिच्या फुडाराच्या नद्रेन अजून आमचें चिंतप 'मांड–कुर्पोणेचेंच' शिवाय हेर कितेंच ना. अजून आमचे 'शिकपी वर्गाचे, विध्वान म्हण लेकचे' नव्यो गडी घाल्च्यांत अपली बुध्वंत्काय मांदतात शिवाय ह्या गडिंक पुसून काडचे दिशेन जांव केल्लीं वा कर्चीं कामांय दिसाच्या उज्वाडांत चुडी घेवन सोधल्यारी दिसानांत. आज पासोन 'कोंकणी' एक 'खोंकली' करून कोंकणीक उस्मोडेची पिडा हाडयल्या तर असल्याच 'शिकपी/विध्वान' वर्गान म्हळ्यान अज्याप ना. नांवातेकीद सर्काराचो दुडू घेंवचे संस्थे आसतीत पूण तांचोय प्रमूक इरादो दुडू भोखांवचो आनी लोकांक फटंवचो सोडल्यार कोंकणिच्या फुडाराचे दिशेन तीन कासांचें काम सयत कर्ची योग्यता तांचेलागीं ना. ह्या दिशेन मुकल्या पिळगेक सयत फटकिरी काणी घडून बनांवचें काम भोव वेवसतीत रितीन जावन आसा. आनी आमी कोंकणी फुडाराचे सुधारक म्हळ्ळीं मास्कां न्हेसून तीं आण्वीं लोकाक बनायतात आनी नागयतात.

जशें मोबायलांनी सर्व संपर्क माध्यमां आसूनयी आमची मत भाड्याक वेताना, आज डिजिटल माध्यमांत सयत दरबसत वाटो आसात ज्यो असल्या गडिंक पुसुंक न्हय तरयी, उत्रुंक मजत करतात वा त्या दिशेन कुमोक करतात पूण परत उदेता सवाल हेंच; आमचे पयकिंत 'योग्यता' आसचे आसुंक जाय शिवाय फकत 'शिकपी' न्हय.

# डिजिटल कोंकणिचो फुडार

फ्लेटाथावन आफिसाक वचपी म्हजे सदांचे वाटेर कांय तेंपाथावन व्हड व्हड बांदपां उबीं जावंक लागल्यांत. मायानगरिचें खाशेलपण हेंच; एका तेंपार खार्फुटी (Mangroves) जावन आशिल्ली सुवात लेगीत मोलादीक जाता. दीस गेल्लेपरिंच पोटाची व्याप्त, दिसप ो ग्रास सोदूंक देशाच्या आर्थीक शारांत येंवच्या लोकाचे खेटिंत जियेतेल्या मनशाक उबार सुवातींनी रावंक जाय. आनी हिंच सपनां विकपी बिलडरांनी आतां मुंबयत म्हेळें उदक वचपी गटारां, चिखल–घाणिची खार्फुटी सोडिनासताना तांचेर बांदपां उबीं कर्पाची येवजण सुरू केल्यार ती मोल दिवन घेवंक लेगीत गिरायकांचो उणाव ना.

हे म्हजे वाटेर उबीं जाल्ल्या आनी उबीं जावपी बांदकामाक लागून ओरिस्सा, आसाम, वा युपी/बिहार थावन आयिल्लो कार्मीक लोक, आपल्या कुटुमबासवें रसत्याच्या देगांनी टेंट घालून तांतूंत वसती करून आसतात . जेन्ना हीं बांदपां उबीं जातात, तोमेरेन हीं हांगासर घोळून उपरांत बिलडर खंय व्हरता थंय वचोन जियेतात . पूण म्हज्या आफिसाचे वाटेर हांव म्हजे गाड्येन वता आसताना सदांच रसत्यावयले बरेच पेटे नेटान भोंकीत म्हजे गाड्ये फाटल्यान धांवून येतात, जशें ते हेरांच्या गाड्ये फाटल्यानय धांवतात. पूण हांवें म्हजी गाडी राव्यली तर एकय पेटो भोंकींना, हांव गाड्येंतल्यान देंवलो तर चाबुंकय येनात. पूण हांव गाडी राव्यनासतना गेलों तर कांय रसत्यामेरेन हे पेटे भोंकून धांवत रावतात. चड चिंतची गरज ना. हे पेटे रसत्यावयले, ना ह्या बांदपाचे, ना ह्या बांदपाच्या कामाक आयिल्ल्यांचे.

एगसटाचे वीस तार्केक वर्सावळीपरमाण कोंकणी मान्यताय दीस मनयलो. त्या निमतान वर्साक एक पावटीं तरी आमच्या वर्तुळाभायर तेळुंक एक आवकास मेळटा तेंच कोंकणिचें भाग्य म्हणू येता. आनी त्या दिसा आमकां आयकुंक मेळपी साबार वीर-रसां मदले थोडे तरी उगडास कर्चे तर; 'कोंकणी पांच लिप्यांनी बरयतात, चार राज्यांनी उलयतात, चाळिसांवयर बोलिंनी उलयतात, तीन धर्मांची एक भास.' आयकुंक बरें लाग्ता, जशें भुर्गेपणाच्या लिसांवांनी शिवाजी महाराज, अकबर, अलेक्सांडर, पोरस, सुभाशचंद्र बोस, सम्राट अशोकच्यो वीर कथा आयकून आयिल्लेपरीं. कोंकणिच्या नांवान उब्यो केल्ल्या संघटनाचे मुखेली असले वीर-रस सांगून वचपाचो एक रिवाज जाला. पूण हीं वीर-रसाचीं गायनां गायतल्या कितल्या जाणांक पांच लिपी खंयच्यो हे खात्रेन कळीत आसा? चाळीस चडूच जाल्यो, कोंकणिंतल्या धा बोलिंचीं नांवां तरी कळीत आसात? हांतूंतल्या कितल्या जाणांक कोंकणिंत एक वाक्य बर्वंक वा वाचुंक कळीत आसा? हे व्हडले प्रस्न.

आमची दीश्ट आमच्या तळहाताभायर वचना अशा संद्र्भार आमी कोंकणी खातीर कितें चिंतुंक शक्तात हो व्हड प्रश्न. वीर रस जातच, सुरू जाता करुणा-रस. हांगासर कोंकणिचे करुणा वा व्यथेविशीं उलवपां; 'आमची कोंकणी भास गिरेसत भास, पूण लिपीक लागून आमकां एके लिपिंतलें साहित्य अन्येका लिपिंत वाचूंक मेळना' सामकें खरें, पूण हाचेपरस मुखार आमी कितें चिंतुंक शकल्यात? कोंकणी भास भारताच्या संविधानाच्या आटवे वळेरेंत रिगून कांय पंचवीसां वयर वरसां जालीं. पूण हे दिशेन कोणेंय वावर केला वा करप चालू आसा? पांच लिपी सोडाच, एकेच लिपिंत आमी पर्की . 'वाचप,' 'तोखणाय', 'समीक्षा', 'विशलेषणां', 'विमर्सो'- सगळें तोंड पळवन कर्पाच्या वा करून घेवंच्या दिसांनी कोणाचें वेवस्थीत लुक्साण जाता तर तें कोंकणीचेंच.

अन्येक रस (हो नव रसांतलो न्हय) आयचे तर्णाटे, आयचीं भुर्गीं कोंकणी उलयनांत, कोंकणी वाचिनांत, कोंकणी बरयनांत, कोंकणी आयकनांत, कोंकणी पळेनांत अश्यो कागाळी कर्पी चडशे म्हाल्गडेय वेगळी देख दिनात. तांचो कोंकणिचो खतखततो मोग उदेता रिटायर्ड जाल्ना, बऱ्याचजाणांक कोंकणी म्हळ्यार एक 'एक्सट्रा इनकम', देखून कोंकणिच्या नांवार धेंकर वा घाण वारें सोडल्यार लेगीत तांकां दुडू जाय. हें इतल्यारच रावना, जे कोण कसलोच दुडू आशेनासतना काम करतात, तांकांय मोल ना, तांच्या कामाक मोल ना हें एके कोडू सत.

हे परिस्थितींत डिजिटल माध्यम एक साधन (Tool) जावन कोंकणी भाशेचे उद्रगतीपासत पऱ्यायी वाट दाखयता. हांगासर आमची मान्सिकता बदलप गर्जेचें. आमचें उलवप आमच्या कामांनी जाल्यार कोंकणीक बरें. आमचो चडसो वेळ आमी हेरांच्या कामांचें उणेंपण मेजुंक वा चुकी सोदूंक खर्चितात, पूण तोच वेळ जर आमी बऱ्या कामाक दिलो तर कोंकणीक बरेंच न्हय? कोंकणी भाशेचे आमी एकेकले प्रतिनिधी. कोंकणी भास ल्हान वा गिरेसत हें आमचेर पात्येवन आसा. कोंकणी भास फकत गेल्ल्या पंचवीस वरसांफाटीं उदेवंक ना, संविधानाचे आटवे वळेरेंत रिगच्याआदींय कोंकणी भास आसली. आनी कोंकणी भास, कोंकणी साहित्य, कोंकणी कला, कोंकणी लोकवेद, कोंकणी तियात्र, कोंकणी संगीत, कोंकणी जानपद, कोंकणी रंगमंच आसलो. पूण आयची सादारण कोंकणी परिस्थिती खंय पावल्या? आमी तिचेविशीं कितले गंभीरआसात?

हांगासर दोन मुखेल प्रकारांचो वावर चल्ला व चल्ता, पयलो: कोंकणिचो खरो मोग आशिल्ले कांय आपल्या घामान जोडिल्लो दुडू मोडून कोंकणी भाशेची पसवण कर्पी. दुस्रो प्रकार; कोणेंय जम्यिल्लो वा दिल्लो दुडू मोडून कोंकणीचें काम कर्पी. पयलो प्रकार स्व-खुशेचो देखून तो व्हडल्या मापान मेजपाचो, दूसऱ्या प्रकारांत केल्ल्या वावराची समीक्षा कर्पाची चड गरज आसा. हांगासर 'म्यूजिकल चेर' खेळावरी चिंतून थोडेच मेळून तांकां जाय जाल्लेपरीं भाशेक घासचें, पुसचें करून आज कोंकणी भाशेची गत इतली लाचार जाल्या . हे परिस्थितींत सर्कारी फंड कोंकणी भाशेच्या सगळे वाडावळेक कांय तीन कासांक तरी उपकारता काय हो एक व्हड प्रस्न.

आयज आमी हें डिजिटल माध्यम वापरून कोंकणिचो बरो फुडार बांदचे दिशेन वावर करुंक शक्तात. इंगलीश भास आयज विश्वभर उलयतात पूण अमेरिकेची वा जमैकाची वा भारताची वा लंडनची इंगलीश एक्सारकी ना. ही भाशेची गिरेसतकाय वा वैविध्यता पाचारूं येता. आतां हिंदी भास आमची राश्ट्र भास, पूण उत्तरेची हिंदी आनी दक्षिणेची हिंदी एक्सारकी ना. संसारातले खंयचेच भाशेचेर हेर प्रांतीय भाशेचो प्रभाव पडनासतना रावंक

शक्ना. देखून कोंकणीचेर हेर प्रांतीय भासांचो प्रभाव पडला हातूंत नवल ना. कर्नाटकांत कन्नड आनी तुळू भाशेचो प्रभाव पडला तर गोंयांत पुर्तुगेज आनी मराठिचो प्रभाव पडला हें आतांचें साहित्य वाचताना समजता. हें भाशेचें पोल्युशन नितळ करप ही एक गरज अशें कांय वरसांथावन आयकून/वाचून/समजून आयल्यात. आयज नाग्री लिपिंत प्रमाणिकरण आसा, रोमी लिपिंत प्रमाणिकरण आसा, कन्नड लिपिंत प्रमाणिकरण आसा, पूण 'आसा'म्हळ्यार फकत 'बुकारुपान' मात. कारण एखाद्री भास घोळटा नेमाळ्यांनी वा बुकांनी. आनी आमच्या नेमाळ्यांनी हें प्रमाणिकरण कितल्याश्या मापान जालां वा जाता? कांय तेंपा आदीं 'राकणो' नेमाळ्याचेर ही बर्पावळ  बदलपाचें साहस सुरू केल्लें. भाशा तज्ज्ञ दोतोर विली द सिलव्हा हांच्या मुखेलपणाखाल, शाम बोळीयेच्या संपादकपणाखाल सुरू जाल्ल्या ह्या साहसाक लोकांचो पाटिंबो लाबलोच ना. वरसांचींवरसां म्हेनत करून तयार केल्लो 'बायबल' लोकांनी स्विकारलोच ना. हाचे फाटलीं नीज कार्णां कसलिंय आसुंदी पूण हांगासर विशय हो: प्रमाणिकरण ही समस्या आयची–काल्ची न्हय, ती समस्या तशीच आसतली.

कोंकणिंतलें प्रिंट माध्यम सद्या वेंटिलेशनाच्या आदारान जियेता. कितलो तेंप तें वेळाचे अधीन आसा. एके वटेन चडत रावपी प्रिंटिंगाचो खर्च, टपालखर्च, हांका लागून पारंपरीक वाचपी उणे जावन दुस्रे वटेन डिजिटल माध्यमांकडेन चडीत लोकांची पसंती, तार्णाट्यांची आसक्ती आनी उमेद, डिजिटल माध्यमांत कोंकणीक बरो फुडार उक्तो कर्चे दिशेन एक बरो विकल्प म्हणून हांव मानीत आयलां. आमी सांचील्लें उदक जायनासताना व्हांवतें उदक जावंक जाय. आमी मुखार वचूंक जाय, कोंकणीक मुखार व्हरूंक जाय. हऱ्येका शेतांत आमचीं पिकां मुखार काडूंक जाय. आमी सगळ्यांनी एक पावल मुखार घालें तर आमची कोंकणी कीतलेच मैल मुखार वचुंक शक्तली. आमचें उलवप आमच्या कामांनी जावंक जाय. तेभायर रसत्यावयल्या पेट्यांवरीं फकत वर्साक एक फावट भोंकून कोंकणी मुखार पावना.

ही डिजिटल कोंकणी साहित्यीक पत्रिका (जर्नल) आतां तुमचे हातांत आसा. फुडें हाचेपरसूय बऱ्यो कोंकणी साहित्यीक पत्रिका येंवदी हेच म्हजे नमाळायेचे आंवडे.

# जापी नातल्लीं सवालां

’Life isn't about finding yourself. Life is about creating yourself’. जोर्ज बर्नाड शाचीं उतरां म्हाका जेदनांय हांव जिण्येच्या मतलबाविशीं समजुंचें प्रेतन करतां, तेदनां यादीक येतात. मनश्याच्या जिण्येविशीं जायत्या गिन्यानिंनी जायतेरितीन उचार्णी केल्या, कोणाक जिणी एक सोधनां तर, कोणाक जिणी एक पयण, आनी कोणाक जिणी एक अनिवाऱ्य कर्नी जी जल्मांत आरंब जावन मोर्नांत अखेर जांवची.

हीं भवतीक संसाराचीं उतरां तर, तात्वीक रितीन जिवीत तें न्हय ज्यें अमी ह्या संसारांत जियेंवचें, बगर जिवीत हें; ह्या संसाराक येवन आमी केल्लें बरें/वायट. ह्या अर्थान मनशाचें जिवीत सुरू जांवचेंच एक मनीस हो संसार सोडून गेल्लेवेळार. हांव कांय मेल्ल्यांची वा अत्म्यांची काणी हांगासर उचारिना. बगार अन्येका उन्रान ’मनश्याची कर्निंच’ मनश्याचें जिणें. देकून आज सयत आमचेमधें कुडिंत जिवंत नासच्यांनी केल्लीं बरीं/वायट कामांच आज सयत जिवंत असात. भवतीक आनी तात्वीक संसार कितले वेवेगळे न्हय? एका संसारांत दुस्रो संसार पोकोळ दिसता, जसो भवतीक संसारांत ’तात्वीक संसार’ म्हळ्ळोच ना, तशेंच तात्वीक संसारांत ’भवतीक संसाराक मोल ना’.

मनीस जेराल रितीन शेंभोर वरसांचें आवक घेवन ह्या संसाराक येता, कोण वेगीं अनी कोण लांब आवदेपऱ्यांत जियेता. ह्या मटवी–लांभ आवदेंत अपल्या काळजा–मनाची पिसाय तो करता/आधारता. जांव कलाकार जावन, जांव संगीतकार जावन, जांव साहीतकार जावन व हेर रितीन. होलंड (नेदरलेंड) देशांत जियेल्लो विन्सेंट व्यान गोव ३७ वरसां ह्या संसारांत जियेलो, अमेरिकाची कवयत्री सिलविया प्लात ३१ वरसां ह्या संसारांत जियेली, भारताचो कवी रबींद्रनाथ टागोर ८० वरसां जियेलो, आफ्रिकाचो मुखेली नेल्सन मंडेला ९५ वरसां जियेलो. जीन काल्मेंट म्हळ्ळी फ्रान्स देशांत १२२ वरसां १६४ दीस जियेली म्हळ्यार पयलें सवाल मतिंत उदेता; कोण ही जीन काल्मेंट?. हें सवाल हांगासर कित्याक महत्वाचें म्हळ्यार; मनशाची जिणी ताणें जियेल्ल्या वरसांनी न्हय बगार ताणें केल्ल्या कर्मांचेर होंद्वोन आसता. बरें केल्लीं बरेंच सांडून वेतात, खोटें केल्लीं खोटेंच सांडून वेतात.

तर उदेता प्रमूक सवाल; 'आमीं ह्या संसाराक आयिल्लो शेवोट/इरादो कसलो?'. बायबलाच्या 'उत्पत्ती गृंथाचो' आधार घेंवचो तर, देवान मनशाक तशेंच हेर जिविंक ह्या संसारांत रचलें ह्या संसारांत जियेवंक. पूण मनशाक हेर जिविंचेर राज्वटकी करुंक. भवतीक संसाराच्या अर्थान सांगचें तर, गळसुंक, उपेग करुंक, अपल्या फायद्याक वापरुंक. देकून 'आयलों तशें जियेलों' म्हळ्ळीच जिणी म्हणून मांदून मनीस जियेता. अपल्याच मतीन ओपून घेतल्ल्या 'सताक' मांदून, अपल्याच जिण्येन वरून वेल्ल्या वाटेचेर.

समाज शासतिरांत सांगचेपरीं मनीस एक संघजीवी, कोणयी एक्सुरो जावन जियेवंक सकाना, अशें आसताना मनश्याक अपलो–पेलो गर्जेचो, सेजार–समाज गर्जेचो. तेदनांच उदेता 'चालिभरीत चिंतप', आनी उदेता अपूण, अपणाचो, अपणाखातीर म्हळ्ळो स्वार्थाचो किडो. आनी हेच्च किड्याक लागून समाजेंत जोडचें, मोडचें, तुटंवचें, फुटंवचें.

खंयच्याय देसांतली खंयचीय समाज म्हणतच थंयचर एक सारको मनीस जियेजाय म्हणून ना, एक वरगाचो, एक तत्वाचो, एक धरमाचो, एक विचाराचो मनीस जियेना. तेच्चपरीं त्ये समाजेंत एकेका कालेतिचो, एकेका नमून्याचो जमो उदेता; गायनाची वोड–पिसाय आसच्यांचो, वासच्या–बरंवच्या पिसाय असच्यांचो, लोक–वेद/संसकृतिची पिसाय आसच्यांचो, समाज–सेवा/मुखेल्पणाची वोड आसच्यांचो, धर्म–भक्तेची वोड–पिसाय आसच्यांचो. अशें शैक्षणीक, धार्मीक, साहितीक, वैचारीक, सांसकृतीक, राजकीय शेतां रुतां जातात. आनी एका भलायकेभरीत समाजेक मुकार वरुंक हीं वेवेगळीं शेतां भोव महत्वाचीं तशेंच उपकाराचीं. हांगासर खंचीय समाज फकत एक शेताक पोटलून धरून हेर शेतांची बेपर्वा करून जियेवंक सकाना, जियेता तरयी तसली समाज पिडेसत समाज जावन जियेवंक चड वेळ लाभाना.

आमची कोंकणी समाज ह्या पांवड्यार खंयचर आसा? – हें सवाल आमी हेरांक न्हय, आमकांच विचार्चें भोव गर्जेचें. आमकां समाजेच्या हेर शेतांविशीं कितली माहेत आसा, समजणी आसा, जाण्वाय आसा, गिन्यान आसा?. पारंपरीक जावन आमची समाज चडीत करून 'धारमीक शेतच आमचो संसार' म्हणून मांदून घेंवचो; देकून आमी दोळे असूनयी कुर्डे, कान आसूनयी केप्पे, तोंड आसूनयी मोने, काळीज आसूनयी येमकुळे, मत आसूनयी भेरे जावन 'जियेल्लिच्च जिणी' म्हणून आमकांच फटवन जियेवन आसांव. जितलें जाय तितलें 'धार्मीक लेप' गर्ज आसचेवेळार आमचेर लायतांव आनी अमकांच अमी 'भागेवंत' म्हणून चिंतून, मांदून, पात्येवन जियेवन आसांव न्हय? ह्या परिगतेंत आमकां अमचेच समाजेंत हेर शेतांचो महत्व कळीत ना वा समजुंकयी नाका, बगार फकत इगर्ज–वांजेल–दोतोर्न–रेतिरेंत आमी वेसत, आनी फेस्ताचें मुडदोम घेवन वात घेंवचांक सुसत.

ह्या मधें आमची भास, आमची वैचारीक वाडावळ, आमची संस्कृती दिसानदीस पोकोळ जावन आसा. विपरयास म्हळ्यार हेर शेतांनी कोणयी वावर करता वा ते चिंताप आसा ते सर्व 'पिशे' वा 'मोल नातल्ले', देकून आमी आमचेच्च समाजेंत एक्सुरीं जावन जियेवन आमकांच आमी फटवन जियेवन आसांव. आमकां हेरांच्यो चुकी मेजुंक वेळ आसा पूण आमचेंच ऊण समजुंक तांक ना. देकून आज आमचेंच मोल आमी उग्त्या बजारांत तीन कासांक विकलां, जांव राजकीय शेतांत, जांव हेर शेतांत आमी पोकोळ जावन जियेवन आसांव, न्हेसतांव सूट–बूट तरयी, वैचारीक शेतांत आमी नागडिंच, हफ्त्यांच्यो रेतिरो करतांव तरयी नैतीक शेतांत आमिंच दळडीर जावन जियेवन आसांव म्हळ्यार चूक जांवचिना म्हण चिंतां.

आमी होगडावन घेतल्ल्याचेर चूरचुरे पावतांव पूण आमचेसवें आसचाचें मोल नेणांव. आमकां कोणयी लेकिना म्हळ्ळें रुदान करतांव पूण आमी जावन हेरांक कितलें लेक्तांव म्हणून आमकां केदिंच विचारिनांव. कुंकडान अपल्याच पांयापंदा उसतुंचेपरीं फकत्त 'हांव, म्हजें, म्हाका, म्हजेखातीर' – होच म्हजो संसार जाला तर, आमची जिणी, आमच्या जिण्येचो उद्देश कसलो म्हळ्ळें सवाल कर्चें भोव गर्जेचें. जिणी लांब न्हय, जिणी गूंड आसुंक जाय. जिणी व्हड न्हय, बगार जिणी हेरांक कांय तरयी उपकाराची जावंक जाय. तेदाळा मात्र आमी एक सब्ध बरयतांव तरयी, त्या सब्धाचें मोल आमचे कोशेडदाक समजतेलें. पूण अपल्या कोशेडदाक वळकुंची श्याथी कितलेश्यांक आसा म्हळ्ळें अन्येक अधुरें सवाल – अधुरेंच सोडतां.

# थकानातल्लें पयण

ह्या आधिंयी हांवें सुटावें सांगलां; 'पाटीं पळेवंक ना'. जशें आयलां तसें गायलां म्हणतच म्हजीं उतरां कांय अडहूक लागचिंनांत म्हणून लेक्तां. पयणारी.कोम तिस्रे वर्साक पांय थेंक्ताना नवो हुरूप भर्चो सहज, पूण इतल्या तेंपांत आमी कितलेशीं 'हेरांक उपकार्चीं कामां' करुंक सकल्यांव म्हळ्ळें आमी आमकांच प्रामाणीक जावन वळकुंक सक्तांव तर आमकां तितलेंच पुरो. पयल्यान पयलें; आमी साहीत रचपी देकून आमची देणगी साहित्यारुपार तरयी, आमचे पयकिंतल्या हेर साहितिच्या गर्जेक पावुंक सकल्यांव, जाव्येता दुडवाची कुमोक दिंवची, जाव्येता बूक पर्गटून दिंवची, जाव्येता हेर रितीन कुमोक कर्ची जवाभदारी व्हळकून घेतली तर आमची सर्वांची – हें चिंतप आमचें.

पयणारी.कोम विशेस अंको पर्गटच्याक आमचेलागीं दोन इरादे आसात, पयलोः जाळिजाग्यांनी आसच्या विंचणार वावराक/साहिताक पर्गटचो. दुस्रोः विंचणार साहिताक बुकारुपार पर्गटचें. आनी हांगासरयी आमी तेच्च इरादे सांभाळ्ळ्यात म्हणुंक धयर घेतांव.

आर्थीक मुनाफो जांव, नांव–मान जांव केदिंच आमचो शेवोट जावंक ना, जांवचोय ना म्हणून आमच्या कोशेडदाचेर हात दवरून सांगचें प्रामाणीक धयर आमकां आसा. अशें म्हणतच आमच्या वावरांत आयब ना म्हणून अर्थ न्हय, आमचेथंय सयत चुकी/उणेंपण आसुयेता, आमी सयत रगता–मासाचे मनीस म्हणतच चुकी सामान्य न्हय?. अशें म्हणून आमच्यो चुकी पळेतेल्यांनी आमीं केल्लें व करून आसचें कांय इल्लें चिल्लर बरेंपण आसा तर तेंय व्हळकुंचें व्हड मन धाखयल्यार पुरो, हें आमकां प्रमूक न्हय तरयी, आमचेतसल्या थोड्या हेरांक तांच्या कामाक थोडी तरयी सावळी दीवंक सकत.

अशें म्हणतासतां एक सत सुटावें सांगुंक पडता, 'जरी तरी हांवे च्यार–पांच खुनी केल्ल्यो, च्यार–पांच लूट केल्ली, तर इतलीं दुस्मानां म्हाका आसतिंनांत', पूण हांवें केल्ल्या चिल्लर कोंकणी वावराक लागून म्हजे दुस्मान जायते. म्हाका काम करून थकाना पूण कोणाक म्हजें काम पळेवंक सोसाना. हेरांक धुंपवंक, तोंडार स्तुती कर्ची म्हजी कालेती न्हय, देकून संयबाची कोडी काडल्ल्याक 'आंबोट खेल्ल्यांक गळ्याकडे लासल्लेपरीं' म्हजेविशीं खबरो करून दीस वेतात तर तसल्यांविशीं आमी चिंतून आमचो मोलाधीक वेळ कित्याक विभाडचो न्हय? कित्याकगी, असल्यांक पळेवन लिपोन बोसतेल्यांच्या वर्गाचे आमी न्हय, बगार अनीकयी चडीत वावर करुंक मुकार वेतेले कठीण हठी संयबाचे. आयलेवार एका संवादावेळार एका जाणत्यान सांगलें; हेर भासांनी दोन बरवपी एकामेका उलयताना 'विचारांचेर तर्क–संवाद करतात' पूण कोंकणेंत 'हेरांच्यो खबरो करतात'. हें निजायकी सत गजाल म्हणताना कांय चोवदा वर्साधलें घडीत मतिच्या पडद्यांत उदेता;

'बिजनेस ट्रीप' खातीर कुवेयट थावन अन्येका देशाक गेल्लेवेळार म्हाका थंयच्या एका कोंकणी बरयणारांच्या जम्याचो मुखेली मेळुंक आयलो, दनपारां तागेर जेवण आसा केल्लें देकून मायामोगान ताचेसवें गेलों. म्हजेसवें हेर दोग–तेग बरवपी आसले, तेच्च वेळार ताका एका बरवप्याचें फोन आयलें, आनी हो फोनार सयत 'व्यंग्य रितीर' त्या बरवप्याक खोंकचें पार्किलें. फोन बंध जातच्च सयत उलवपाक विशय जावनासलो 'तो अपणाचें काम सार्के ना तरयी, अपल्या बायलेक गलफाक घेवन आयला' म्हळ्ळो विशय. पळेया; कोणाची बायल आनी कोणें खबरो कर्च्यो आनी कोणाक हुस्को आनी कोणाक पोडकाणी – तेदनां म्हज्या मतिंक चिंतप उटलें, आज ताचेर पाटल्यान खेळकुळां कर्तेले हे फाल्यां म्हजेर, अशें सर्वांचेर खेळकुळां कर्तेले म्हणून. चड तेंप उत्रोंक ना, वेगिंच ते दीस म्हाका पळेवंक मेळ्ळे. पूण हांव म्हज्या वाटेर फुलांची रास आशेवन आयिल्लोंच न्हय, सत सांगचें तर आतातां त्या कांट्यांक सयत बेजार जालां जायजय, हाका कितलेपावटीं तोपचें म्हणून – आसूं.

'सत सांगुंक जायनांगा, देकून मांकोड जाला वागगा, शेरांतुल्या दरबारांत' – म्हज्याच 'रायाची फीऱ्याद' कवितेंतली वोळ यादीक येता. कोंकणेक पोकोळ केलां हेच्च पोकोळ तकलेच्या मुंडासगारांनी, कोंकणेक अपल्या तुरुपाचो एक्को करून अपलें बोळकें भर्चीच हांची कालेती. हाणीं केल्लें व कर्चें मात्र कोंकणी, हेरांनी कर्चें नांवाक/मानाक म्हळ्ळें हांचें चिंतप चिंताना 'थुक्क' करून हांच्या तोंडार थुक्यां म्हण जाता.

हें हांगासर कित्याक गर्जेचें म्हळ्यार – आमी कोंकणी साहिती म्हणून आमी दांग्रो मारुंक ना, वेदी–मानाच्या शेवोटांत आमी कोणायसवें धांवणेर रावुंक नांव, बगार कोणेंय करिनातल्लें आमी कित्याक करिनाये म्हळ्ळें प्रामाणीक शर्थ आमचेर उभें करून तें पाळचें प्रेतन करून आसांव. हेरांच्या कोंकणी वावराचेर आमी अभिमान पावतांव, हेरांचो वावर आमी वळकतांव, आमच्या दोळ्यांनी मिंजासकेची प ी अमी भांदुंक ना वा तो होरबोसयी आमकां ना. पूण सांगुंक आसचें मुकारच्च तोंडारच कसलीच मुलाज नासताना सांगून सोडतांव. आमी खोंकचें 'संयबाक' शिवाय 'वेक्तीक' न्हय, हो फरक करुंक सकानातल्ल्यां थावन कितें अपेक्षा करुयेता? जशें चा. फ्रा. दे'कोसताच्या उतरांपरीं; 'मोशीक सर्गार वेल्यार कितें दितेली? एक थापो शेण मात्र न्हयवे?'. आतां आमचे चडताव बरवपी सयत हेच्च कालेतिचे तर, असल्यां थावन कसली समाज नितळ जायत म्हण तुमिंच चिंता.

तर आमकां कसले बरवपी जाय? 'आमकां हेरांचें बरेंपण वळकून एकामेका जोडतेले' जाय शिवाय 'हेरांचे गुन्यांव मेजून एकामेका मोडतेले न्हय', आमकां पयले स्वता 'प्रगतिशील चिंतप' अपल्या जिण्येक, अपल्या चिंत्पाक, लागू कर्न उपरांत आपल्या बर्पांनी बरंवचें बरवपी जाय. आमकां मुंडासगार न्हय, मनशामोलां समजल्ले, मनशापणाक वळकुंक सकचें मनशापण आसचे बरवपी जाय शिवाय, अपलें शेंकारें फुलवंक अपल्यांकच खोंकून, अपल्यांकच विणगे कर्चे, अपल्यांकच लोटून घालून तमासो कर्चे न्हय. आनी मनश्यामवल्यांच्या चिंत्पाक रुतां कर्च्या दिशेन आमचो वावर निरंतर चालूच आसतलो. कितलीं वरसां वा मयने वा हफ्ते व दीस तें प्रमूक न्हय, पूण कितल्या प्रामाणीक रितीन आमी हें मिसांव मुखारून वरतांव म्हळ्ळें. कित्याक म्हळ्यार आमचो स्पर्दो हेरांसवें भिल्कूल न्हय, आमचो आयचो स्पर्धो आमच्या काल्च्या कामासवें. काल आमी केल्ल्या कामाच्याकी बरे रितीन आमी आज काम करुंक जाय. अशें जालें तर मात्र 'आमचें मवनच आमचीं उतरां, आमचें कामच आमची जवाब'.

त्ये दिशेन आमचें हें थकानातल्लें पयण चालुच्च आसतेलें. ह्या संसारांत कोणच्च वा कितेंच थीर (सासणीक/शाश्वत) ना, बाकिचें वेळाच्या अधीन आसा.

# मिसांव, तेसांव, पाशांव, म्हळ्ळें तेंतेसांव

आमचा भागेवंत क्रिसतांव समाजेच्या लोकांक माताळ्याचेर दिसच्या सभदांचेर कितली जाण्वाय आसा पळेयात;

मिसांव म्हळ्यार वर्सान वरस इगर्जेथावन मेळचो एक कंर्डो आनी त्या कंर्ड्यांत तवळ तवळ नाणीं जमो करून एका नम्यारलेल्या दिसा तो नाण्यांनी भरल्लो कंर्डो वरून इगर्जेक पांवंवचो आनी अशें एकेका घराथावन आयिल्ले कंर्डे उगते करून तांतलीं नाणीं जमवन एक ऐवज करून ती इगर्ज दियेसेजीक धाडता आनी उपरांत कितें जाता म्हळ्ळें चिंतचेंनाका तें पातक.

तेसांव म्हळ्यार करेज्मावेळार इगर्जेच्या वणदिंनी उमकळायिल्ल्या चोवदा पायनलांमुकार आमी कर्चो भक्तेचो डोंग.

पाशांव म्हळ्यार करेज्माच्या काळार हऱ्येका क्रिसतांवान कड्डाय जावन करुंक जाय आसचो अन्येक डोंग; खाड व्हाडंवचो, मास–मासळी खायनासतां रांवचो..

हाच्याकी चडतीक आमच्या चडतावांच्या कट्व्यांत कितेंय आसा म्हणून सांगचें धयर म्हाका तरयी ना.

हें तेंतेसांव न्हय तर आनी कितें? जिवीत म्हळ्यार आमकां कळीत आसचें इतलेंच; खांवचें, निदचें आनी हागचें, कांय इल्लो वेळ मेळ्ळ्यार हेरांच्यो चुकी/गुन्यांव/अपरादेविशीं उलवंक जीब वारयार घाल्ची. आमची शिकपाची, आमच्या समजणेची परिधीच ही; आमची नदर आमचेच तळहात उन्नोन वचुंक सकानासची. आनी त्या जेंवच्या/निदच्या/हागच्या कर्नेभायर कितेंय जाता तर तें फकत वोमतें पडचें; एकच आल्तार/इमाजेसमोर वा आपापल्या घरांनी. आनी ह्या संसाराक आमी आयिल्ल्यांव हेच्च खातीर म्हळ्ळें चिंतप वेगळें. देकून ह्या संसारांत आमी आयिल्ल्या शेवोटाची मापणी जांवची आमी कितलीं भुर्गीं केल्यांत म्हळ्ळयाचेर. आनी हेच्च चिंत्पाचीं भुर्गींयी हेंच मुखारून वर्तेलीं म्हळ्ळें नख्खें.

देकून आमी दिसाक आमी वोरांगटले आमोरी/तेर्स, मीस/रजार करतांव तरयी आमची आध्यात्मीक चिंतप कसलें? तांतूं चिंतप आसागी वा शेण आसा?
आमी खाण/व्हख्तां घेतांव पूण आमच्या कुडिपरिंच मतिची/अत्म्याची भलायकी कशी आसा म्हणून चिंतांव?

हलो!.. हांव हांगा मानसीक चिकित्सेविशीं उलयना, आमच्या वैचारीक भलायकेविशीं उलयतां. कितलेशे आमी 'गुंपूड गोविंद' संयबाचे न्हय? हें आमकांच कळीत ना देकून आमी पयसिल्या कोल्यांनी बोबो घालुंक लाग्ताना हेर कोल्यांनिंयी ताळे मेळंवचेपरिंच चिंतांव, उलयतांव आनी पात्येतांव. आमचेलागीं विचार कर्ची श्याथी ना. मतच्च भाड्याक दिल्या (व ना) तर विचार कशे येतेले न्हय?

थोड्या वर्साधीं हांव युरोपांत काम करून आसचेवेळार, सांजेर थोडीं आपापल्या घच्र्या पेट्यांक भंवडावंक व्हरतालीं, आनी हरेकल्याच्या हातांनी प्लासटिकाचे ग्लावज आसताले तें हांव आतुरायेन पळेताना एक पावटीं एका प्रायेसत बायलेन आपल्या पेट्याचो पाटलाव केलो, आनी जेदनां त्या पेट्यान उग्त्या जाग्यार हागुंक धरलें, तेदनां ती बायल थंय उभी रावून पळेताली, उपरांत त्या पेट्याचो गू त्या ग्लावजांनी विंचून बगलेन दवरल्ल्या खचऱ्याच्या डब्यांक घालून गेली. स्वीडनांत हें सामान्य संगत, पूण म्हाका विशेस दिसलें. कारण इतलेंच – आमीं अजून मार्क बेस्ड सिसटमाचे गुलाम शिवाय व्याल्यू बेस्ड चिंत्पाचे न्हय. (We are still **mark** based system, and not **value** based system) आमच्या क्लाशिंनी सयत चड मार्क मेळ्ळेलीं बुध्वंत आनी उणें मार्क मेळ्ळेलीं बुद्दू वा दाड्डीं. मेळल्ल्या मार्कांचेर एका वेक्तिचें वेक्तित्व मेजची कालेत आमच्या समाजेची देकून

हरेकल्याक चडीत मार्क घेंवचो शेवोट मात्र शिवाय ते मार्क कशे आपणांवचें वा शिकप म्हळ्यार कितें म्हळ्ळी प्रजना आसाना. हेच्च चिंत्पाचे मुकार वचून दोतोर, वकील, फुडारी, पोलीस, जडज, धार्मीक मुखेली जाता. आनी हाचो परिणाम आमी भगून आसांव; दोतोर जाल्ले ओपरेशनाच्या नांवांनी चोरता, वकील आनी जडज मेळोन कानुनाचो सोल्लो (डील) करता, फुडारी अपलो देसच विखुंक आयतो जाता, पोलीस कायद्याचीं निबां घेवन फारता आनी धार्मीक मुखेली भांदपां भांदून लोकांक सोल्ता. हें चलून आयलां, चलून आसा आनी चलून आसतेलें जेदोळ पऱ्यांत आमच्या मतिभितर शेण भरून आसता तेदोळ पऱ्यांत चल्तेलें आनी पयलेंय हांतूं सलवल्लो, आतांय सलवोंचो आनी फुडेंय सलवोंच्यार आसचो सादो लोक म्हळ्ळें अढूक सत आमीं केदिंच समजनांव न्हय?

समाजेंत आमचें व्हडपण धाखवंक आमचीं घरां रावळेरापरीं सजयतांव, व्हणदिंनी रंगाळ पेंयट काडयतांव, घरांसमोर फुलांची झडां लायतांव पूण आमच्या कुडिभितर आसच्या मतीक कितलें खाण दितांव? देकून समाजेंत अजून आमी जम्यार आसूनयी एक्सुरेच जावन जियेतांव. आमची समाजीक प्रजना रिती वा खाली. समाजीक प्रजना म्हळ्ळीच ना तर समाजीक काळजी कशी उदेतेली?

खंयच्याय जात/भासेचो लोक व्हाडता फकत्त वयचारीक व्हाडावळेंत. देकून आमकां भक्त आसुंक जाय पूण आमची भास, आमची संस्कृती, आमची कला, आनी प्रमूक जावन आमचें साहीत भोव महत्वाचें. हांगा आतां आमी सगळ्यांनी काणयो, कविता बरवंक सुरू कर्चें म्हण सांगचो म्हजो इरादो न्हय. साहीत म्हळ्यार तितलेंच न्हय, आमचे विचार कितले गुंडायेन आसात म्हळ्ळें पळेंवचें पार्कुंचें.

जेदनां म्हजेसवें शिकून/काम करून आसल्ले तांच्या वेवेगळ्या शेवोटाक पावताना हांव साहित्यातेवशीन चमकलों. संसारांत जयत म्हळ्यार 'पुंजायिल्लें/कमायिल्लें धन/दिर्वें मात्र' म्हण चिंतच्या समाजेक म्हजो शेवोट पिसो म्हण दिसत. हांव तसल्यांचेर भिर्मत पावतां आनी तसल्यांच्या पिडेसत चिंत्पाक बदलुंक देवालागीं मागतां. आतां 'देव' सब्ध व्हापारलो देकून ह्या सभदाचें हक्क (copyrights) आसचे भागेवंत विज्मीत पावानाकात, हांवयी देवाक मांदतां, म्हाकाय भक्त आसा (तुमच्याकी चडीत आसा, पूण तुमकां निघंट करुंक म्हाका नाका). पूण हरेकले आपापले शेवोट धरून चमकले आनी हांव म्हज्या शेवोटांत चमकलों. कोण कितें करता? कित्याक करता? कितें करिजाय आसलें? कित्याक करिनांत? कशें कर्चें? केदाळा कर्चें? हें सवाल हेरांक हांव कर्चेपरास हांव म्हाकाच करतां आनी खिणान संसार बदल्च्या पिश्या चिंत्पाची सावळी सयत म्हज्या मतिंत मयलापयस सयत नां. पूण एक प्रामाणीक (म्हज्या कोशेडदापरकार) चिंतप आसा, कोंकणी म्हजी आवयभास, आनी

आपल्या आवयक आश्रमांत लोटचा लोकांक आवयभास म्हळ्ळें कितें पडून गेलां न्हय?, पूण हांव तरयी तसल्यांच्या पंगतेर आसुंक न्हजो, हांवें म्हज्या तांकिचें कांय चिल्लर काम करुंक जाता तर कर्चें म्हळ्ळे चिंत्पान (बजारी चिंत्पाच्यानी हाका पिशें म्हण्येत) अजीक चोवदा वर्साधीं; म्हणजे २००४ इस्वेंत, तेंय पर्की कुवेयटांत सुरू केल्लें 'कोंकणी अभियान समिती', आनी ह्या मिसांवाचो उद्देश फकत एक – कोंकणी विसतारुंची. कोंकणी पतरां, कोंकणी बूक, कोंकणी कोवळ्यो वरून घरान घर वचून कोंकणी लोकाक पावंवचीं. पूण हांगासर एक पयसो सयत आमकां नाका म्हणून कोशेडदाखाल सत उचारुंक म्हाका तरयी कसलीच भिरांत ना. आनी त्या अभियानांत म्हजेसवें वावर केल्ले जायते प्रामाणीक कोंकणी सांदे आसात, आनी ह्येविश्यांत तेच कांय गोवाय दितीत. २००४ इस्वेंत सुरू जाल्ल्या ह्या अभियानांत २००५ इस्वेंत मुखारिलें, आनी २००५ इस्वेच्या कोंकणी अभियान समितिचें उग्तावण करुंक आयिल्लो आमचो कोंकणी पाद्री मा।मेलवीन डी'कुन्हा तवळ कुवेयटांत आसलो, ताणें भास दिली; 'वल्ली, हांव सयत कुवेयटांतल्या हेर इगर्ज/कोपेलांनी कोंकणी मीस सुरू कर्तलों', आनी वेगिंच ताणें साल्मिया, अह्मदिंत सयत कोंकणी मीस सुरू केलें, आज सयत कोंकणी मिसांक लोक भरून भरून येता मात्र न्हय, आतां कुवेयटांतलें मालघडें कोंकणी संघटन 'के.सी.डबल्यू.ए' (कुवेयट कोंकणी वेलफेर असोसियेशन) हाणीं कुवेयटांत 'कोंकणी क्लाशी सुरू कर्चें मिसांव' हातीं धरलां. ही जावनासा आमची आवयभासेची काळजी.

कुवेयटांत हांव पयणारी, आनी आतां मुंबयांतयी हांव पयणारीच. पूण जिवीतच एक पयण म्हणताना हें पयण कांय वेगळें न्हय. आतां मुंबयांत सयत जायतो कोंकणी लोक आसा, मायभासेचो हुस्को आनी काळजी तांकां आसा, आमी मुंबयांत एकवटीत जावन कोंकणी वावर करुयेता. एकवटीत म्हळ्यार एक संघटन म्हण चिंतिनाकात, एक चिंताप – ज्यें भीं आमीं वोंपल्लें आधलेवर्सा; 'कोंकणी एकवट २०१७', आनी हें मुकारून आमी मुंबयांतल्या कोंकणी तालेंताक मुकार हाडुंक एक मेट काडलें आनी आटेपन्नास भुर्ग्यांनी अखील भारतीय कोंकणी कवितासर्तेंत वांटो घेतलो. आनी ह्या वरसां आमी 'कोंकणी अभियान समिती' मुंबयांत सयत सुरू कर्चीं मेटां काडून आसांव, मुंबयांतल्या वेवेगळ्या वीस फिर्गजेच्या वीस उर्भेवंतांक आमी विंचला, कोंकणीक तांचेमुखांत्र घरान घर आमी आबियान चलयतेल्यांव आनी भोव अभिमानान आनी गवरवान चलयतेल्यांव.

आमकां तरयी आमच्या आवयभासेचेर अभिमान आसा आनी आसतलो. आनी तो अभिमान कोण तांतांच्या मतिच्या भलायकेपरिंच चिंतुंदीत, आमकां तें पडून गेल्लें ना, पूण हें आमचें मिसांव म्हणा, तेसांव म्हणा, पाशांव म्हणा वा तेंतेसांव म्हणा, पूण आमचो शेवोट इतलोच; 'कोंकणी उलय, कोंकणी उरय, कोंकणी आमची आवय'

# हासतेल्यांचे दांत दिसतात

अजीक कांय पांचतीस वर्साधली संगत ही, म्हणजे म्हज्या भुर्ग्यपणाची. इस्कोलाच्या रजेच्या दिसांनी हांव पांगळाच्या म्हज्या अकयगेर वेतालों. अजेकार घाटाच्या मुळाची फिर्गज देकून गादे/बेटां, तोटांचो जागो आनी पांगळांत घरान घर मोगऱ्याकळे फुल्ताले. देकून केदनांय हांव बस्सार पांगळा गेल्लेवेळार म्हज्या आकयन विचार्चें आसलें, "पुता, तुमचे तेवशिलो दोर भोव बरो आसता, देकून येताना इल्लो दोर पुणीं हाडतोय न्हय?". केंळब्याचो दोर चिरून वोवळी करून, त्या दोरांत फुलां (मोगऱ्यां/आबोलीं) गुंतालीं.

अनी हांव तिका पोक्रिपणार जवाब दितालों; "शी... म्हाका लज दिसता आकय, हांवें बस्सांनी दोर व्हर्चें पळेल्लीं हासतीत". आयकून अपलेसतकीं हासची आकय जवाब दिताली; "हासतेल्यांक हासुंक सोड पुता, हासतेल्यांचे दांत दिसतात."

सकाळीं ऊटल्लेंच घर्चीं सर्वां एकटांय जावन मोगऱ्या कळे काडून उपरांत ते कळे गुंतुंक आसलीं. म्हाका फुलां गुंतुंक आकयन शिकयिल्लें तरयी, हांवें गुंतल्लीं फुलां पळेवन हेर भुर्गीं हासतालीं देकून हांवें फुलां गुंतचिंच रावयलीं. एक पावटीं आकयन म्हाका त्ये

विशीं विचारताना तिका म्हजी जाप जावनासली; "आकय, हांवें गुंतल्लीं फुलां पळेवन हासतात देकून हांव तीं गुंतुंक व्हचाना", आनी तेदनांय म्हज्या आकयन दिंवची जवाब जावनासली; "पुता हासतेल्यांचे दांत दिसतात, तीं हासुंदी आनी तूं शिकून राव आनी कामां करीत राव"

हें हांगासर कित्याक हांगासर प्रमूक म्हळ्यार, अजीक पंद्रा वर्साधीं कुवेयटांत हांव वावर कर्न आसचेवेळार सयत म्हज्या मतिंत एक नवीच पिसाय उदेल्ली. आमी कित्याक घरान घर वचून कोंकणी लोकाक मेळून, कोंकणी पतरांक पाटिंभो दीवनजो? पतरांक पाटिंभो आनी कोंकणीक तेंको इतलेंच प्रामाणीक चिंताप मतिंत आसलें शिवाय, तांतूं कांय दोन–तीन कासांचो स्व–फायदो मतिंत चिंतल्लेंच ना. हें कांय म्हाका नवें न्हय, हाच्याकी पयलें, पतरांक पाटिंबो विचारून फिर्गजेच्या, वाराड्याच्या घरान घर, आनी पेंटेच्या आंगडे आंगडेंनी वचून पतरांक पाटिंभो विचारून वावर केल्लो. थोडेपावटीं आंगडिगारांनी जाहीराताचो अयवज दीवंक नेगार केल्लेवेळार अपल्या बोल्सांतलेच पयशे तांकां दिल्यात म्हळ्ळें म्हजेपरिंच बोल्सांतलो दुडू घाल्ल्या थोड्यांक तरयी कळीत आसा. पूण हें काम तितलें सलीसायेचें न्हय, हांगासरयी 'हासतेलीं असात, फायदो नासताना कोंगणो व्हाळोन वचाना म्हणून पाटल्यान खेंडचिंय आसात, तितलेंच न्हय, पत्राची वर्गणी जमवन पत्रच बंध केल्लेय जायते दाकले आसात म्हणतच, हें काम तितलें सलीसायेचें न्हय म्हळ्ळें हांव जाणासलों. पूण पिसाय ती पिसायच, म्हजेपरिंच चिंतेल्या हेर धा–भारा जणांक आपवन, एका नम्यारल्ल्या दिसा आमी 'कोंकणी अभियान समिती' घडलीच, आनी काम सुरू केलेंच.

२००४ इस्वेंत सुरू जाल्लें 'कोंकणी अभियान', २००५ इस्वेंत मातशे व्हड रुपान बदल्लें; कुवेयटांतलो लोकामोगाळ कोंकणी पादऱ्याब मामेलवीन डी'कुन्हा ह्या अभियानांत हाजर आसलो आनी ताणीं हें अभियान उग्तावण करून म्हळें; 'वल्ली, हांवयी भास दितां, कुवेयटांत आसच्या सर्व कोपेलां/इगर्जेंनी सयत कोंकणी मीस सुरू कर्तलों', अनी ताणीं तशें केलेंच देकून आज सयत साल्मिया, अह्मदी कोपेलां/इगर्जेंनी कोंकणी मीस चल्ता, इतलेंच न्हय, कोंकणी मिसांक चड लोक येता म्हळ्ळें सत.

वर्सान वरस हें अभियान मुखारून वचुंक जाय म्हळ्ळे हटान २००६ इस्वेंत आमी कोंकणी बूक, पतरां, कोवळ्यो घेवून परत लोकालागीं गेल्यांव आनी सत सांगचें तर, कोणेंय एकल्या कोंकणी मनशान आमकां तिरसकार करुंक ना, पर्गांवांत आसूनयी, अपल्या मांयगांवचा सयऱ्यांक कोंकणी पतरां पावयजय म्हळ्ळे इराद्यान पाटिंभो दिला.

उपरांत सुमार धा–भारा वरसां उतरलीं, पयणारी हांव देश भंवलों आनी आतां मुंबयांत आसचेवेळार, पंद्रा वर्साधली म्हजी पिसायेक परत जिवाळ कर्चेविश्यांत मित्र हिलरी डी'सिलवान उल्लेक केलो मात्र न्हय, आमी कित्याक मुंबयांत सयत असलें अभियान करिनाये म्हणून सवाल केलें. हांवें ताका इतलेंच सांगलें;

"आमचें कोंकणी संयब असकत, आमी जिकचा घोड्यापाटल्यान मात्र धांवुंक सक्तांव, आनी नवें चिंतुंक वा नवें करुंक आमच्या तकलेंत शेण भरलां"

पूण ताच्या प्रामाणीक सवालाक पाटिंबो दिवंक म्हाका जाय आसलो. आनी आबळे मुंबयांत 'कोंकणी अभियान समिती' घडची तयाराय जाली. समिती घडली म्हणून कांय उद्दार जालें म्हळ्ळो अर्थ न्हय. तें सर्वां जाणांत, आयचो काळ आनी पंद्रा वर्साधलो काळ वेवेगळो, आज कोणायलागीं वेळ ना, वासचें सोड, चिंतुंक वेळ ना, आयकुंक वेळ ना; आसचो वेळ मुंबयचा गडदेच्या/आवाजांच्या गांवांनी कयद जाला, थोडीं 'मोंती फेस्ताक लोकाक जेवण वाडचेंच कोंकणी सेवा' म्हण चिंतात तर, कोणाक कोंकणी सेवा म्हळ्यार इगर्जेच्या मिसांनी वाचपां वासचीं आनी कांतारां गांवचीं मात्र. आनी कोणाक कोंकणी वावर म्हळ्यार कोणेंगी एकटांय केल्ल्या दुडवांत वेदिकाऱ्यीं कर्चीं, आनी बस्सां–टेंपो करून लोकांक वोडन हाडचें, तांकां वाडचें – इतलेंच. आनी कोणाक 'नाटक/फिल्मांच्य टिकेट्यो विखचें' सत सांग्तां, हाच्याकी चडतीक कितेंय आसा तर 'रेतिरो/नोवेनां' आनी केदिंच बदलनातलें चिंतप. उपरांत अमी धा–पंद्रा–पंचवीस–पन्नास वरसां थावन अमक्या संघटनाचे अध्यक्ष म्हळ्ळे दांग्रे. अध्यक्ष/हुद्देदार जावन केल्लें तीन कासांचेंय न्हय म्हळ्ळें अडहूक सत तांच्या कट्ट्यांत केदाळा रिग्ता म्हळ्ळें म्हज्या कट्ट्यांत रिगाना.

आसूं, पूण हेरांक दुर्सोन बसल्यार आमचे आनी तांचेमधें कितें फरक? देकून ही सुर्वात आमी करुंक पडल्या, आमी लिपी, बोली, प्रांत्य म्हळ्ळ्या कसल्याय मोडच्या संग्तेंक महत्व दिंवचेपरास, कोंकणी खातीर जोडचें प्रेतन करिजाय म्हळ्ळे इराद्यान समॅस्त लिपिंच्या पतरांक पाटिंबो दिंवचें काम हातीं घेतलां, लोकाक कितें जाय, खंच्या पतरांक पाटिंबो दीवंक तीं आशेतात, तेंच आमी घेतांव शिवाय कोणाचेरयी कितेंच थापुंक व्हचानांव. कोण कितेंय सांगुंदीत वा हासुंदीत, हासतेल्यांचे दांत दिसतात म्हळ्ळेपरीं, आमी आमचो शेवोट आमचो दिश्टावो शीदा करुयां; कोंकणी उलव्यां, कोंकणी उरव्यां, तेदनां मात्र कोंकणिचें बरें जातेलें.

कितेंय जांव, पूण कोंकणिचें बरेंच जांव.

# पारंपरीक विमर्सो – एक विचार

ह्या संसारांतल्या रचनें पयकिंत मनीस एक वेगळी रचन, जी चिंतुंक सक्ता, विचार करुंक सक्ता, सवालां करुंक सक्ता; अपले चिंत्पाचेर, आपले विचारांचेर, अपले कर्नेंचेर तशेंच हेरांच्याय. बरे वायटाची जाण्वाय जोडुंक शिक्ता तशेंच बरे वायटामधलो तफावत समजुंक सक्ता. कोणयी मनीस ह्या संसारांत एक्सुरो येवंक वा वचुंक सकाना. ताणें ह्या संसारांत जल्मून येंवचें सयत ताच्या आवय–बापायच्या मिनतेन. तशेंच ताणें जियेंवचें सयत अपल्या–पेल्यासवें; हाकाच संग–जिवीत म्हणचें.

आतां संग–जिवीत म्हणताना सर्व एक सार्के चिंतात वा विचार करतात म्हळ्ळो मतलब भिल्कूल न्हय. जशें ह्या संसारांत जितेलेल्या एकेक जीविंक अपलोच म्हळ्ळो मूळ स्वभाव आसता, वर्तन आसता, गूण–अवगूण आसता. देकून कादऱ्या रुकार आंबे जायनांत, वोडा रुपार पेरां जायनांत, पेरा रुकार बेरां जायनांत, पोणसा रुकार बेणसां जायनांत. आतां कोणेंय कसी वा यंतरां–तंतरांक गळसून तशें कितेंय करयलें तर ती स्वाभावीक न्हय अस्वाभावीक व असहज प्रक्रिया जाता.

मनीस अपणाक अपूण 'बूदजीवी' म्हण लेक्ता, मनीस सयत एक सार्को चिंतिना, एकाच क्रियेक एकेकलो वेवेगळे रितीन प्रतिक्रिया दिता. पूण हें स्वाभावीक, सहज प्रक्रिया. एका समाजेंत जियेतेल्या वेवेगल्या कालेतिच्या, वेवेगळ्या चिंत्पाच्या, वेवेगळ्या विचारांच्या मनश्याक एक सामाजीक जवाभदारी म्हळ्ळी आसता, आसुंक जाय. कोण ती पाळता आनी कोण पाळिना म्हळ्ळो वेगळोच विचार. सामाजीक जवाभदारी कित्याक म्हळ्यार, एकल्यान चिंतचें बरें हेरांक अनीत वा अन्याय हाडुंक करीत तर तसल्या बरेपणाथावन कसल्याय समाजेक कुसकुटायेचें बरेंपण लाभाना. समाजेंत विवीद प्रकारांचो लोक जियेता, तांकां मनशामोलांपरिंच नयतीक मोलांयी आसचीं अवश्य. आनी नयतीक मोलां पाळचेंच मनश्याचें पयलें मनश्यापण. एका रितीन हीं नयतीक मोलां समाजेच्यो रिती रिवाजी, रेग्रो कायदो जावंक सक्ता.

समाजेंत जियेतलो संगजीवी मनीस खांवचे जेंवचे निदचेशिवाय हेर संग्तेचेरयी महत्व दिता, खांवचें जेंवचें निदचें जितलें कुडीक गर्जेचें तितलेंच मतीक खाण दिंवचेंय गर्जेचें. देकून मनीस संगीत, साहीत, आनी हेर प्रकारार अपलीं तालेंतां रुतां करता. आनी कसलेय ते प्रकार आसुयेता; जांव लोकवेद, जांव जनपद, जांव संस्कृती, जांव ध्यन/आध्यात्मिकता; हरेकांत एक नियमीत शिसत आसता, रीत–नीत आसता. जेदनां वेवेगळे चिंत्पाचो मनीस वेवेगळ्या इराद्यान जेदनां ज्यो रिती निती पाळिना वा त्या मनश्यान अपणान बरें म्हण

उचारल्लें, अभिव्यक्त केल्लें, समाजेक बरें न्हय, तेदनां थंयचर एका रितिचें माप गर्ज आसता, एका रितिचो अर्सो धर्चें कर्ज आसता, त्या 'बरें' म्हण केल्ल्या अभिव्यक्तेचेर उज्वाड फांकवन कितें आनी कशें तें 'बरें न्हय' म्हळ्ळो अर्सो धर्चोच विमर्शक.

विमश्र्यांनी खोडी आसुयेता पूण विमर्शक खोड्यारो न्हय. एका मूळ अभिव्यक्तेचेर (बरवप, संगीत वा हेर...) जेदनां एकलो चुकी सोधुंक सक्ता तेदनां समाजीक नद्रेन त्या चुकिंचेर सुधाप गर्जेचो जावन उदेता. जेदनां ज्यो चुकी वा ऊण भरतात, तेदनां मात्र समाजेक तें मूळ रचन उपकाराक पडता. चडताव जावन चुकी/ऊण धाखंवचेंच एका विमर्शकाचें प्रमूक कर्तव्य देकून 'विमर्शक' एका समाजेक कितलो गर्जेचोगी तितलोच उपकाराचो.

विमर्शक म्हळ्यार कांय वेगळ्याच संसारांत जल्मून आयिल्लो आनी एका समाजेक राकून व्हरुंक ताका हाडल्लो न्हय. जशें हरेक रचणेकार (चित्रकार, साहीतकार, संगीतकार, नाटककार......) वेगळ्या विचारांचो, वेगळ्या चिंत्पाचोगी तेच्चपरीं, विमर्शकयी तेच्च समाजेचो वांटो, तेच्च समाजेच्यो शिरो/नाडी पार्कितलो म्हणतच विमर्सो सयत एक रचन म्हळ्ळें अपूट सत. विमर्शक फकत चुकी/ऊण सोधपी न्हय, एक विमर्शक त्या रचणेकाराच्याकी एक मेट वयर आसून समाजेच्या बरेपणाविशीं परिपूर्ण काळजी आसचो शिवाय दोळे धांपून चुकी/ऊण धाखवपी न्हय. विमर्शक एकाकुशिलें चिंत्पी आसून फकत सांग्तेले न्हय. असले विमर्शे कोणाकच कितेंच उपकार करुंक वा बरेंपण हाडुंक सकानांत. एका विमर्शकाची मूळ अऱ्हता हीच; जोक्तें शिकप (डिग्री/डिपलोमा न्हय), जोक्ती जाण्वाय, जोक्तो अणभव आसुंक जाय जाल्लो. बरें वायटामधलो तफावत पार्कुंक सक्त आसचो.

विमर्शक जेराल प्रकारान लोकामोगाळ जायना, जशें विमश्र्याचें व्याख्यान सांग्ता; 'The expression of disapproval of someone or something on the basis of perceived faults or mistakes.' हें चिंतप पर्नें, पारंपरीक. पूण आयची हकीगत मातशी वेगळी; आजकाल वेळाचो अभाव समेस्तांक धोसता जाल्ल्यान एका रचनेकाराच्याकी चडीत अनभव आसून त्या रचनेचेर विमर्सो कर्ची श्याथी आसचे उणें जाल्यात. दुस्रें; एका रचणारान अपलें आवक खर्चून तयार केल्ले रचणेक एकाच खिणान मार्न उडंवची श्याथी एका विमर्शकाक आसता, विमर्सो दोन धारेची तालवार, आनी सगळे त्या तालवारेक बरे उद्देशान गळसितात म्हळ्ळें निघंट ना. तितली प्रभुद्दता आसचे विमर्शक सयत मयलां पयस थावन झळकनांत. विमर्सो म्हळ्ळें हातेर घेवन एका मारांत दोन सुकणीं मार्चें (अपणाक खायस जाल्ल्यांक धुंपंवचें अपणाक खायस जायनासचांक खोंकचें) जालां. अनी कांय प्रामाणीक रितीन केल्लो काल्दो सोड, चिमटिभर विमर्सोयी घेतलो ना. हेच्च कारणांनी

पारंपरीक विमर्शो चड करून कोणाकयी खायस जायनांत. 'आधुनीक विमर्सो' (क्छज्य्फ इय्त्ळत्च्त्ल्) ह्या दिशेन कांय नवेंसांवाच्यो वाटो करून दिता;

'साहितीक आधुनीक विमर्सो' (Modern Criticism) प्रकारांत मूळ शेवोट तोच; चुकी/ऊण धाखंवचो, पूण रीत वेगळी. पूण हांगासर विमर्शक हात भांदून एकाकुशीन फयसल दिल्लेपरीं उचारिना, बगार पयलें तो अपणाक त्या रचनांत वांटेली करता, त्या रचनेचो स्वाद घेता आनी अपलो अनभव, अपले विचार त्या स्वादाक मेळयताना वाचप्याक एक वेगळोच स्वाद लाभता. देकून विशलेषणां, समीक्षा आयच्या काळार महत्वाचें. जांव तें साहिताचेर केल्लें वा हेर प्रकाराचेर.

साहितीक विमर्सो (व साहितीक अध्ययनां) साहिताचें अध्ययन, मोलामापणी, आनी व्याख्यानां. साहितीक सिद्दांतां साहितीक विमश्यांक चड करून साहितीक सिद्धांताथावन प्रभावीत जावनासता, हें साहित्याचो शेवोट आनी विधानांचें तात्वीक वार्जीक (चर्चा) जाता. ह्यो दोन क्रिया एकामेका संबंधाच्यो तरयी, साहितीक विमर्शक केदनांच साहितीक सिद्धांतवादी जावनासानांत.

वाचपीच उणें जाल्यात, आसच्या थोड्या वाचप्यांक सयत चड वाचुंक नाका वा वेळाचो अभाव धोसच्या ह्या काळार 'विमर्सो' लोकामोगाळ जावंक सकाना. पूण एका समाजेच्या साहिताक भोव गर्जेचो आनी उपकाराक पडचो म्हळ्ळें सत. विमर्सो म्हळ्यार फकत 'चुकी/ऊण' धाखंवचो व मूळ रचनेक अपणान उल्टेंच लेकचें म्हळ्ळो जेराल अर्थ उभजला तर ताका अपकव (Immature) वेक्तिंनी जोक्तें शिकप, जोक्तो अनभव नासतां बेजवाभदारेन बरयिल्लें जितलें कारणगी तितलेंच 'अपल्यो चुकी/ऊण' सुधापाक तयार नासचे घमंडी रचनेकार सयत कारण म्हणच्यांत दुभाव ना.

आतां अनभव Experience म्हळ्यार फकत प्राय न्हय, शिकप Education म्हळ्यार कोलेजी/युनिवर्सिटिंनी जोडलल्यो सर्टिफिकेट्यो न्हय. तर तुमी आतां म्हाका 'विमर्शक/विशलेषक' जावन तुका कसलो अनभव आसा?' म्हळ्ळें सवाल करुयेता. तशें पळेल्यार हांव ज्ये कितें करतां, खंच्याय संग्तेचो अनभव म्हाका ना. हाच्यादीं जियेल्लो अनभव ना तरयी जियेतां, मेल्लो अनभवयी ना पूण जिणी संप्ताना मोराजय पडता न्हय? एदोळ पंद्रा देशांनी जियेलां तरयी त्या खंच्याय देशांनी ताच्याधीं जियेल्लो अनभव नातलो. मनीस जावन सयत पयलेपावटीं जल्मलां (हाच्याधीं मनीस जावन जल्मोन, जियेवन अनभव ना), अशें ह्या संसारांत हांवें कितेंय केलां तर तें पयलेपावटिंच केल्लें वा कर्चें जावनासा. तुमच्या सवालाक जवाब मेळ्ळी तर तुमी खूश अनी हांव दाधोस.

# समाजीक माध्यमां, धर्म अनी मनीस

मनशाचो इतिहास सांगचेपरकार रानांनी जियेवन आसलो मनीस फातरांत पयलो सोध करून, फात्राच्या युगांत रोदां, आयदां/हातेरां करून दीस काडतालो. हीं आयदां व्हापार्न शिकारी करतालो आनी अपलें पोट भरतालो. उपरांत किटाळाचो सोध जालो, उज्याचो सोध जालो आनी सोध मुखारून गेलो. आतांचो समाजीक माध्यमाचो यूग जाल्ल्यान मनीस अपणाकच पर्की कसो जाला आनी अपणान जियेंवचें सयत हेरांक धाखंवचेपासत म्हळ्ळेपरीं जालां.

जांव फान्नाचो काळ वा माध्यमाचो काळ, बरें आनी वायट सर्व काळार आसलें, जितले मापान आधुनिकता आमचे जिण्येचो वांटो जालोगी तितलेच मापान कृतकपण, मुखोटीं न्हेसाप, धाखवप, फटी सयत म्हणचें कोणेंय नेगार कर्चेपरीं ना. पार्वे एका तेंपार एकामेका संपर्काचें माध्यम जावन व्हापार जातालो कंय, उपरांत धूत आयले, तप्पाल आयलें, टेलिग्राम आयलें, फोनां आयलीं, मोबायलां आयलीं, टिवी, अंतरजाळी आयल्यो आनी ह्या हरेकाक आमी बदलावण म्हळें, प्रगती म्हळें.

आयच्या सामाजीक माध्यमाच्या काळार कोणाकच वेळ ना. उलवंक वेळ ना, वाचुंक वेळ ना, चिंतुंक सयत वेळ ना, देकून खिणान पळेवंक मेळल्लेंच सत कशें जालां देकून फटिंचो बजार सर्व जाग्यांनी भरान चलून आसा. टिवी थावन मनीस मोबायलांक देंवला आनी मनीस आज 'उस्वास काडिनासताना सयत जियेवंक सकत पूण मोबायल नासताना न्हय' म्हळ्ळेपरीं जियेवन आसा, तरयी कोणायलागीं वेळ ना. तेच्च मोबायलांत दिसाचीं चडतीक वोरां खर्चुंच्या आमकां, तेच्च मोबायलांत आमचिंच संबंधिकां, आमचिंच मोगाचीं आसात तरयी, कोणायलागीं वेळ ना उलवंक, आयकुंक, चिंतुंक...

हेच्च मोबायलांनी, पावसांतल्या आळम्यांपरीं दिसाक एकेक निबांनी म्हळ्ळेपरीं वाटसआपांत तशेंच फेसबुकांनी पंगड घडतात. गांवकारांचो पंगड, कुटमाचो पंगड, इस्कोलाचो पंगड, कोलेजिचो पंगड, उपरांत हव्यासांचो पंगड; संगीत, साहीत, कला, तशेंच टैमपास पंगड. आनी चड करून थोडेच ह्या पंगडांनी कार्‍याळ, आनी सगळ्या पंगडांनी सयत तेच कार्‍याळ. इतलेंच न्हय, ह्या पंगडांनी सयत कुडके कुडके पंगड, हाचो पंगड, ताचो पंगड. हांतले थोडे तांतूं आनी तांतले थोडे हांतूं. हांगाय ते तीन कासांक योग्य जाल्ले न्हय थंयसरयी न्हय; जशें गुज्याक भर्तेक पोंपियां घाल्चेपरीं आसात. मुकल्यान वोडल्यारी जीब ना पूण पाटल्यान खबराळीं बायलांकयी लजेर घाल्च्यो हांच्यो खबरो; 'तो तसो, हो असो', आनी हे हडबे समेस्त मीस–कुम्साराक वेचे भागेवंत.

असल्याच पंगडांत थोडेपावटीं दाक्षेणेक लागून रावुंक पडता. जायतेपावटीं असल्या पंगडांनी एकल्या दोगांनी एकामेकाची पाट खोर्पुंचें सोडल्यार दुस्रें गोंयटांय जायनांत, पूण 'एकलो सुतारी कितेंच काम ना देकून अपल्या भुर्ग्याचे कुले तासतालो कंय' तेच्चपरीं, तेंच पेंपारें तेंच तेंबारें आयकून पळेवन वोंकारे येतात तरयी निर्वोग नासताना रावाजय पडता.

एका असल्याच पंगडांत आयलेवार एकल्या 'जवाभदारेचो चिंत्पी (?)'न एक विडियो तशेंच त्या विडियोचेर आसची वळोक घाली; 'हो विडियो एका हिंदू चेडवाक भलत्कारान धर्म परिवर्तन करुंक मुसलिमांनी केल्ली घुटमळ' आनी त्या विडियोचेर फकत एका

चलियेक लोकांनी मेळून तेल वोतून जिवेंच लासचें धाखयिल्लें. आनी तो चिंत्पी (?) अपल्या संदेशांत सांगता; 'हें हैदराबादांत घडल्लें घडीत'.

होच विडियो म्हाका अन्येका पंगडांत अन्येकल्यान धाडल्लो आनी तांतली व्हळोक अशी आसली; 'युपिंत एका क्रिसतांव चलियेक हिंदू जावन परिवर्तन करताना तिणे नेगार केल्लेखातीर तिका हिंद्वांनी मेळून हुल्पायलो'. दोनयी पंगडांनी आसचें मुळावें सत इतलेंच; 'वीक वांटचें'.

पूण दुर्भागपणीं हांकां धर्म म्हळ्यार कितें म्हळ्ळेंच कळीत ना, देव म्हळ्यार कोण म्हळ्ळें कळीत ना. आज ह्या सामाजीक माध्यमाचो मतलब फकत एकामेका वींक वोंकुंक म्हळ्ळेपरीं जाला. सगळे हांतूं आसात, एकामेका विंगड करुंक, एकामेका पाटल्यान/मुकल्यान वीक वांटून च्युरान च्युरो कर्चे आसात. हकीगतेंत तो विडियो अजीक तीन–च्यार वर्साधीं अमेरिकाच्या 'Guatemala' म्हळ्ळ्या देशांत एका सोळा वर्साच्या चलियेक थंयच्या लोकांनी जिवोच हुल्पावन लगाड काडचो विडियो जावनासलो.

वेळ नातल्ल्या ह्या काळार चिंतुंकयी वेळ ना म्हणतच, लोकाक भडकांवचे भडवे यतेश्ट मापांनी आसात, तेय देव–धर्माचीं मुखोटीं न्हेसून आसात. जितलें लोकांक भडकायलें तितलो तांचोच फायदो, कित्याक म्हळ्यार जेदनां मनीस एकामेकाचीं मासां भोखावंक लाग्ता तेदनांच तांची दाळ शिजता. देकून केदनां राजकीय, केदनां धार्मीक, जातीय निबांनी मनशाचेर, मनशामुखांत्र करून आसचो वेवसतीत हल्लो हो.

संसाराच्या सुर्वातेर थावन आज पासोन, कोणेंय येवन सांगलां इतलेंच, ज्यें आमी कोणयी पळेवंक, चिंतुंक, वोरावन पळेवंक सकानांव. सुर्वातेथावन आज पऱ्यांत आसले आनी आसचे धर्म फकत दोन;

पयलो धर्म: मनशापणाचो, दुस्रो धर्म: मनशापणाविरोध. बाकिचो सगळो फकत आवाज मात्र. ह्या संसाराक आयिल्ल्या खंयच्याय म्हा–पुरुशांनी धर्म रचल्लो ना. जेजून क्रिसती धर्म रचल्लो न्हय, राम/कृषणन हिंधू धर्म रचल्लो न्हय, महम्मद पैगंबरान 'मुसलीम धर्म' रचल्लो न्हय. ज्ये कोण ह्या संसारांत आयिल्ले फकत मनशापणाचीं लिसांवां घेवन आयिल्ले. आनी तेच्च मनशांक गळसून मनशापणाचेर जुलूम चलंवचे धर्माचे प्रतिनिधीच जेदनां मनशापणाचे विरोधी जातीत तर बाकिचें चिंतुंक कितें उरलां?

आतां एक सवाल स्वता अपणाक विचार्चें भोव गर्जेचें, 'हांव मनशापणाच्या धर्माचो वा मनशापणाविरोधी धर्माचो?'.?

# रडोंक मेळ्यां आमी समेस्त

अगोसताचो मयनो आयलो म्हणतच, दोन संग्त्यो म्हज्या मतीक येतात; पयली – देशाचे बावटे विकून पोट भर्च्याक, रसत्यांनी दिसचीं ल्हा–ल्हान भुर्गीं, तशेंच दुस्री – अगोसत मयनो अखेर जातानांच सुर्वात जांवचो 'फुलां एकटांय करून बाळोक मरियेक भेटंवचो' काळ. भुर्ग्यापणाल्या दिसाची गजाल वेगळी, फुलां एकटांय करुंक आमी व्हचानातलीं घरां नातलीं, जांव तीं बोंटांचीं, दिवरांचीं, भोटाचीं वा सुतारी. हीं कोणयी तांच्या वोडतांतलीं फुलां खुंटून वर्च्या आमकां आडायनातलीं. त्या पावसांत, एका हातीं सत्री घेवन अन्येका हातीं 'घराच फुलांनी सजवन दिल्ल्या' वाटलेक घेवन वेताना, वाटेर पावस/वारें आयलें तर सजयिल्लीं सगळीं फुलां वाटलेंतच वयर पंदा जातालीं.

पूण अगोसताच्या पंद्रा तारिकेर बावटो उभार्चो, देशभक्तेचीं पदां, कांतारां, भाशणां आयकुंचीं अन्येक उडास. अगोसत पंद्रा तारिकेचो महत्व सोळा तारिकेरच विस्रोन सोडचो आनी आमचीं हर्शेंचीं कामां करूनच वेचें – हेंच आमचें मुळावें स्वातंत्र आनी चिंताप.

पूण पाटल्या सवीस वरसांनी अगोसत २० तारीक, आमकां अन्येक संभ्रमाक तयार जाल्ली जावनासा, कोंकणी भाशेक मान्यता लाभल्ली तारीक. गोयांत जशें मुंबय, मंगळूर आनी केरळा अशें वेवेगळ्या सुवातेंनी वेवेगळीं कोंकणी कार्‍यीं जातात. इंगलिशांत एक सांगणी आसा; 'Something is better than nothing'. म्हळ्यार, हेर कितेंच जायनातल्ल्या संसारांत एका दिसाचें आचरण जाता, तेंयी कोंकणेच्या निबान म्हळ्ळें दाधोसकायेचें म्हण्यांगी?

बरें! कोंकणी उद्दार जांव, अशें म्हणताना म्हजें उण्या भावाडताचें एक सवाल उदेता; 'असल्या आचरणांत वा स्तुतेनिमतीं कांय कोंकणी उद्दार जाता? वा जाल्या?.'

बरें आमी सकारात्मक चिंत्यां तशेंच सकारात्मक उलव्यां, कोंकणेक सक्कड बरेंच जाता आनी बरेंच जालां.

म्हज्या उण्याभावाडती मतिंत उदेता अन्येक सवाल; 'असल्या आचरणांनी कोंकणेचें बरेंच जालां वा जाता तर, आज कोंकणी इतली लाचार आनी कंगाल कशी जाल्या?'

हें हांव घडपां करून सांगिना, बगार आयलेवार छापोन आयिल्ल्या काणिस्मारिच्या खबरेच्या बुन्यादिचेर सांग्तां. कोंकणी भास उलेयतेल्यांचो संको उणो जायीत आयला. अरे! आमी वर्सान वरस इतली स्तुती कर्ची भास अशी कशी आळवोन वेचीं खुणां धाखयता? म्हज्याय कट्ल्याक हें वार्जीक रिगाना. आमी वरसांत एक पावटीं मेळचो आवकास गळसुंक केल्ले सर्कस कितले? डयाबीटीस/गोडमुताच्यो गुळियो, रग्तादाबाच्यो गुळियो, गांटी दुकिचें मुलाम, केरळाचें पंडिताच्या अयुर्वेदीक तेलांत मसाज करवन सयत मिटिंगां आपयल्यांत, पतरांनी जाहीरातां छापल्यांत, इमेयलां–वाटसापांनी संधेश धाडल्यात, जेवणाचो मेनू सयत बदलिला तरयी आमचो लोक पाटिंबो दीना, आमचीं भुर्गीं कशिंय कोंकणी म्हणतानांच 'कोंकणी कोंकली काडतेल्यांक मात्र' म्हणून कांठाळता. पूण कित्याक?

कोंकणेंत एक सोभीत सांगणी आसा; 'व्हगोच बोसच्याकी खोड्यार बोस'. म्हळ्यार जायत्यांक, विशेस जावन पर्गांवांनी आसच्यांक रिटायर्ड जाताना 'कोंकणिचो मोग उदेता', हांतूं गुन्यांव ना, बरोच. आबराहमाक भुर्गें जाताना ताची प्राय वीस–तिसांची न्हय आसली. भारी बरें, साठ सत्तर लागीं जाताना पुणी कोंकणिचो खत्कतो मोग तांच्या काळजांत खिरलता वा मुळां/पाळां/बिळां सोडटा म्हणचें कोंकणेक व्हडविकायेचेंच म्हण लेक्यां. देकून पयलें मेट, असलेच चिंत्पाच्या हेरांक एकटावन कशें पुणीं एक संघटन करिजेच. जांव तें सांताच्या नांवार, फिर्गजेच्या नांवार, वा कोंकणेच्या नांवार. कोंकणेच्या नांवार केल्यार अनिकी बरें, जिण्येंत कोंकणी भास, साहीत, संगीत वा हेर खंच्याय शेतांनी तीन कासांची देणगी सयत दीवंक नातल्यारी कितें? आतां साठ सत्तर वरसांत दीवंक साध्य नांगी? एकादावेळा कोंकणेक घासच्या निबान संघटन पयलेंच केल्लें आसल्यार तांतूं रिगचें आनी कशें पुणीं एक हुद्दो घेवंक दीस–रात मिनत कर्ची. एकादावेळा त्या संघटनांत पयलोच अपलो कोणयी कुंपाद्र, कुमाद्र वा पोदोर्न आसा तर काम अनीकयी सलीस.

उपरांत?

उपरांत कितें? जितले दीस वेतातगी तितले लागीं सर्गाक; म्हणजे, कोंकणेच्या नांवान एक दीस पुणी वेदी चडोंक आवकास मेळताने? जिण्येंत आल्तार भुर्गो आसताना सोडल्यार इगर्जेच्या वेदीक चडनातले आतां तेच्च वेदिचेर 'एलवीस प्रेसली, केन्नी रोजर्स आनी लायनल रिची' म्हणून कोयेरां गावंक लाग्ताना बगलेच्या गांवचे रेडे सयत 'हों' कर्न सांगात

दितात. इस्कोलाच्या दिसांनी टिचेरांनी वत्ताय कर्न एक 'वेस न्हेसवन वेदीक धाडलो' म्हळ्ळ्या कर्माक लागून हे बाल नट वेदिचेर चडोन कर्चें 'अल–पचीनो, अमिताभ बच्चन, राज कपूर, आनी मेहमूद' नटन. मक्कर अनीकयी आसा, ह्यो वयर सांगल्ल्यो गुळियो घेवन, पेंकटाचो वाय सोसून मिरिया कसाय पियेवन साठ सत्तरांचीं बायलां अजून मतिंत 'इक्रा/भारा वरसांचीं मासूम चलियो' म्हणून गायताना कावळे सयत आपल्या ताळ्याचेर अभिमान भगुंक लाग्तात.

उपरांत वेदिचें कार्यें; भोव प्रमूक; कांय आत्तां मोरतात वा मागीर मोरतात म्हळ्ळी ग्यारंटी नासचे हुद्देदार कांपोन कांपोन वेदीक चडताना म्हज्या उण्या भावाडती मतिंत अन्येक सवाल उदेता; 'हे फकत रिटायर्ड मात्र वा रिटार्डेड?' तुमी विचारिनाकात, सगळो गांव सांग्तां हांची कोंकणी जाण्वाय कितली म्हणून. कोंकणी मान्यता म्हळ्यार कितें? आटवी वोळेर म्हळ्यार कितें म्हण हुद्देदारांलागीं विचारा. कोंकणी पतरां हे वाचिनांत, कोंकणी पतरांचीं नांवां तरयी कळीत आसागी पळेया हांकां. कोंकणी बूक पळेताना हांचो रग्तादाब चडता 'अब्बा देवा म्हज्या कोणे वासचे ते?', कोंकणी संगीत, कोंकणी लोकवेद, कोंकणी जानपद..... राव राव.... पुरो. हाच्याकी चडतीक प्रकार सांगन तर कोंकणी म्हळ्यार इतलें सक्कड आसागी म्हणून हांचो अत्मो फुक्क जावंक आसा.

हां! एक आवकास आसा, फुक्क जाल्ल्यांक मातियेक पावयताना तो कोंकणी झुजारी, कोंकणी फुडारी, कोंकणी भाशेक हाणें अमक्या संस्थ्यांत जीव दवरला (सत सांगचें तर असल्यानिंच कोंकणेचो जीव काडला) म्हळ्ळ्यो सुको तारिफो लाभतल्यो. कोणयी न्हय तर, संस्थो पुणीं पतरांनी एक फोटो छाप्तलो. आनी तो फोटो पळेवन सांमिंगेल वेगीं वेगीं सर्गिचें कदेल पुसून हाका बसयत कोण्णा.

आतां म्हजी उण्या भावाडती मत पुर्ती घुस्पडता;

हे मेल्लेच कोंकणी मोरता? तर जीव आसताना मुखल्या पिळगेक मुकार येवंक कित्याक हे सोडिनांत? फकत वर्साक एक आंगवणेच्या लेकाचो स्पर्धो केलो, तोयी कसलो स्पर्धो? 'नाच स्पर्धो', 'गायनां स्पर्धो', 'नटन स्पर्धो', 'उलवपा स्पर्धो'. बापरे पर्तून ह्या रिटार्डेड सोरी रिटायर्ड हुद्देदारांच्या पाटीक पडलाय. कोंकणेंत इतले सर्व प्रकार कित्याक? एकच प्रकार पावानावे? आमी सगळे जल्मान गावपी देकून फकत गायन स्पर्धो पुरो. फिर्गजेंनी कोगुळो, कावळे पुरो. आतां बाकिचे प्रकार कित्याक?

मक्कर न्हय, शीदा सांग – हांतूं कितलेश्यांक कोंकणेच्या हेर प्रकारांची वळोक आसा? वळोक सोड, नांवांची वळोक आसा? देकून वर्साक एक पावटीं ह्या च्यार प्रकारांनी स्पर्धो कर्तच आंगवण तिर्सली. भुर्ग्यांक इनामां दिताना आमचोय फोटो आयलो म्हणतच कोंकणी उद्दार जाली न्हय? व्हय तर, आज कोंकणी भास उलयतेले उणें कशे जाले? हांकां कोंकणी साहिती कोण कळीत ना. साहिती सोड्यां, साहीत म्हळ्यार कितें म्हण कळीत आसा? हांकां भास आनी बोलिमधलो तफावत कळीत ना. तें पूरा बगलेन दवरून एक मुळावें सवाल करुयां;

'खंच्याय संघटनान, फाल्यांचें मुखेलपण घेंवची पिळगी तयार केल्यागी? वा तसल्यांक आवकास दिलागी? तुमचीं भुर्गीं कोंकणी उलवंक, वाचुंक, बरवंक जाणांत? ती बेजवभदारी कोणाची? तुमच्या घरांनी कोंकणी नासताना तुमी कोंकणेंत कितें गोंयटां खुंटुंक आयल्यात?'

"आवकास जायतो आसा पूण कोणयी मुकार येनांत" – अरे कोण तो कांपोन पिंर्गोन उलयता, मात्सें घट उलय. आदीं एकल्येन कुड्ड्याक उकलून धाखयिल्लेपरीं तूं आनी तुजेतसले म्हाका उकलून धाखयनाकात. तुमच्या हणेबरपाचो पर्दो उकलीन तर तुमच्या हणेबरपाचेर तुमिंच खुद्द थुकाजे पडत. कोंकणी भाशेचे तुमी राकवली न्हय, तिचो गळो कापल्ले माल्दिसांव नालायक तुमी. नाक्षेइड्यांत कांय इल्ली लज तुमकां आसती तर 'कोंकणी भाशेक' घासचें तुमी सोडतेल्यात. हेरांक मुकार येवंक सयत कांठाळो उभजयिल्लो तुमिंच ने? तुमच्या हव्यासी बुदिनिमतीं?

तुमी आतां म्हजेर रागान तुमचे दांत (दांताचे सेट) खिरलून आसात हांव जाणा, आनी तुमी हर्शेंचेपरीं पाटल्यान म्हणश्यात; 'आमीं इतलो लोक येकटांय करतांव, तो कितें कोंकणी लोक न्हयगी?, अरे बेप्पांनो, मिर्जा घालिबाचीं उतरां यादीक हाडा; 'दुनिया मे बेवकूफों की कमी नही है, एक को डूंडो, हजार मिल्ते है'. म्हळ्यार, हो लोक तुमच्या काजाराकी येंवचो, तुमच्या भोज्याकी येंवचो लोक, हांतूं कितलेशे अपल्या मतीक घेवन आयल्यात म्हळें विचार करा. मत भाड्याक दिल्ले 'जिवीं मोडीं' तुमकां लोक म्हण दिसता तर तुमचेलागीं वार्जीक कित्याक?

आतां रेतिरो, फेस्तां, संभ्रमांभायर कांय इल्लो सुशेग आसा तर एक सवाल करतां. आळवोन वेच्या कोंकणी भाशेच्या ह्या स्थितेक चिंतून, नियाळून गळगळ्यांनी रडोंक तुमकां वत्तायेचें आपवणें असा, येया तुमी, तुमच्या कुटमासमेत येया, आमी सांगाता मेळून रडोयां, दुकां गळव्यां आनी कोंकणी मायेची कीर्त गाजव्यां.

# कोंकणी भास आळवोन वचानाशें कर्च्यांत आमचो पात्र

Language is the light of mind नामणेचो इंगलीश तत्वशासतीरगार जोन स्टुवर्ट मिल्लाचें उतर हें.

भासेंची चरित्रा वाचताना क्रिसत पूर्व ८००० इस्वेंत कांय २०,००० भासो उलंवचो लोक संसारांत आसलो म्हळ्ळें कळोन येता. आज तो संको देंवोन ६९०० जाला. म्हळ्यार दीस गेल्लेपरिंच भासोय आळवोन वचोंक लागल्यात. संसारांत लगबग चोवदा दिसांनी एक भास आळवोन वेता. अशेंच मुखारून गेलें तर मुखल्या शेकड्यांत चडुणें सात हजार भासो आळवोन वेच्यार आसात.

आयलेवार फग्ज People's Linguistic Survey of India (PLSI) हाणीं सर्वे करून पर्गटल्लेपरकार, भारतांत कांय ७८० प्रमूक भासो उलयतात, आनी पाटल्या ५० वरसांनी कांय २५० भासो आळवोन गेल्यात. सद्याक ७८० भासो कांय ८६ वेवेगळ्या लिपिंनी लोक वापार करता. हांतल्या १२० भासांक मात्र प्रमूक भासो म्हण मान्यता लाभल्या, बाकिच्यो भासो उलयतल्या लोकांचो संको १०,००० देकून त्यो भासो सयत दिसानदीस आळवोन वेतात म्हणून हें लेकन सांग्ता.

इंगलिशांत एक बरी सांगणी अशी आसा; "Language is the road map of a culture. It tells you where its people come from and where they are going". भास लोकाक एकामेका संपर्क कर्चें माध्यम मात्र न्हय, एका समाजेचें बरें–फालें, संस्कृती जोगासणेन दवरुंक उपकार्चें प्रमूक हातेर. मौकीक (तोंडपाशीं), लिखीत (बर्पाशीं) एक संस्कृती जिवाळ उरोंक भासेचो पात्र भोव महत्वाचो. आनी भारत तसल्या देशांत कांय एका तेंपादीं हजारांवयर भासो आसोन, तितली संस्कृतीक ग्रेसतकाय आसल्लो देश आज ह्या दिशेन लाचार जावन येंवचो दिसोन येता.

भासेक सांभाळून दवर्चें त्यात्या काळार जियेतेल्या लोकाची जवाभदारी. एका जनांगाथावन दुस्रे जनांगाक ही भास जोगासाणेन हतांतर करुंक आसा आनी भासेचें महत्व सयत समजावंक आसा, पाळुंक आसा. तेदनां मात्र एक भास जिवाळ उरता. जागतिकरण एका वाटेन संसाराच्या सर्व राषट्रांच्या सर्व भासेंच्या लोकाक प्रभावीत करुंक सकलां म्हळ्ळें खरें सत. देकून हाचो प्रभाव थोड्या भासेंचेर पडल्लें नवें न्हय. जागतीक स्थरार सयत लातें (ल्याटीन) भास जांव, अरामायीक भास जांव, हिबरू भास जांव उलंवचे भोव उणें वा नांच म्हण्येता. पाश्चात्य साहिताची सूरवात जाल्लीच कोपटीक लिपिंत म्हळ्ळे पुरावे वाचुंक मेळतात पूण आज कोपटीक लिपी वाचतले नांत देकून ह्या लिपिचेर होंद्दोन आसची भास सयत अपशीच आळवोन गेल्या.

भारताच्यो थोड्यो भासो उलयतेल्यांचो संको दिसानदीस उणो जावन येता; सांतली (०.६३%), काश्मीरी (०.५४%), नेपाली (०.२८%), कोंकणी (०.२४%), डोग्री (०.२२%), मैतै (०.१४%), बोडो (०.१३%) आनी संसकृत (०.११%)..

आयलेवार पर्गट जाल्ल्या काणिस्मारिच्या अंक्यापरकार भारतांत सभार भासो उलयतल्यांचो संको देंवोन आयला, आनी तांतूं कोंकणी भासयी एक जावनासा म्हळ्ळें भोव निराशेची गजाल. जागतीकरण खंडीत जावन हाचें मूळ कारण म्हळ्ळी जवाब युनिवर्सल पूण आमच्या देशाक मतिंत धरून सांगचें तर शहहरीकरण एक प्रमूक कारण. हो अन्येक फुडलो व्हड समस्सो अमी फूड करुंक आसा. शिकपाक, व्हख्ताक, वा हेर मुळाव्यो सवलत्यो नासताना चडावत लोक शहेरांनी वसती करुंक लागला. शेतां–भाटांनी काम कर्चो लोक दिसानदीस उणो जावन आयला. जागे–शेतां–भाटां पणगील पडल्यांत आनी तांतूं झडां–बोल्यांनी जियेवंक करुंक सुरू केलां. रान मनजात्यो सयत आजकाल हळ्ळेंनी देंवोंक लागल्यात म्हणताना आज हळ्ळेंनी वसती करुंक कोणाकच मन ना जालां. देकून थोडीं अपली आसत विकून शहेरांनी फ्लेटांनी वसती करुंक धरलां. शहेरांनी व्हापार जांवची भास चडताव जावन वेगळी शिवाय आवयभासच जायजय म्हणून ना.

अन्येक कारण; आयच्या तांत्रीक काळार आवयभासेंत फुडार तितलो उज्वल ना. पूण जागतीक भास शिकल्यार फुडाराक एका न्हय एका रितिचो फायदो तशेंच आवकास लाभतात म्हळ्ळें सत.

भास खंच्याय लोकाचें असतित्व, भास तांचो स्वाभिमान, लोक दीस्पडत्या वापाराक वेवेगळ्यो भासो शिक्ता पूण आपली आवयभासेचो हुस्को आनी मोग ताका सहज जावन

आसता. अशें आसताना कोंकणी भास आळवोन वेचीं खुणां दिसोन येंवचें कितलें मारेकार म्हळ्ळें पयलें सवाल आमी आमकां कर्ची गर्ज आसा. आवयभासेंत उलयिल्ल्यांत कितें फायदो म्हळ्ळें सवाल कर्तेले, आपल्या आवयभासेंत उलयनातल्ल्यांत कितें लुक्साण म्हळ्ळें चिंतुंक वचानांत.

एक भास सांभाळची जवाभदारी कोणाची? एक भास त्या भाशिकांक दीस्पडतो ग्रास हाडून दिता? एका भाशेनिमतीं फुडार भांदुंक साध्य आसा? भास जिवाळ उरंवचेदिशेन संघटन, खासगी/सर्कारी संस्थे, पतरां, वाचपी, बरयणार, संगीतकार, कलाकार, वावराडी हांची जवाभदारी कसली म्हळ्ळे चिंत्पाचेर अमी आटोव कर्ची भोव गर्ज आसा पूण कशें? ह्याच विचारांचेर हे थोडे वाद मांडुंक आशेतां;

१. स्वीकारपणाचें (Accommodative) चिंताप उभजांवची गर्ज.

कोंकणी भास पांच लिपिंनी च्यार राज्यांनी उलंवची भास म्हणतच, कोंकणी भास फकत गोंयची भास म्हण लेकचें न्हय. जशें एका माटवाक च्यार खांबे च्यार पोंतांक घट करुंक उपकारतात तशें. हांतूं खंचोय एक खांबो गर्जेभायलो म्हण केलें तर ताचो प्रभाव सगळ्या माटवाचेर पडता. आज इंगलीश भाश फकत लंडनाची मात्र म्हळ्ळ्या वादांत अर्थ ना. तशेंच कोंकणी म्हळ्यार च्यार राज्याचे, पांच लिपियांचे, पन्नासां वयर बोलिंचे सगळे कोंकणी म्हण आमी चिंतिजाय शिवाय लिपी/जात/कुळी/बोली/जनांगाचीं निबां दिवून विविंगड केल्यार हाचो परिणाम कोंकणी भाशेच्या वाडावळेचेर पडता.

पूण दुर्भागपणान हकीगतेंत हें घडाना, साहीत अकाडेमिची कमिटी पळेया, हांतूं महाराश्ट्र/मुंबयचीं एकलींय नांत. साहितीक अकाडेमिचें प्रांतीय दफ्तर मुंबयांत आसोनयी, थंयसर जांवच्या कोंकणी साहितीक कारयांनी मुंबय थावन कोणाकयी प्रतिनिधित्वयी ना आपवणेंय ना म्हळ्ळें सत अडहूक लागत. हांगासर कोंकणी म्हळ्यार फकत गोयां मात्र म्हळ्ळें चिंताप दिसोन येता. कोंकणी गोंयची राजभास व्हय. पूण केरळांतली, मंगळुरांतली, मालवाणांतली, मुंबयांतली कोंकणी कितें पर्देश्यांची?

२. संघटनांनी दिश्टावो (Visionary) आसच्या जोक्त्या मुखेलिच्यांची गर्ज.

कोंकणी भाशेची, साहित्याची, लेखकांची, संघटनांची पुर्ती वळोक आसच्यांनी संघटनांनी मुखेल्पण घेंवची गर्ज आसा. दुर्भागपणान आज साहीत–भासेची जांव साहिती–वावराड्यांची वळोक नासचेच खासगी/सर्कारी संघटनांचें मुखेल्पण घेतात. तांचो महत्व

खंच्या फ्लायटाचेर वेचें, खंच्या होटेलांत रांवचें, कोण मुकेल सयरो, खंयचो मेनू म्हळ्ळ्याचेर चडीत शिवाय, कोंकणी वावर कर्तेल्यांची वळोक जांव, तसल्यांक सोधची उर्भा जांव भिल्कूल ना. तांकां लाभच्या थोड्या वरसांनी जाताततिलें कमायजय (नांव, दुडू, वशीलाय वा हेर) म्हळ्ळो होर्भोस कोंकणी भासेकक लाचार करता म्हळ्ळें तांच्या मतीक गेल्लेंच ना.

३. हव्यासी वर्गाची धाड

हें सद्द्याक कोंकणी भाशेच्या एकेका शेताक पोकोळ करुंक सकलां. हव्यासी बरवपी, हव्यासी नाटकिसत, हव्यासी गावपी, हव्यासी संघटक, हव्यासी फिल्मां, नाटकां, पतरां. हांगासर मौल्याधारीत, नैतीक जवाभदारेचो कुसकूट सार सयत नासताना अख्ख्या कोंकणी वर्तुलाक लाचार करता. हेंच हव्यासी चिंताप मुखारून तसल्यांकच पुरसकार, तसल्यांकच प्रशस्थी म्हणताना बाकिचें तुमिंच वोरावन पळेया. विचार कर्तलो लोक ना तर हीच अवस्था.

४. सायलो (Silo) चिंतप

कोंकणीक धोसची भोव मारेकार पिडा ही. वेक्ती, संघटनां चडुणें सगळीं फकत उभीं (Vertical) चिंत्पाचीं; आमिंच व्हड, आमिंच एक. असल्यांक हांचे भंवारीं कितें घडता म्हळ्ळी खबरच ना, आसक्तयी ना, चिंतपयी ना. पूण दिश्टावो आसचे वेक्ती वा संघटनां उभीं मात्र न्हय, आड (Horizontal) रितिचो वावर करता. तेदनां मात्र व्हाळच्या उदकापरीं चिंताप सयत एकामेका पाशार जाता. उभें चिंत्पांत फकत तळ्याच्या उदकापरीं, दिसानदीस म्हेळेंच जाता शिवाय नितळ न्हय.

५. 'पयलें सवाल' आमकांच करुयां

कोंकणी भाशेक जिवाळ दवरुंक कोणे कितें करिजाय म्हळ्ळें विचार कर्च्याधीं, हेंच सवाल आमी आमकांच कर्ची गर्ज आसा. आमकां कोंकणी भास कितली महत्वाची? आमी कोंकणी वाचतांव? आयकतांव? आमच्या घरांनी कोंकणी भाशेक पाटिंबो दितांव? समाजेच्या हेर शेतांनी कोंकणेक पाटिंबो दितांव? जर आमिंच कोंकणी भाशेक मान दीवंक सकानांव तर हेरांक बोट जोकुंक आमकां कसलेंच हक्क ना.

कोंकणी भास आळवोन वेतेली म्हळ्ळें रुदान कांय म्हज्या साहितीक भुर्ग्यापणार थावन आयकून आयलां. पूण आज पासोन कोंकणी भास जिवाळ आसा, अशें म्हणतच फुडल्या

दिसांनी सयत ती जिवंत उर्तली म्हणून हात भांदून बोसचें भिल्कूल न्हय. आज कोंकणी आमच्या ताबेंत आसा देकून ती भास राकून वर्ची जवाभदारी आमची. देकून आमी एकेकल्यानी आमच्या तांकिभितरलो वावर कर्ची गर्ज आसा.

कोंकणी भास आळवोन वचानाशें कोणे कसलो पात्र घेव्येत?

१. लोकांचो पात्र: कोंकणी भास आमची खासभास देकून आमच्या दीस्पडत्या जिण्येंत कोंकणी भाशेक चडीत महत्व दीवंक जाय. जशें कोंकणी भाशेंत उलय, कोंकणी पतरां, बूक वाचून, संगीत, कला, वावराक पाटिंबो दिंवचो आमचो कायदो तशेंच स्वाभिमानी सवाल म्हळ्ळें मांदून घेंवचें. इस्कोलांनी आमच्या भुर्ग्यांक कोंकणी शिकाशें पळेंवचें, वा त्या आवकासाक इस्कोलाच्या व्हडिलांक मागचें. धार्मीक रितिरिवाजो कोंकणी भाशेंत चलुंक मागचें. कोंकणी आमची अस्मिताय जाल्ल्यान आमी आमची अस्मिताय होगडांवची न्हय. देकून आमच्या फिर्गजेंनी कोंकणी मिसांक चडीत प्रामुख्यता लाभाशें कर्चें आनी तांतूं चडीत लोकांनी वांटेली जायशें कर्चें.

२. कोंकणी संघटनां: कोंकणी लोकाची अभिरूच चडंवचो कायदो तुमचो देकून पयलें तुमी देखिभरीत कर्नी कर्ची. तुमिंच कोंकणी भास नेणासून, कोंकणी भाशेक पाटिंबो दीनासताना लोकाक प्रेरीत करुंक वचानाकात. तुमी संघटक शिवाय आडळतेदार न्हय, देकून हेरांचेर थापुंक वेच्याधीं पयलें स्वतां पाळुंक शिका. जेदनां देखिभरीत मुखेली संघटक जावन आसतात तेदनां लोक सयत अप्सोच पाटिंबो दितलो. थोडे भोव गर्जेचे हिशारे;

२.१. मुकल्या पिळगेक लागीं घेया – चडावत जावन साठ सत्तर प्राय मिकवल्ले संघटनांनी मुखेल्पण घेतात आनी युवजणांक लागीं येवंक सोडिनांत. हांणी सांगचें एक आनी कर्चें बोल्तेंच. हांतूं तसलीं संघटनां मात्र न्हय, कोंकणिंच लाचार करता. वर्साक एक पावटीं तालेंत स्पर्धो कर्न तुमी आंगवण तिर्सली म्हळ्ळें चिंतात. तुमकां कोंकणी म्हळ्यार फकत वेदिकारयीं म्हळ्ळें सोडन हेर कितेंच कळीत ना. भुर्गीं/युवजणांच्या तालेंतांक मुकार हाडुंक एक वेदी कर्चेविशीं कामासाळां, तर्भेते शिभिरां मांडून हाडचीं, नव्या वाचप्यांक, नव्या बरवप्यांक, नव्या वावराडिंक तयार कर्ची जवाभदारी तुमची म्हळ्ळें समजोन घेया.

२.२. हेर संघटनांच्या वावराचेर तुमची नदर आसुंदी – तुमचेंच गुमट तुमी व्हाजयनाकात. कोंकणी च्यार राज्यांनी आसा, तर हेर राज्यांनी कसलीं संघटनां कसलीं कामां करून आसा म्हळ्ळें तुमच्या गमनाक आसचें वा त्या दिशेन मेटां काडचीं भोव गर्जेचीं.

२.३. म्यूजिकल चेर चिंत्पाथावन भायर येया – तुमिंच थोडे, तुमकांच धुंपयतेले थोडे मेळून, तुमी केल्लेंच कोंकणी म्हळ्ळी अर्गांट चिंतप सोडा. कोंकणी जर आज इतली लाचार जाल्या तर तुमच्या असल्या चिंत्पानिमतीं म्हळ्ळें समजून घेया.

२.४. तुमी एका प्रांत्याचे, देकून तुमच्या प्रांत्यांत कोंकणिच्या वेवेगळ्या शेतांनी वावर केल्ले, कर्तेले तशेंच करुंक उर्भा–मन आसच्यांविशीं तुमकां माहेत आसची भोव गर्जेची. अशें तुमी एकेका शेतांक थेंको लाभचेदिशेन वावर कर्ची गर्ज आसा. कोंकणेच्या वेवेगळ्या शेतांनी पर्जळल्ल्या नेकेतरांच्या साधनाचेर अभिमान पांवची गर्ज आसा, तशेंच असल्यांचीं साधनां हेरांक प्रेरीत जांवचेपरीं कर्ची जवाभदारी आमची. जांव तीं साधनां गोंयांत जाल्लीं, जांव कोच्चिनांत, जांव मुंबयांत व जांव मंगळुरांत पूण कोंकणिची साधनां जाल्ल्यान ताका जोक्तो मान दिंवची गर्ज आसा. कोंकणी अभियानां आयच्या काळार भोव गर्जेचीं.

३. वृत्तिपरता (Professionalism): हव्यास बरो, पूण हव्यास वृत्तिपरता न्हय. देकून कोंकणेच्या वेवेगळ्या शेतांनी चल्चो वावर समकाळीन हेर भाशेच्या वावरासवें तुलन करा शिवाय हव्यासाक महत्व दिंवचें सोडा. हांगसर सिंतिमेंतां एक, पूण गूणम ` भोव गर्जेचें. मराठी भाशेंतलें 'सायराट' म्हळ्ळें पिंतूर भारताच्या कांय सात भासेंनी रिमेक/डब्ब जालां म्हणतच मराठी भाशेची ग्रेसतकाय पाचारता. अशें भाशेक ग्रेसत पाचार्चो वावर करुयां शिवाय भाशेच्या तोंडाक करी पुसचें हव्यासी कामां न्हय.

४. पतरां: एक भास जिवाळ दवर्चेदिशेन पतरांचो वावर भोव महत्वाचो. पूण दुर्भागपणान आज पतरांक दिश्टावोच ना. एकेका पत्राक एकेक कूस दिसता आनी कोंकणी भाशेचो फुडार सोडन बाकिचें सगळें तांतूं आसता. एका समाजीक चिंतप ऊंच उभारुंक तुमचो वावर आसोंदी शिवाय समाजेच्या नद्रेन तुमिंच सकला पडानाकात. आज नांवाक आमचेलागीं फिर्गज पतरां आसात, पूण त्या कितल्या पतरांनी कसलें म ` आसा? ह्या फिर्गज पतरांनी बरयतेले कितले समाजीक परतांनी बरंवची श्याथी आसचे?

५. साहिती/बरयणार: हव्यासी चिंत्पाचे भायर येया, प्रायेक, सिंतिमेंतांक, भलायकेक निबां कर्न पुरसकार, प्रशसतेचे आंवडे कर्चें रावया, साहिताक प्राय ना, कुडीक प्राय आसत, देकून तुमचें साहीत प्रगतिशील जावन उदेवन येंवदी, वेळाक सरी जावन तुमच्या बर्पांनी बदलावण हाडा शिवाय तत्वांनी न्हय. समाजीक मौल्यां तुमच्या बर्पांनी दिसोंदी, एकामेकाची पाट खोर्पुंचें रावया. फटकिरें साहीत खंच्याय भाशेक नित्राण करता. तुमचें साहीतच

उलंवदी. आनी हेर समकाळीन भाशेंसमोर तुमचें साहीत खंय आसा म्हळ्ळें पयलें वोरावन पळेया. दयकरून हेरांचें वाचा.

६. सर्कारी संस्थो: कोंकणी भाशेच्या फुडाराविशीं तुमकां दिश्टावो आसची भोव चड गर्ज आसा. तुमचो वावर फकत वेदिकारयांनी आनी खबरेपतरांच्या वर्देक सीमीत जावंक न्हजो. क्वालिटी आनी क्वांटिटी दोन वेवेगळे सब्ध. देकून तुमी कितलीं कारयीं केलीं म्हळ्ळयाचेर विचार कर्च्याकी, कितल्या गुणम ाचीं कार्‍यीं केलीं म्हळ्ळें चिंतप भोव गर्जेचें. कोंकणी भाशेक पाटिंबो लाभच्या हरेका शेतांनी तुमी विचारसातीं, कामासाळां कर्चीं गर्जेचीं, आनी तुमचेलागीं निर्दिश्ट एक कामासूची (प्रोजेकट) आसोन, जोक्त्यांक तो वावर दिंवची गर्ज आसा. कोंकणी भाशेंत सगळ्यांचें मेतेरपण गर्जेचें देकून तें मेतेरपणाची जवाभदारी तुमचेलागीं आसा देकून तुमची वावर देखिभरीत जांवचो भोव गर्जेचो शिवाय धाकवपाचो न्हय.

अखेरिचो शरो: जोर्ज बर्नाड शा म्हणता "We understand the beauty of our mother tongue when we are abroad". आनी हिंच उतरां म्हजो खरो अनभव म्हण्येत. अजीक सत्रा वर्साधीं कुवेयटांत तशेंच गलफांत आसलेवेळार पार्किल्लें, कोंकणी भाशेची वोड लोकांथंय आसली आनी कुवेयटांत घडल्ली कोंकणी अभियान समितीक लोकाचो पाटिंबो लाभल्लो. मुंबयांत सयत कोंकणी भाशेची वोड थोडेम ाक तरयी आसा म्हण्येत. पूण आमच्या मांयगांवांत ती मातशी शेळेल्लेपरीं दिसता. कोंकणी भाशेक आळवोन वचानाशें कर्च्यांत आमी कारयांत सुर्वात कर्ची गर्ज आसा. एकवटीत वावराचीं कारणां सोधून लोकाक एकवटीत कर्ची श्याथी आसच्यांक मेतेर करिजाय शिवाय निबां सोधून विंगड कर्चें न्हय. आमचेमुकार उभें आसचें हें एक व्हड शर्त आमी कार्‍यरुपार ज्यारियेक हाडुंक जाय शिवाय फकत उलवपांत कितेंच बदलाप घडाना. आनी ही सुर्वात आमी सर्वांनी मेळोन कर्ची भोव चड गर्ज असा.

[२०१९ इस्वेंत मंग्ळुरांत आसा केल्ल्या कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमिच्या वर्सुगेच्या संधर्भार सादर केल्लें प्रबंध]

# नीद, मनीस आनी जिवीत

'Sleep is the golden chain that binds health and our bodies together' अशें म्हणता नामणेचो इंगलीश नाटकिसत, बरयणार तोमस डेक्कर. हीं वैचारीक उतरां जालीं तर, 'Sleep is the best meditation' अशें म्हणता धार्मीक दलाय लामा. हीं आध्यात्मीक उतरां तर नामणेचो मनशाशासतिराचो तजन अबरहाम मासलो म्हणता 'खंच्याय मनशाक पयलें जाय कुडिच्यो गर्जो, म्हणजे खावंक, पियेवंक आनी विशेव (नीद)'. ज्या मनशाक जेदनां ह्यो गर्जो तिर्सनांत तर ताच्यान कितेंच करुंक साध्य ना.

मनशाक ह्या संसारांत जियेवंक कितें गर्जेचें म्हळ्ळें सवाल केलें तर, ताची जबाब आसुयेता; सेंवचें वारें, पियेंवचें उदक आनी खांवचें खाण. जितलें हें गर्जेचेंगी तितलेंच नीदयी गर्जेची. सभार देशांनी अजून सयत कयद्यांक सार्की नीद दीनासताना धोसून सजा दिंवचें कानून आसा. मनीस सयत मिनत करता, वांवट काडता अपल्या असती–बदकाक पुंजावंक पूण जेदनां ताका नीद म्हळ्ळी लाभाना तर तो वेगिंच अपली भलायकी होगडावंक पावता.

अजीक कांय पंचवीस वर्साधीं मुंबयांत हांव काम करून आसलेवेळार म्हजो पाग देड हजार रुपय. एका सकाळीं सात वोरां थावन सांजेर तीन वोरा पऱ्यांत शिकंवचें काम तें. म्हज्यो मुळावो गर्जो संपवंक त्या देड हजारांनी सर्व रितिचो आटोव करून हरेका दिसा एकेका पयशाक खर्चिताना सयत दोदोन पावटीं चिंतची परिगत. तेदनां म्हाका एक आवकास हांवें शिकंवच्या संस्थ्यान दिल्लो म्हळ्यार, जरतर हांव रातीं नोव वोरां पऱ्यांत काम करुंक सक्तां तर म्हाका अन्येक हजार रुपय सांभाळ मेळतलो म्हणून. म्हळ्यार सकाळीं सात थावन सांजेर नोव वोरां म्हणासर काम. हांवें रांवच्या कोट्रेथावन हांवें काम कर्च्या जाग्याक येवंक चडुणें देड वोराचें पयण आसलें. दनपारां एक थावन तीन वोर म्हणासर म्हाका दोन वोरांचो सुशेग आसलो. एक वोर जेवणाचो तर अन्येक वोर हांवें मागून घेतल्लो.

मुंबयांत म्हजेसवें शिकोन आसल्लो, हांवें शिकंवचा संस्थ्याच्या बगलेन वसती करतालो नीलय पटेल म्हळ्ळो गुजराथी केनडा वेच्यार आसलो, आनी ताच्या तोंडाचें प्लासटीक सर्जरी करून तो ताच्या घराच आसलो देकून ताणें म्हाका सदांय दोन वोरां शिकंवचें काम दिल्लें. पूण हांवें ताचेलागीं केल्लो सोल्लो जावनासलो; 'हांव तुका एक वोर मात्र शिकवंक सक्तां, पूण म्हाका फीस जावन तूं एक वोर तुमगेर निदुंक सोड', विचित्र फीस ते. ताकाय संतोस आनी म्हाकाय एक वोराची नीद मेळ्ळी म्हळ्ळो संतोस.

हरेक मनीस कितें ना कितें काम करून आपलें तशेंच आपलें कुटम चलयता. तेदनांय ताची मुळावी गर्ज पयली कुडिची जावनासता. देकून गर्जेतेकीद आशा कर्ची स्वाभावीक. पूण केदनां ती 'गर्जेची गड' समजुंची सकत नासताना 'आशा' आसची 'अबलेस' जाताना चडीत कमायजय, चडीत पुंजायकय म्हळ्ळीं 'दुराशी' चिंत्नां मतिंत येताना सुरू जाता धांवणी, जी एका वेगळ्याच दिशेंत. थंयच मनीस विसरता 'बरें खंचें आनी वायट खंचें'. कित्याक म्हळ्यार ताचो शेवोट फकत कमांवचो, पुंजांवचो शिवाय त्ये पासत ताणें गुड्डांवची वाट ताच्या नद्रेक पडाना, पडल्यारयी ताची 'नैतीक दीश्ट' पयलें गयरी जाल्ली उपरांत कुड्डी जाता. देकून अपल्या पुंजावणेक लागून तो अपल्या पेल्यांचें लुटुंकयी पाटीं सराना. आपल्या सुकाळ निदेक लागून तो हेरांची नीद फारता आनी एका ना एका दिसा तो अपलीच नीद होगडांवन घेवंक पावता.

संसारी धन कमांवच्या धांवणेंत मनीस अपली नीद सयत होगडावंक पावला. दीस–रात म्हळ्ळें लेकिनासताना ताणें आज धन–दिर्वें कमायलां पूण ताच्या अंतरात्म व कोशेडदांत तो जाणा अपणान खंयसरकी कोणाककी लुटून खेलां. देकून अपली सुशेगाची नीद सयत ताका सार्की लाभानासताना आमाल पियोण्याचो वा निदेच्या गुळियांचो गुलाम जाता. मोल/दर (Cost) आनी किम्मत (Value) म्हळ्ळे दोन महत्वाचे सब्ध. मोल/दर म्हळ्यार ज्ये कितें आमी दितांव, किम्मत म्हळ्यार ज्ये कितें तांतूं आमकां मेळता. आतां सवाल हें; ज्ये कितें आमकां मेळता व मेळ्ळां, ताका आमी दिल्लें मोल कितलें वाजबी?

हें सवाल हेरांक न्हय, अपणाक विचारलें तर गमतेलें.

नतलांचें फेस्ताचो संभ्रम सुरू जाला. ज्या संभ्रमांत आज हांव आनी सगळो संसार 'धाकवपांत' वेसत जाला, ताच्या मुळाचो नियाळ केलो तर, देवाचो पूत जावनयी तो गत आधार नातल्ल्या पर्की गांवांत एका खावणेंत जल्मलो, गरीबांच्या गरीबांपरीं. वीपऱ्यास म्हळ्यार इतलें सर्व जाणा आसूनयी आमीं आमचेमधें गरीब कोण, निर्गतीक कोण म्हळ्ळें चिंतुंक स्कोंक नांव. गरीब फकत दुडवांत न्हय, मनशापणांत, मोग–मयपासांत, आपलेपणांत, नयतिकतेंत. चिंतुंक कोणाक वेळ आसा न्हय? कित्याक म्हळ्यार आमी दोळे उघडून निदोन आसांव.

पूण ह्या वर्साच्या नतालांच्या फेस्तांत आमचो कितलोय संभ्रम आसुंदी, पूण एक घडियेचो नियाळ आमी आमचे सकला पळेव्यांगी?

# कोंकणी, खोंकली आनी साहितीक स्पर्धे

’Sometimes the fight isn't about who wins or who loses; rather it's about what we've learned when it's all said and done.’ म्हळ्ळे सांगणेंत सुर्वात करतां. संसार, व समाज म्हणतच थंयचर एकलो वा एका चिंत्पाचो मनीस आसुंक जाय म्हणून ना. जेदनां एकापरास चडीत मनीस आसतात थंयचर विभिन्न चिंत्पाचें येणें स्वाभावीक. एका बलायकेभरीत समाजेंत वाद–प्रतिवाद सहज, जशेंच जिणी सयत निरंतर शिकची एक प्रक्रिया.

जोर्ज बर्नाड शाच्या उतरांनी सांगचें तर; ’We dont stop playing because we grow old; we grow old because we stop playing'. हांगासर खेळ म्हळ्यार स्पर्धो. आयचो संसार स्पर्धात्मक देकून हरेका शेतांत एका ना एका रितिचो स्पर्धो सहज जाला. एका प्रगतिपर चिंत्पाच्या वेक्तीक स्पर्धो एक विंचवण न्हय बगर स्पर्धो एक सहज जिण्येरीत. हरेका शेतांत चल्चो हो स्पर्धो साहितीक शेतांतयी वाजपी जाल्ल्यान स्पर्दो एकारितिचें माप. पूण साहितीक स्पर्ध्याविशीं आमचे जेराल विचार कसले म्हळ्ळ्या चिंत्पाच्या बुन्यादिचेर मुखार्सितां.

कोंकणी साहितीक स्पर्धे लांब काळाथावन चलोन आयिल्ली एक प्रक्रिया. वेवेगळ्यांचे अभिपराय वेवेगळे आसुयेता पूण ह्याविशीं एक बरवपी जावन हांव कितें चिंतां आनी पात्येतां? ताचेपाटल्यान तार्कीक विचार कसले? वैचारीक बुन्याद कसली? हेंच चिंत्पाचो आटोव करुंक आशेतां.

२००६ इस्वेंत राकणो साहितीक स्पर्ध्यांत म्हज्या ’रायाची फीऱ्याद’ कवितेक पयलें इनाम लाभलें, आनी मालघडो काणयेगार वल्ली वग्गन म्हाका फोन करून इतलेंच सांगलें; ’वल्ली, आयच्यान तुवें साहितीक स्पर्ध्यांत पात्र घेवंक न्हजो, कित्याक म्हळ्यार हेरांक आवकास लाभाजय’. वल्ली वग्ग म्हाका आवडचो काणियेगार देकून हांव फकत ताच्या उत्राक मान दीवन थोडो तेंप कसल्याच साहितीक स्पर्ध्यांक म्हजीं बर्पां धाडलिंनांत. पूण

मतिंत एक चिंतप कांतयतालें; एका धांवणेच्या मयदानाचेर म्हाका जिकाजय म्हणून हेरांच्या पांयांक भांदून हांव धांवत रावलों तर, त्या जयताक मोल आसा? हेंच अन्येका दिशेंत उचारतां; 'हांवें अपणायिल्ली जीक हेरांनी म्हाका दिल्ल्या आवकासानिमतीं वा म्हज्या साहितीक योग्यतेक लागून?' हें समजुंचें भोव गर्जेचें म्हळ्ळें आयलेवार कोंकणिंत, प्रत्येक जावन कानडी लिपियेच्या कोंकणिंत वेवेगळे साहितीक स्पर्धे चलोन आयल्यात. हरेक स्पर्ध्याच्या आयोजकांक तांचेच म्हळ्ळे रेग्रो आसात आनी उद्देश आसात. पूण कोंकणी समाज ल्हान, अनी आसचे बरवपी सयत उणें. देकून बरंवचे सगळे लेखक (लेकाक). आनी हाणीं बरयिल्लें (मतीक आयिल्लें) साहीत (??). आनी बरयलां देकून इनाम फावो म्हळ्ळें अर्गांट वेगळो.

एक स्पर्धो एका रितिचो माप. वेळाकाळाक सरी जावन अपणाचें बरवप (ताचे पाटल्यान अपलें चिंतप) कितलें प्रसतूत आसा? हांव वेळाक सरी जावन चल्तां वा पाटीं उरलां? हें सर्व पार्कुंक एक आवकास साहितीक स्पर्दो. साहीत म्हळ्यार एक हव्यास न्हय, बगर जवाभदारी. संसारांत हेर सगळी विध्या शिकंवचीं शाळां आसात पूण एकल्याक साहिती कर्चें शाळ संसारांत आसचेंना. साहित्याविशीं समजांवचीं शाळां आसुयेत पूण साहीत एक समाजीक काळजेची प्रजना. पूण पयलें तें मुळावें गिन्यान आसचें भोव महत्वाचें.

कांय तेंपाथावन राकणो साहितीक स्पर्धो चलोन आयला. त्ये उपरांत थोड्या हेर पतरांनी हे साहितीक स्पर्धे मांडून हाडल्यात. दायज साहितीक स्पर्धो कांय २००४ थावन २००७ पऱ्यांत इतलो लोकामोगाळ जालोकी, साहीत अकाडेमी पुरसकार जोडपी जे.बी.मोरायसान सयत वांटो घेतलो आनी ताका काणियो बरंवच्या विभागांत तिस्रें इनाम लाभलें. जयत वा जीक कोणाकयी सासणीक न्हय. हांगासर हो स्पर्धो एका ना एका रितिचें शिकप दिता. स्पर्धिकांक सयत.

आतां उज्वाड पत्र सयत वर्साळो साहितीक स्पर्धो चलयता. पयणारी जाळिजाग्यान २०१७ इस्वेथावन साहितीक स्पर्धो सुरू केल्लो, २०१८ इस्वेंत अखील भारतीय म ार तेंय दोन लिपिंनी स्पर्धो चलयलो. थोडे फिर्गज पतरांनी सयत पर्गटून येंवची योग्यता नातल्यांनी बर्पां धाडलीं. बर्पांक जी योग्यता आसली त्या प्रकार मापणी जाली. जीकल्लीं जिकलीं, सलवल्लीं थोडीं 'नाचुंक कळीत नातल्ल्यांनी आंगण वांकडें' म्हणून दुर्सोंक धरलें शिवाय अपूण कसो सलवलों? हेरांचें बरवप कशें आसा म्हळ्ळें वाचुंक सयत प्रेतन केलें ना.

कोंकणिंत 'साहितीक स्पर्दे' नांवार थोडीं खेळखुळां जातात. इनामां दीजय म्हणोन लादू/पेदूक इनामां दितात. असल्या स्पर्ध्यांक वोरयणार सयत तेच लादू/पेदू कासताचे.

हांकां स्वतां साहितीक प्रजनाय ना, ती कसली म्हळ्ळें जाणा जावंकयी नाका. आनी हेच लादू/पेदूक कांय एका साहितीक स्पर्ध्यांत इनाम लाभलें तर जालें. उपरांत तो हेविवेयट साहिती म्हण अपणाक अपूण चिंता आनी पात्येता. उपरांत ताचो बूक पर्गटून आयलो तर संसारान वोमतें पडोन नमान करिजाय म्हळ्ळे होर्भोस वेगळे. हे साहिती न्हय, खरें सांगचें तर 'गाद्यांनी बेर्चप्प जांवची योग्यता आसचे'. ताच्याकी कितेंच चडीत अपेक्षा तांचेथावन केल्लेपरीं ना.

एक उदेता सवाल हें. साहितीक स्पर्ध्याक हांव एक बरवपी जावन कसली तयाराय करिजाय?

एक काळ आसलो, एक स्पर्ध्याक कितलेशेकी स्पर्धीक अपलीं बर्पां धाडताले. पूण आतां स्पर्धे चडल्यात देकून स्पर्धिकांचो संको देंवला. तशेंच स्पर्धिकांची मनोगत सयत देंवल्या. वीपऱ्यास म्हळ्यार स्पर्धो चलयतेल्यांनी सयत आपली मुळावी जवाभारी स्वार्थाक आडोव घाल्या. हें मारेकार; जशें आयच्या काळार पुरसकार आसचेपरीं. पत्राचें धोरण म्हळ्ळें अन्येक मक्कर कोंकणी साहित्याक पोकोळ करता. पूण नीदल्ल्यांक जागव्येता पूण निदेचो वेस पांगुरलेल्यांक न्हय.

सिंतिमेंत वेगळें आनी साहीत वेगळें. खंच्याय भासेंतलें साहीत सिंतिमेंतांत बाळवना म्हणतच 'हेरांक आवकास' म्हळ्ळें पिसांट सिंतिमेंत कित्याक? स्पर्दो एक उग्त्या मयदानाचेर धांवणी. जी तांक ज्या बर्पाक (बर्पीक न्हय) आसा, तें बरप जिकुंक फावो. ज्यें बरप योग्य ना (खंच्याय कारणांक लागून) तें पयलेंच खचऱ्या डब्याक चेपचेंच सूक्त. हांगासर ह्यो पावटीं जीकल्लोच सासणाक जिक्ता म्हणून न्हय. माल्गडो काणियेगार एडी ने ो लांब काळ पऱ्यांत साहितीक स्पर्ध्यांत वांटो घेतालो. तो खुद्द मिलिटरिंत वावर केल्लो शिश्तेचो मनीस जाल्ल्यान 'स्पर्धो' म्हळ्ळ्या सब्धाचो अर्थ समजल्लो.

साहितीक स्पर्धो आनी ताच्यो रेग्रो अपणान मांदून घेंवचेतसल्यो तर हरेकल्यान तांतूं वांटो घेंवच्यांत चूक ना म्हळ्ळी म्हजी अभिपराय. कसल्याय काराणांक लागून अपणाक भाग घेवंक नाका म्हण दिसलें तर तें कसल्याच सिंतिमेंताक लागून न्हय.

कोंकणीक स्पर्धो गर्जेचो, जिकचो शिवाय सलवंवचो न्हय. वयर येंवचो शिवाय हेरांक सकला लोटचो न्हय. आनी हें साहितीक प्रजना आसच्यांक बरे रितीन समजोंचें सत जावनासा. बाकिचें सर्व कसतळ.?

# आटव्या वोळेरिंत कोंकणी आनी आमची खोंकली

साहीत अकाडेमीन फेबरेराच्या १७–१८ तारिकेर गोयांत दोन दिसांचें राश्ट्रीय कार्‍यासाळ आसा केल्लें. तांतलो विशय जावनासलो; ’आटव्या वोळेरिंत/अनुसूचिंत कोंकणी आयिल्ल्या उपरांतली कोंकणी परिगत’. तांतूं महाराश्ट्र तशेंच गलफांतल्या कोंकणी वावराविशीं एक प्रबंध सादर करुंक म्हाकाय आवकास आसलो. पूण हांगासर विशय आसचो बाब बसती वामन शेणय हाणीं जागयिल्ल्या विचारांचेर मात्सो नियाळ कर्चो.

बाब बसती वामन शेणय कोंकणिचो भीषम, एक वेक्ती न्हय तो एक संस्थो, म्हजेतसल्या जायत्यांक हुमेदिचें टोनीक, देक आनी प्रेरण. दूसऱ्या दिसाच्या अखेरिच्या परिसंवादाचो अध्यक्ष जावन मंगळूर थावन गोयां येवन उलयिल्लीं थोडीं उतरां खंडीत जावन गोंय मात्र न्हय, आमकां समॅस्त कोंकणी लोकान अपल्या कोशेडदांत तिळून परत विचार करुंक जाय आसलो विचार.

भारत संविदानाच्या आटव्या वोळेरिंत कोंकणी भास रीगल्ली १९९२ इस्वेच्या अगोसत २० तारिकेर. पूण कोंकणी ताच्यादीं सयत आसली. फाल्यां कांय ती परत आटव्या वोळेरिंतली काडली तरयी जीव आसतली. हांगासर आटवी वोळेर/अनुसूची म्हळ्ळें फकत एक नीब आनी कांय थोड्यांक एक आवकास. गोयांत कोंकणी राजभास कर्च्याक गोयांत चलल्ली चळवळ, ही भास हेर देशभासां पयकिंत एक जावंकयी ही चळवळ प्रमूक कारण म्हळ्यारी चूक जांवचिना. पूण फकत आमचो कोंकणी भास आटव्या वोळेरिंत/अनुसूचिंत अयली म्हणतच आमचें काम संपलें म्हण चिंतचेबदलाक, आमचें काम सुरू जालें म्हण चिंतल्लें तर भोवशा कोंकणी आज वेगळ्याच स्थरार आसती. थोड्या संग्तेंचेर तरयी अमी आटोव कर्ची गर्ज आसा.

कोंकणी पत्रिकोध्यम सुरू जाल्लेंच महाराश्ट्रंत (१८८९ इस्वेंत पुणेंत सुरू जावन उपरांत मुंबय (तवळचें बोंबे) आयिल्लें पत्रिकोध्यम), उपरांत कोंकणी चळवळेचो मुळावो वावर सयत सुरू जाल्लो मुंबंयत. त्या प्रकार आज मुंबयांत साहीत अकाडेमीच आसुंक जाय आसली, कोंकणी भवनां आसुंक जाय आसलें, इस्कोलांनी कोंकणी शिकुंक आवकास आसाजय आसलो, कोलेजिंनी/युनिवर्सिटिंनी सयत कोंकणिंत पद्वी, पद्युत्तर तशेंच संशोधनां चलुंक जाय आसलें. इंगलिशांत एक सोभीत सांगणी अशी आसा; 'If wishes were horses, then beggars might ride', पूण दुर्भागपणान हें कितेंच मुंबयांत ना. सगळें सोड्यां, कोंकणिचो बूक पर्गटल्यार तो घेंवची एक लैबरेरी वा संस्थो आज मुंबयांत ना. आज आमी कोंकणी पांच लिपियांनी, च्यार राज्यांनी, कांय पन्नास/चाळिसांवयर समुदाय/बोली उलयता म्हणून वेदिचेर सांग्तांव पूण वेदिसकला आमिंच एकामेका पर्की. आमकां अजून एकामेका च्युरे करुंक लिपी/बोली/जात/धर्म/प्रांत्य निबां जाय.

कोंकणिंत एक सोभीत सांगणी अशी आसा; 'मडवळाचें मोडें भायर दवरताना कळता'; हाचो मतलब असो आसा; हेरांची मुसतायकी न्हेसून सवय जाल्लो मडवळ जेदनां मोरताना अपलें म्हळ्ळें वसतूर कितेंच नासताना उदेंवची घडी. हांगासर ही सांगणी कित्याक म्हळ्यार, कोंकणी प्रकाशकांची परिगत सयत एकावाटेन तशीच जाल्या.

पांच लिपियांक सद्ध्याक बगलेन दवऱ्यां, एक लिपी घेव्यां; नागरी लिपी. आतां नागरी लिपिंत सयत बूक पर्गट केल्यार, गोयांत आमी भायले. देकून आमचे बूक तीं घेनांत. मंगळुरांत विश्व कोंकणी केंद्र थोडे बूक मोलाक घेता, आनी कर्नाटक कोंकणी साहीत अकाडेमी दोन हजार रुपय मोलाचे बूक घेता सोडल्यात हेर कसलोच थेंको कोंकणी बुकांक ना. एका वाटेन उणे जावन आयिल्ले वाचपी, अन्येका वाटेन चडून आयिल्लें छाप्याइएं आनी कागदाचीं मोलां ह्या परिगतेंत खरेंच जावन रग्ताचो घाम हाडयतात. आतां तुमिंच चिंता आनी सांगा – कोंकणी भास/साहीत कशी फुल्तेली? ह्या परिगतेंत गोयां भायर कोंकणी बूक पर्गटतेल्यांक 'पिशे' नासताना अनी कितें म्हण्येत? वेदिचेर सर्वांक आमी वोंटाची सेवा (Lip Service) दीवन, हकीगतेंत कोणाक कोंकणिचें पडोन गेलां म्हळ्ळें पयलें सवाल.

बसती मामान खरेंच कोंकणी मनशाच्या स्वाभिमानाक जागयलां. आतां 'अपल्या स्वताच्या आवयक आश्रमांत लोटुंक पाटीं सरानासच्या लोकाक, आवयभाशेचो हुस्को येतलो तरयी कसो?' म्हळ्ळें अन्येक सवाल. पूण स्वाभिमान म्हळ्ळो आसल्यार, अपूण एक कोंकणी, देकून अपल्या आवयभाशेक कितें तरयी देणगी दीवंक जाय म्हळ्ळो मनोभाव मतिंत धरून तो वावर करुंक बसती मामाचें उलवप खंडीत एका रितिचें प्रेरण लाभलें म्हणच्याक सगळ्या होलांत भरल्ल्या लोकांच्या तोंडांनी पडल्लीं बिगां पळेतानांच सुसततालें.

हो समस्सो गोयां आनी गोयां भायल्यांचो न्हय. आमच्या कोशेडदा आनी आमच्या चिंत्पामधल्या तफावताचो. जेदनां आमी आमच्या कोशेडदालागीं प्रामाणीक जावन नांव तेदनां कोणें कितें केल्यारी तें फात्राचेर वोतल्ल्या उदकापरीं. हें चिंतप आमी चिंतचें भोव गर्जेचें. बसती माम प्रायेन ८० उतरला जाव्येत पूण स्पिरितान आनी कोंकणी मोगांत तो अजून तर्नाटो. ताचेसवें थोडोच वेळ खर्चिल्यार अपशेंच कोंकणिखातीर कितें तरयी करिजाय म्हळ्ळें प्रेरण येता म्हणच्याक हांवच गोवाय.

दोन दिसांचो राश्ट्रीय परिसंवाद जालो, हांतूं सादर जाल्लीं बर्पां/प्रबंध बुकारुपार पर्गटची येवजण साहीत अकाडेमीन येदोळच घाल्या. पूण कोंकणीक नवो जीव दिंवच्याक इतलेंच पावता? हीं सवालां आमी कोणाकयी न्हय, आमकांच विचारल्यार आनी ताची जवाब आमच्या कोशेडदांत तिळ्ळ्यार कळता. बाकिची सर्व गवज.

# फिल्मां आनी समाज

ल्हानपणार थावन आज पासोन आमच्या चडतावांच्या जिण्येंत फिल्मांनी एका ना एका रितिचो प्रभाव घाला. जांव तीं कसल्याय प्रकाराचीं फिल्मां, जांव देशी व विदेशी, जांव हेर भासेचीं वा हेर कालेतिचीं पूण फिल्मांनी मनशाक तशेंच समाजेचेर एका ना एकारितीर अपलो मोर घाला म्हणच्यांत दुस्रें उतर ना. देकून इस्कोलाच्या, कोलेजिच्या दिसांनी पळयिल्लीं फिल्मां कितलीं आसतीत? फिल्मांचें पिशें लागून कोलेजिच्यो क्लाशी बंक करून सयत फिल्मां पळेल्लीं कितलीं नांत?

फिल्मां म्हळ्यार सर्वांक एक निर्दिश्ट अभिपराय आसुंक जाय म्हणून ना. कोण डिशूं डिशूं फिल्मा खायस करतात, आनी कोण होर्रर फिल्मां. कोणाक संगीत/पदां/कांतारांचीं फिल्मां आवडतात तर आनी कोणाक रोम्यांटीक वा मोगाचीं फिल्मां. इतलेंच न्हय; जागतीक स्थरार सयत जाल्लीं (होलिवूड) फिल्मां आमी खायस करून आयिल्ल्यांव; जांव 'टेन कमांडमेंटस', 'बेन हर', 'एक्सोर्सिसट', 'गांधी', 'जावस', 'टैटानीक', 'ग्लाडियेटर', 'ज्युरासीक पार्क'.... लिसट अखेर जाल्लेपरीं ना. तशेंच बोलिवूड फिल्मां; 'पथेर पांचाली', 'गैड', 'प्यासा', 'कागज क फूल', 'देवदास', 'दो भिगा जमीन', 'मदर इंडिया'... ही लिसट सयत अखेर जायनासली.

अशेंच आमच्या हेर राज्याचीं फिल्मां 'मरो चरित्र', 'नायगन', आयलेवारचें 'सायराट'... आतां कोंकणी आमची आवयभास म्हणून कोंकणी फिल्मांविशीं उल्लेक कर्चो तर, कांय १९४९ इस्वेंत मुंबयांत जी. एम. बी. रोड्रिगसान 'सुखी कोण' म्हळ्ळें पयलें कोंकणी फिल्म निर्माण केलें पूण तें फिल्म केदिंच रिलीज जालेंना. १९५० इस्वेंत गोंयकार भाव जेरी ब्रगांजान 'मोगाचो आंवडो' निर्माण केलें, आनी हें फिल्म रिलीज जालें १९५० इस्वेच्या एपरील २४ तारिकेर. देकून आज हो दीस 'कोंकणी फिल्माचो दीस' म्हणून संभ्रमतात.

एका तेंपादीं म्हाका फिल्माचें पिशें इतलें आसलें म्हळ्यार १९८४ इस्वेंत पयलेपावटीं बोंबोय (आतांचें मुंबय) आयिल्लेवेळार एकाच दिसा ४ फिल्मां पळेल्लें आसा; मोर्निंग शो, म्याटनी, ईवनिंग शो अनी उपरांत नैट शो अशें जेवणाची/खाणाची पर्वा सयत नासताना फिल्म पळेल्लीं. आनी असली फिल्माचीं पिसाय आसल्ल्या म्हाका आयलेवार, गोंयांतल्या देंपे कोलेजीन मांडून हाडल्ल्या दोन दिसांच्या राश्ट्रीय कार्‍यासाळांत 'मंगळुरी बोलिच्या कोंकणी फिल्मांविशीं' उलवंक आवकास लाभल्लो.

कोंकणी फिल्मांविशीं हांवें पयलें अयकताना हांव कांय प्रायमरी इस्कोलांत शिक्तालों. 'मोग अनी मयपास' म्हळ्ळें फिल्म आनी विलफी रेबिंबसाचें मधूर संगीताचें फिल्म. त्ये तेंपार समाजेंत भोव मारेकार रितीन धोसून आसल्ल्या 'दोत–देणे' पिडेविश्याची काणी आसल्लें फिल्म. समाजीक अर्सो धर्चें पिंतूर युनायटेड यंगस्टर्स हाणीं निर्माण केल्लें फिल्म. पूण त्ये उपरांत मंगळुरी कोंकणिंत नांवाक कांय सभार फिल्मां आयलीं तरयी लोकांच्या काळजामनाक रिगोन थीर ऊरल्लें एक फिल्म सयत आज पासोन आयलें ना. हो म्हजो खासगी विचार. आनी सिंतिमेंतां एका जाग्यार पूण गूणम ` प्रमूक. कोंकणी म्हजी आवय म्हळ्ळ्या सिंतिमेंताक लागून हांव मतीक आयिल्लें पर्द्यार धाकंवच्याक म्हजो वेळ तशेंच तकली विभाडुंक तयार ना.

पूण आयलेवार थोडो आडवाद हांगासर घेंवचो तर; जी.एस.बी. बोलिचें फिल्म 'आ.वै.जा.सा.' पयलें भुग्यांचें कोंकणी फिल्म. ह्या फिल्माची काणी खंडीत समाजेक स्पंदन कर्चेतसली म्हणून सांगचें धयर घेतां. तशेंच अन्येक फिल्म 'अंतू' म्हाका नवो भर्वसो मनांत आंखरेवंक करता.

पूण देंपे कोलेजिच्या कार्यासाळाचेर प्रदर्शीत केल्लें 'नाचुयां कुंपासार' फिल्म पळेतच निजायकी अशें भगलें; कोंकणी फिल्मां सयत जागतीक म ार स्वतंत्र रितीन उभीं रांवची श्याथी आसचीं. फिल्माची काणी, संगीत, नटन, आनी निर्देशन अशेंय पिश्यार घालुंक सकलें म्हळ्यार एक घडी सयत थंयचो उटुंक मन आयलें ना. आनी एका श्रेश्ट फिल्माचीं लक्षणां सयत हिंच; प्रेक्षकाक बांधून दवर्ची.

आयचो काळ आधलो काळ न्हय, देकून क्रीसत पूर्वाच्यो कुसा ˙ काणियांक मसाला घालून गतिग ाचें फिल्म काडून 'कोंकणी सिंतिमेंतां'क बंडवाळ करून, आनी असलीं फिल्मां कमिशनाक लागून लोकाक रास घालून 'आमी कोंकणी सेवा केल्या' म्हणून लेकचा पिसांट लोकाक येदोळच लोक कांठाळोन गेला. आतां तरयी तीं पिसांट सिंतिमेंतां पयस करून हकीगत समजुंचें प्रेतन केल्यार बरें. नां तर असल्यांक 'काळ' लिसांवां शिकयतलो म्हळ्ळें चरित्राच गवाय.

अन्येक महत्वाची गजल हांवें पार्किल्ली म्हळ्यार तालेंतवंत युवजण आनी तांची उर्भा आनी देणीं. आनी ही उर्भा आनी आसक्तेक वळकून, तसल्या युवजणांक बरें मार्गदर्शन, देक तशेंच तर्भेत दिंवचे प्राध्यपक वर्ग. गोंयच्या चडताव कोलेजिचे शिक्षक/प्राध्यापक वर्गाक हांव व्हळकतां देकून तांचीं कामां सयत हांव लागसिल्यान पळेवन आयलां. ह्या सर्व शिक्षक/प्राध्यापकांक खंडीत उल्लास पाटयजाय. हांगासर कसलेंच प्रोपगेंडा ना, बगार निश्टूर उतरांनी सत सांगचें तर; कोंकणी फिल्मांचे नवे दीस येंवचीं बळवंत लक्षणां हांवें गोयांत पळेलीं. आनी कोंकणी फिल्मांविशीं एकारितिची जागृती हाडवंक देंपे कोलेजीन मांडून हाडल्लें राश्ट्रीय कार्यासाळ खंडीत कोंकणी फिल्मांक फायद्याक जातलें म्हळ्ळें धयरान सांग्तां.

चडतीक म्हज्या–तुज्या न्हय, वेळा–काळाच्या हातान आसा.?

# एक नवो संसार

एका तर्नाट्याची काणी अशी आसा; गरीब कुटमांत जल्मून, जोक्तें शिकप संपवन दीस्पडतो ग्रास जोडून, अपलेंच कुटम, एक ल्हान घर करून जियेतासताना ताचें गमन थोड्या निर्गतीक प्रायेसतांचेर खंचली. उतर प्रायेक पावल्ल्या ह्या प्रायेसतांक सांडून तांचीं भुर्गीं पर्गांवांत जियेतालीं पूण तांकां जल्म, शिकप दिवून, व्हड केल्ल्या आवय बापायक कसलोच आस्रो नातल्लो. असल्या निर्गतिकांचेर पिडेन धाड घाल्ताना तीं पुर्तीं कंगाल जालीं आनी असल्या कंगाल प्रायेसतांक आपल्या घरा हाडून तांची जतन कर्चें काम ह्या तर्नाट्यान केलें. अशें थोडीं आसलीं प्रायेसतां चडून गेलीं. जात, धर्म पळेनासताना ह्या तर्नाट्यान असल्या प्रायेसतांक, पिडेसतांक तशेंच निर्गतिकांक आपल्या घरा हाडून तांची चाक्री करुंक सुरू केली. अशें ह्या प्रायेसत/निर्गतिकांचो संको चडून गेल्लेपरिंच हो तर्नाटो अपलें घर ह्या निर्गतिकांक राववन, एका भाड्याच्या घरांत वसती करुंक लागलो आनी कश्ट–आकांत कितलेय आयल्यारी, धयरान फूड करून ह्या तर्नाट्यान अपल्या कुटमासवें ह्या निर्गतिकांच्या सेवे/चाक्रेंत अपलें जिवीत समर्पुंक मेट काडलें.

ही कसलीच काल्पनीक काणी न्हय, एक जिणी. जी हांवें स्वतां पळयिल्ली. आनी ह्या निर्गतिकांच्या आश्ऱ्याचें नांव 'पश्चीम रिह्याब सेंटर'. मंगळूर थावन साट–आट मयलां पयस आसच्या उल्लाळ–सोमेश्वरांत आसच्या ह्या रिह्याब सेंटरांत आतां शेंभोरां वयर प्रायेसतां/पिडेसतां वसती करून आसात आनी तांची चाक्री करून आसा हो तर्नाटो आनी ताचें कुटम. आनी ह्या शेंभोर प्रायेसतां पयकिंत एकली जावनासा कोंकणिची धीर स्त्री, कोंकणी वावर अपलें हक्क म्हळ्ळे चिंत्पान पर्गांव जांव गांव, वोत जांव सावळी, पावस जांव गीम एकाचीय पर्वा करिनासताना वावर केल्ल्या ग्लेडीस रेगोन सद्याक वसती कर्चें घर हें 'रिह्याब सेंटर' जावनासा.

पाटल्या पांच–स वरसां थावन तिका सराग रितीन मेळून आयलां, आनी सभार पावटीं तिचेलागीं हांवें विचारल्लें आसा; "ग्लेडीस बाय, तुका कसलीय दुडवाची गर्ज पुणी आसा तर म्हेजेलागीं सांगुंक दाक्षेनाका". अशें म्हणून हांव कांय दुडवाचें झड लावन जियेंवचो न्हय, पूण कांय बरयामनाचे थोडे मनीस म्हज्या सळावळेर आसात, कोंकणी मोगी, कोंकणी पाटिंबो दितले, आनी असल्या बरया इराद्याक खंडीत फूल या फुलाची पाकळी तरयी ते दितले म्हळ्ळ्या भर्वश्यान हांवें हें विचारलें. जशें पयणारी.कोम सुर्वात करताना जेवणाक–व्हख्ताक सयत गत नासताना व्हळवळच्या रोनालड पिरेरा आंजेलोराच्या मजतेक कशें सभार कोंकणी लोकांनी मजत केल्लेपरीं. पूण केदनांय स्वाभिमानी जावनासच्या ग्लेडीस बायेची जवाब इतलीच; "नाकाबा, म्हाका दुडवाची कसलीच गर्ज ना, म्हजी जतनेची विलेवारी सर्व एकलो मान कोंकणी मनीस करून आसा".

थोड्या मयन्यादीं ग्लेडीस बायेक भेटुंक गेल्लेवेळार तिका उगडासाची सकत उणी जाल्लेविशीं आयकून बेजार पावलों. थोडो वेळ तिचेसवें खर्चिताना सभार मतिच्या पिडेचीं ल्हान भुर्गीं परत परत येवन ह्या पश्चीम रिह्याब सेंटराच्या ब्रदराक खावंक दी म्हणून धोसतालीं आनी तो बावडो, अपल्या मेजाच्या ड्रावरांतल्यो बिसकित्यो तांकां दिवून समधान करून तांकां धाडतालो. अशें ग्लेडीस बायेलागीं हांवें परत तेंच सवाल केलें; "ग्लेडीस बाये, तुका कितेंय गर्ज आसागी? दुडू वा कितेंय जाय तर म्हाका सांगुंक दाक्षेनाका". तिणे परत तीच जवाब दिली अनी मुखारून सांगालागली; "तुका दीजयच म्हण आसा तर मयन्याक कांय शेंभोर रुपय दी, तितलेच म्हाका पुरो". हांवयी एक घडी चिंतच्यार पडलों, आयच्या काळार फकत शेंभोर रुपय कोण विचारता? देकून आतुरायेन तिका पाटीं सवाल केलें; "फकत शेंभोर रुपय?"

"व्हय, तो ब्रदर पळे, त्या भुर्ग्यांक बिक्सूट दिता तशें हे शेंभोर रुपय आसल्यार हांवयी दितीं कोण्णा म्हणून विचारले".

हें जावनासा एका असली कलाकाराचें जिवीत. केदनांय हेरांक दिंवचेंच हांचें चिंतप, स्वता वोतांत कर्पोन/लासून तरयी हेरांक सावळीच दिंवचें चिंतप.

पयणारी.कोम आतां पांचव्या वर्सुगेच्या तयारायेन आसा. साहित्याध्वारीं समाजसेवा, हें चिंतप दायज.कोम जांव व पयणारी.कोमच्या सुर्वातेरच आसलें अनी आतांय ल्हान म ार आसा. एक वरस भर्तच आमची पाट थापडचो होर्भोस म्हाका तरयी ना. बगर आमी पाटल्या वरसांनी कितलेपावटीं सलवल्यांव, कितलेपावटीं पडल्यांव, कितले पावटीं शिकल्यांव आनी कितलें बरें काम करुंक सक्केल्यांव म्हळ्ळ्या चिंत्पातेवशीन आसा. म्हजी धांवणी हेरांसवें केदिंच न्हय, म्हजी धावणी म्हज्याच ’काल’सवें. म्हजो ’आज’ म्हज्या ’काल’च्याकी बरो जायजय, आनी म्हजें ’फालें’ म्हज्या ’आज’च्याकी बरें जायजय. अनी तें ’बरें’ म्हळ्ळें माप, हेरां कितलेश्यांक उपकाराक पडता ताचेर होंद्दोन आसुंक जाय शिवय म्हज्या दवलत/मिंजासकेक भिल्कूल न्हय – हें म्हज्या कोशेडदाचें सत.

आतां एक नवो संसार असो उदेता: मा।चेतन कापुचीन एक अपुर्भायेचो उलवपी, वयचारीक संपादक आनी मायामोगाळ कोंकणी बरवपी म्हणून सभार जाणांत पूण म्हाका तो पयलो एक काण्येगार जावन व्हळकिचो. एकाच प्रायेचे तरयी आमची वळोक जाल्लीच साहित्याध्वारीं. जेदनां तो रोमांत शिकप जोडून आसताना हांव कुवेयटांत काम करून आसलों आनी दायज.कोमचें संपादकपण चलवन आसलों. इतलो अपुर्भायेचो काणियेगार तरयी, अजून हाच्या मटव्या काणियांचो जमो कोंकणेंत कोणेंय कित्याक काडुंक ना म्हळ्ळें चिंतप म्हज्या मतिंत कांय तेंपाथावन धोसून आसलें. आनी तवळ तवळ मुखामुखी मेळताना जांव फोनार उलयताना जांव हांवें ताका हेंच सामगून धोसचें आसलें. ’काळोकाक दुर्सनाका, बगर वात पेटय’ हें उतर म्हाकाच सभार पावटीं केलां देकून परत तें सवाल हांवें म्हाकाच करताना उदेल्लें चिंतप आतां हकीगतेंत बदलून आसा. हाच्या विंचणार पंचवीस मटव्या काणियांचो जमो ’एक नवो संसार’ वेगिंच पर्गटणेर येंवच्यार आसा. पूण मा।चेतन कापुचीन सयत एक कलाकार. समाजीक काळजी आसचो भोव संवेदनशील याजक. देकून ह्या बुकांच्या वीकऱ्याचो सर्व खर्च तो ग्लेडीस रेगोन वसती करून आसच्या ’पश्चीम रिह्याब’ सेंटराक दान दीवंक आशेता. एका बरवप्याच्या गर्जेक पांवचें अन्येका बरवप्याचें काम अशें तरयी मुखारून आसा. देकून बरया मनाच्या कोंकणी मोगिंक एक खाल्ती विनती; "तुमी ह्या बुकाच्या पर्गटणेक वा बुकांक मोलाक घेवन वा प्रतियांचेर प्रायोजकपण कश्र्यात तर, हें वोजें मातशें हळू जायत कोण्णा म्हळ्ळें चिंतप आमचें"

एक नवो संसार रुतां कर्चे दिशेन हें एक ल्हान मेट, तुमचो सहकार आशेतांव.

# झूज आनी संघर्श

१९९० इस्वेच्या अगोसत २ तारिकेर पयले पावटीं इराकान कुवेयटाचेर धाड घाल्ली, १९९१ इस्वेच्या फेबरेर २८ तारिकेर पऱ्यांत चलल्ल्या ह्या झुजांत जायतें लुक्साण भगल्ल्या सभार भारतीयांची काणी हांवें आयकल्ल्यो. २००१ इस्वेच्या अगोसत मयन्याच्या २९ तारिकेर हांव एम.एच.अलशाया म्हळ्ळ्या कंपणेंत ऐ.टी.प्रोजेकट म्यानेजर जावन कामाक म्हणून कुवेयट पावलों.

झूज एक राजकीय विकल्प आसुयेता पूण झुजांत कोणायचेंय बरें जाल्लें ना. भळवंत राश्ट्रांनी झुजाक हातेर करून असकत्यांचेर वेवेगळ्या शींतऱ्यांनी झूज मांडयलां. आनी २००१ इस्वेंत कुवेयट पावल्ल्या म्हाकाय असल्याच एका झुजाचो अणभव करुंक पडत म्हळ्ळें हांवें म्हज्या स्वपणांतयी चिंतुंक नासलें.

२००१ इस्वेच्या सप्तेंबर ११ तारिकेर अमेरिकाच्या दोड्या–भांदपांचेर जाल्ल्या हल्ल्याच्या रागान अमेरिका तशेंच संसाराचे चडताव राश्ट्र अज्यापान तशेंच रागान आसले. हेच वेळार इराकान कुवेयटाचेर दुस्रे पावटीं धाड घाल्ताना थंयचर काम करून आसल्ल्यांक ह्ये पावटीं गर्जेच्याकी चडीत कावजेणी भगुंक लागल्ली. आनी हाचें कारण; इराकान कुवेयटचेर केमिकल बांब घाल्ची भिरांत.

ह्येविशीं रेडियो, टिवी तशेंच दिसाळ्यांनी; कुवेयट टायम्स, अरेबियन टायम्स, तशेंच सर्व माध्यमांनी सर्कारान लोकाक वेवेगळे हिशारे तशेंच समजणी दीवंक धरलें.

चडताव कुवेयटिंनी आपल्या घरांनी ओक्सिजन मास्कां दाळ्ळीं आनी एर टायट कुडांची बंदोबसत केली. कंपेनिच्या दफ्तरांनी काम कर्तेल्यांक सयत वेवेगळीं एर–टैट कुडांची वेवसता केल्ली. आमच्या कंपणेंत सयत म्यानेजरांक एक कूड, तशेंच हेरांक एक कूड अशें सभार कुडांची बंदोबसत केल्ली. त्या कुडांनी टोर्च, वाती, रेडियो, आनी गर्जेच्यो वसतू; उदक, चाय–कोफी पियेंवची वेवसता.

प्रमूक जावन दोन रितिचीं सैरनां ते व्हाजयताले. पयलें सायरन आयकतच सर्वांनी त्या त्या वर्गाचीं कुडां नम्यारलेलेपरीं वचुंक आसलें. आनी दुस्रें सायरन येतासर कोणेंच त्या कुडाथावन भायर येवंक नातलें.

हऱ्येका दिसा कंपणेंत एकेकलो एकेक खबर हाडतालो. थोड्यांनी येदोळच आपापल्या देशाक पाटीं वेची तयाराय केल्ली. हांव कांय थोड्या वर्साच्या संघर्शांत कुवेयट पावल्लों. कुवेयटाक येताना म्हजेलागीं कांय थोडें रीण आसलें शिवाय बाकिचें कितेंच नातलें. आतां ह्या स्थितेंत पाटीं वेचें म्हज्यान साध्य नातलें देकून हांव कितेंय जांव पूण कुवेयटांतच रावतलों म्हळ्ळ्या हठान कुवेयटांत उरलों.

हांवें काम कर्न आसची सुवात शुवेक आनी हांवें रांवची सुवात साल्मिया. पूण भिरांत आसली. सकाळीं आफिसाक येताना जांव, सांजेर आफिसा थावन घरा वेताना कांव वाटेर कितेंय घडतकाय म्हळ्ळी कावजेणी धोसताली. पूण हेर उपाव नातलो. म्हजेपरिंच हेरांय भिरांतेन दीस काडतालीं.

पारोत कर्ची अमेरिकाची फवज/सोजेर रसत्यांनी पळेवंक मेळताली.

पयल्या झुजावेळार झुजाच्या निबान अमायकांचेर जाल्ल्या वेवेगळ्या जुलुमाविशीं आयकल्लें पूण ह्ये पावटीं तसली भिरांत नातली तरयी केमिकल एट्याकाची भिरांत मात्र धोसताली जाल्ल्यान घरांनी सयत बागलां, जनेलां एर-टायट करून घरांनी सयत ओक्सिजन मास्कां दवरुंक सुरू केलें.

थोड्याच दिसांनी अमेरिकाच्या रेडार चुकवन एक मिसायल येवन शुवेक पोर्टाचेर पडलेंच. कितेंगी तें दऱ्याचेर चड मापान पडलें जाल्ल्यान शुवेक पोर्टाच्या वणदेक मात्सो मार जालो सोडल्यार हेर कितेंच लुक्साण जालेंना.

इराकान कुवेयटाचेर झूज मांडलें पूण कुवेयटांत काम करून आसल्यांक जायतीं झुजां झुजुंक आसलीं.

झुजांविशीं बरपां

आधल्या वरसांत गोंयच्या एका राश्ट्रीय सेमिनारांत एका नाम्नेच्या साहितीक सांगलें; कोंकणिंत झुजाचीं बरपां नांत. जशें हेर देशाच्या साहित्यांत आसलेपरीं. हाचें कारणयी सोंपें; मनीस कोणयी झूज आशेना. कुवेयटाचेर इराकान घाल्ल्या धाडेविशीं कांय एडवीन जे. एफ. डी'सोजान थोडें बरयलां पूण एक बूक म्हज्या नद्रेन पडल्लो जावनासा इंगलिशांतलो. 'From coconut trees to oil wells', जो एका कोंकणी भावान बरयिल्लो. बाब एंटनी वेरोनिका फेर्नांडिसान बरयिल्लो.

हांव बाब एंटनी वेरोनिका फेर्नांडिसाक लागशिल्यान वळकतां, कुवेयटांत आमी कोंकणी वावर करतासताना एकामेका सांगात दिला. ताचेथावन थोडीं घडितां आयकून म्हज्या आंगाची लोंव उभी जाल्ली.

एक: एका दिसा तो हर्शेंचेपरीं सकाळीं आफिसाक वेच्या वाटेर ताका मुकल्यान इराकी सोजेर बंदूक जोकून येंवचे दिसले, आनी सोजेरांनी हाका राववन हाची जप्ती करुंक धरताना हाच्या परसांत बायलेचो फोटो आसलो देकून सोजेरांनी विचारलें; "ही बायल कोण?".

बाब वेरोनिकान जाप दिली "ही म्हजी बायल"

तवळ सोजेरांनी जाप दीवन म्हळें "तुका जीव उरुंक आशा आसा तर वचून तिका आमचेलागीं आपवन हाड"

तेदनां वेरोनिका बाबाब जाप दिवून म्हळें "ती इंडियांत आसा, कुवेयटांत न्हय"

दोन: कुवेयट इगर्जेंत कोयेरांत कीबोर्ड खेळच्या चेडवाची आवय एक पावटीं बाब वेरोनिकाक फोनार रडून आपयलागली. तिच्या घरा सोजेर रीगल्ले आनी ते तिका तशेंच हेरां सर्वांक घरा भायर वचुंक फर्मायताले शिवाय त्या एकल्या चेडवाक सोडन. आनी असल्या भिरांकूळ परिस्थितेक पळेल्ल्या, भगल्ल्या आनी असल्या जायत्या घडितांत जिवें जिवें पळेल्ल्या बाब वेरोनिकाचो हो बूक फकत झुजाचीं बरपां मात्र न्हय, कुवेयटांत इंडियाच्या, प्रत्येक जावन कोंकणी/गोंयच्या साद्या लोकांच्या संघर्शांची अपुर्भायेन पिंत्रावणी केल्ली दिसून येता.

देकून म्हाका इतलेंच भगलें, हो बूक कोंकणिंत पर्गटुंकच जाय.

माडा रूक म्हळ्यार सांकेतीक रितीन कोंकणी मुळाचो गांव. तेला खणी म्हळ्यार गलफ. ह्या बुकांतलीं सभार बरपां खरिंच जावन भिरांकूळ वासतवाक पिंत्रायताना पर्गांवांत घोळुंक गेल्ल्यांनी केल्ल्या साक्रिफिसाची रुज्वात दिता म्हणच्यांत दुस्रें उतर ना.?

# कोंकणी नाटक – एक विचार

१८९० इस्वेंत गोंयकार भाव लुकाजिन्हो रिबेरियो (बार्देसांतल्या अशगांवचो) बोंबोय पावताना २७ वरसांचो तर्नाटो. इटालियन ओपेरा कंपनेंत नवकरी करुंक म्हण तो बोंबोय पावल्लो.

१८९२ इस्वेच्या एपरील १७ तारिकेर जोआओ अगोसतिनो फेर्नांडीस आनी हेर तेगां इसटांसवें, न्यू आलफ्रेड थियेटरांत रिबेरियोन पयलेपावटीं रंग–मांचियेर प्रदर्शीत केलो. आनी लोकान इतलोय पसंद केलोकी १८९४ इस्वेच्या जनेर १ तारिकेर गोंयच्या रंगमांचियेर खेळयलो. इटालियन ओपेराक 'इतालियन भुरगो' म्हळ्ळो तियात्र जावन परिवतन केल्लोच तियात्र कोंकणिंतलो पयलो तियात्र.

मडगांवच्या जोआओ अगोसतिनो फेर्नांडिसान त्ये उपरांत सभार तियात्र बरयले तशेच खेळवन दाकयले तशेंच तियात्राचे बूक सयत छापले. अशें हाका 'तियातरांचो बापूय' म्हणून कोंकणी लोक व्हळकता.

कर्नाटक मुळाचो कोंकणी लोक बोंबोंयत जियेतालो तरयी, कोंकणी नाटकांची सुर्वात जाल्लेविशीं चडतीक वाचुंक मेळाना. पूण कोंकणी नाटकांक नवो जीव दिल्लो नाटकिसत कवी बाब चा.फ्रा.दे'कोसता. तो बोंबोंयत काम करून आसलेवेळार, मराठी, अनी हेर नाटक पळेवन, समीक्षा करून, बरयिल्ले कोंकणी नाटक खरेच जावन कोंकणी भासेची सोभाय, तशेंच नवेंसांवाक लागून आज पासून जायतो लोक मांदता.

बोंबोय नाटक शेतांत चा.फ्रा.दे'कोसता उपरांत जायत्यांनी खूब रितिचो वावर केला. आसटीन डी'सोजा प्रभुच्या मुखेलपणाखाल १९७२ इस्वेंत मंगळुरांत सुरू जाल्लें कला–संपत संस्थो. ह्या कला–संपत संस्थ्यान वर्सान वरस कोंकणी नाटकांचो स्पर्धो मांडून हाडून १९७८ थावन १९९४ पऱ्यांत दियेसिजे म ार वर्साळे कोंकणी नाटक स्पर्दे मांडून हाडले आनी कोंकणिचे भोव उत्तीम नाटक हेच वेळार प्रदर्शीत जाल्ले.

नाटक म्हळ्यार एक कला, जशें साहित्य एक कल. हांगासर फकत हव्यास एक मात्र पावाना, कठीण मिनत, वाचप, अध्ययन तशेंच दिश्टावो गर्जेचो. एका तेंपादीं बोंबोंयत ह्ऱ्येका हफ्त्यांत वेवगळ्या सालांनी नाटक खेळयताले आनी ते नाटक पळेवंक येंवचो लोकयी खूब मापान येतलो. तेदना टिवी/मोबायलां नातलीं म्हणून सलीसायेन सांग्येत पूण त्ये वेळार कोंकणी पतरां, कोंकणी बूक वाचतलो लोक तशेंच नाटक सयत समाजीक स्पंदन कर्चे नाटक आसल्ले म्हळ्ळें सत नेगारुंक जायना.

पूण काळ मुकार गेल्लेपरिंच जसें कन्नडांत एक सांगणी आसा; 'बरू बरुत्ता रायर कुदुरे कत्तेयायितू' (मुकार अयिल्लेपरिंच रायाचो घोडो गाडंव जालो) हव्यासी वर्गान ह्या कलेचेर धाड घाली. नाटक जांव, साहित्य जांव, ताळ–मूळ नेणासले सयत दुडवाच्या वा तांचेतसल्या मत–गत नातलेल्यांक एकटांवन ह्या कलेचोच अक्मान करुंक लागले. वेदिचेर चडून ताळो पिंजून बोबाटचेंच संगीत म्हणाले, पोजड्या/कीळ उतरांनी उलंवचेंच हास्य म्हणाले. आनी ताका व्हय म्हणून सांगचेय मुकार आयले म्हणताना जो लोक कला, साहित्य समजल्ले दिसानदीस पयस गेले. आनी कलेची अभिरूच असच्यांनी हेर भासेंत ती कला सोधुंक धरली. अशें हळतार असकत जाल्ल्या कोंकणी नाटक–साहित्याक लाचार करून सोडलें. आनी आज बोंबोय कोंकणिचें पेंकड मोडलां तर असल्याच हव्यासी वर्गाच्या बिंग्री चिंत्पान म्हळ्ळेंय अपूट सत.

एका तेंपार बोंबोंयत कोंकणिचीं फळां उदेतालीं, त्या रुकाचीं पाळां–मुळां खंय थावनयी येंव; जांव गोंय, जांव कार्वार, जांव मंगळूर, जांव हेर प्रांत्य. कोंकणी पत्रिकुध्यमाची सुर्वात

जाल्ली पुणेंत, कोंकणी चळवळेची बुन्याद सयत जाल्ली बोंबोंयत, कोंकणी नाटक, तियात्र, संगीत अशें चडताव शेतांनी कोंकणी फुलोन आयिल्ल्या बोंबोंयत आयची परिगत बरी ना. नांवातेकीद कोंकणी संघटनां आसात पूण हांतल्या चडताव हुद्देदारांक कोंकणी उलवंक/वाचुंक येना. तांचीं भुर्गीं इंगलीश माध्यांनी शिक्तात. घरांत कोंकणिचो पर्मळच ना. हांकां वर्साक एक पावटीं मोंती फेस्तावेळार लोकाक रास कर्चें आनी जेवण वाडचेंच कोंकणी सेवा जाल्या. आनी थोडो पोटारी लोकयी हीच कोंकणी सेवा म्हणून लेक्ता. कोंकणी लोकाक खरोच स्वाभिमान आसतो तर कोंकणी पतरां बंध पडतिंनांत, कोंकणी संगीत कोवळ्यो, बूक काडतेले रिणांत बुडतेनांत. भोव व्हड दुरंत म्हळ्यार चा.फ्रा.देकोसतातसल्या नाटकिसताचे नाटक आमकां समजनांत म्हळ्ळे हडबे आयच्या काळारयी आसात म्हणताना गोड्यासमोर गाडी आसची कुरू हेर खंची दिव्येता?

मंगळुरांत चा. फ्रा. दे’कोसता, विलफी रेबिंबस, एडी सिकेर, मीकम्याक्स आनी थोड्या हेरांनी कोंकणी नाटक शेताक खूब महत्वाची देणगी दिल्या. कर्नाटकांत, प्रत्येक जावन होन्नावरांत, मंगळुरांत आयलेवार ह्या दिशेन नव्यो आंकऱ्यो फुलून येतात तें कोंकणिच्या म ार भर्वस्याचेंच. होन्नावरांत स्याम्सन लोपेज आनी सांगात्यांनी कोंकणी तियातरांक मुकार हाडचें मिसांव करून आसात. कांय शेंबोरांलागीं प्रदर्शनां हाणीं दिल्यांत. मंगळुरांत पातल्या थोड्या वरसांनी कोंकणी नाटकांनी बरे प्रयोग जाल्यात, जावनच आसात. मा।आलवीन सेरावो आनी नीनासमाचो क्रिसटोफर हांच्या मुखेलपणाखाल वेवेगळे प्रयोग जावन आसात. आनी हे प्रयोग फकत मंगळुरांत मात्र न्हय, मंगळुराभायर सयत जावंक लागल्यात. पर्गांवांनी, मुंबंयत सयत असले प्रयोग लोकाक पळेवंक मेळतात म्हळ्ळें कोंकणी कलामोगिंक खरेंच दाधोसकायेचें.

जोन पेर्मन्नूर, नेल्लू पेर्मन्नूर, जो.सी.सिद्दकट्टे, अरूणराज आनी हेर थोड्यांनी कोंकणी रंग–मांचियेर नवे प्रयोग केल्यात. जेसन सिकवेरा आनी तालेंतवंत यूव पंगड कोंकणी संगीताक मुकार हाडचेदिशेन वावर करून आसचें दाधोसकायेचें.

नाटकांनी नवे प्रयोग जावन आसात म्हणतच ते सगळे प्रयोग कोंकणी समाजेक नवी दिशा दायतात म्हळ्ळें हांव सांगिना. तें वेळ सांगतलो. पूण ह्या प्रयोगांक कोंकणी समाजेन पाटिंबो दिंवचो सहज, आनी भोव गर्जेचो.

असल्या एका प्रयोगाक; ’नागडीं’ म्हळ्ळ्या नाटकाचेर सेवक आनी उज्वाड पत्राचो आधलो संपादक, वयचारीक समीक्षक मा।चेतन लोबो कितें म्हणता म्हळ्ळें आमीं हांगासर दिलां.

# मायानगरी, जोपडप ी आनी वयरस

अखख्या संसारांत कांय असले मारेकार दीस येंवचे हेच पयले पावटीं. पिडा–शिडा संसाराक नवी न्हय, ह्या आदीं सयत जायत्यो पिडा आयल्यात. आनी ती पिडा संसारभर विसतारून हजारांनी लोक मेला. पूण तेदनांचो काळ वेगळो आसलो आनी आतांचो काळ वेगळो. संसार आज प्रगतेच्या पावलांनी इतलो मुकार पावला तरयी ह्या एका मारेकार पिडेन मनशापणाक मात्र न्हय मनशाच्या मनांतल्या चिंत्पाक हालवन धरलां. ह्या संसारांत खंयचोय देश भळिश्ट ना, संसारांत खंचोय धर्म भळिश्ट ना, संसारांत खंचोय देव म्हळ्ळो ना. कितेंय आसा तर तें मनशापण आनी मनशा तत्वां. आनी कांय तेंपाथावन होच मनीस अपल्या स्वार्थाक लागून वेवेगळे देव, धर्म, तत्वां घडून मनशापणाकच च्युरान च्युरो करून जियेवंक लागल्ल्या वेळार संसारांत खंच्याय देवाक म्हणून भांदल्ल्या खंच्याय भांदपांत जियेंवच्या खंच्याय देवालागीं जापी नांत म्हळ्ळें हकीगत.

चरित्रा सांग्ता; जेदनांय, संसारांत अन्वारां आयलीं तर, पयलो आनी भोव व्हड मार खांवचो लोकच दुबळो आनी असकत लोक. थोड्या मयन्यादीं संसारांचीं हेर राश्ट्रां ह्या मारेकार पिडेंत व्हळवळून आसलेवेळार आमचो देश, आमी अमचो लोक निदलेल्या रेड्याच्या पाटिचेर पडल्ल्या मारापरीं जियेतालो. पयलो मार पडताना कसलेंच गुमान नातलें,

दुस्रो मार पडताना कसलोगी आवाज आयकल्लो जोप जालो, तिस्रो मार पडतना तो आवाज लागशिल्यान जाल्लो जोप जालो. चोवतो मार पडताना 'कांय तो आवाज अपल्या आंगाचेर जालाकाय?' म्हळ्ळें चिंतप आनी पांचवो मार पडतानांच नख्खें जालें 'ओह तो मार अपल्याच पाटिचे पडचो' आनी आमी सयत ह्या काणियेथावन वेगळीं न्हय. ह्या पिडेचेर खेळखुळां कर्न समाजीक जाळिजाग्यांनी तांक्ता तितलीं फोकाणां केलीं. आज देशाची परिगत कशी आसा? पयलें एकेक अंको उपरांत दोडे अंके बदलून शेंभोरांनी जाले आतां दिसाचें हजारांनी नवे पिडेसत उदेतात आनी दिसाचीं दोड्या अंक्यांनी मोडीं पडोन आसात. तांतुंयी देशांत चड मापान ही भिरांतेचो काळ उदेला मायानगरी मुंबंयक.

१९८४ इस्वेंत पयलेपावटीं ह्या मायानगरीक पांय तेंकचावेळार हांवें पयलें पार्किल्ली जावनासा 'घाण' आनी म्हेळेंपण. तरयी स्वपणांच्या ह्या श्हेराचें नांव आसलें 'बोंबे'. घाटकोपरांतल्या असलफांतल्या चालिंत थोडे दीस काडतच उपरांत बोरिवलिंतल्या गोकूलधाम सोसायटिचो लिफ्टमेन जावन काम कर्न आसच्या सेजारी रय्य द ु सवें टेरेसार दीस काडताना, ताच्याच उतरांक पाळो दिवन मरीन लायन्सांतल्या 'जोली एलेवेटर्स' कंपणेंत असिसटेंट मेक्यानीक जावन काम दीवन कांय थोड्याच मयन्यांनी देशाच्या तवळच्या प्रधानी इंदिरा गांधिची हत्या जाल्ली आनी घड्डोन बोंबोय्ंयत दोंबी. सगळ्यान बंध, गाडियो हुल्पोन वेच्यो, बांब ब्लासट, रसत्यार मोडीं पडल्लीं, आनी तांचें रगत दाटेल्लें, जोपडीं लासचीं पयलेपावटीं पळेल्लेंच तेदनां. इतलेंच न्हय, सीख धर्मांच्यांक धरून धरून मार्चे दीस सयत तेदनां पळेले. बस्सां/रयलां बंध. थोड्याच दिसांनी कामाक वेचें अनिवाऱ्य. तेदनांच म्हाका बोसान इंतरव्यू वेळार दिल्लें लिसांव यादिंत आयिल्लें. ताणें च्यार सब्धांचो तफावत म्हाका विचारल्लो तशेंच उपरांत म्हाका समजायिल्लें.

Cost (खर्च): जें अमी दीवंक आसचें, Price (दिंवचें मोल): जें आमी दीवंक आसचें, Value (घेतल्लें मोल): जें अमी घेवंक आसचें, Worth (लायेक): जें कितलें लायेक आसचें. बोसान म्हाका दिसाक सात रुप्यांचो सांभाळ म्हण निघंट कर्तच, ह्या सात रुपयांक लागून हांवें सगळो दीस मिनत कर्ची कित्याक गर्ज म्हणून म्हाका समजावंक ताचें प्रयत्न तें. आफिसाच्या लागसारच सर्कारान दुभळ्यांक उण्यार खाण लाभाशें करुंक म्हणून 'जुणका भाखर' क्यांटीन आसलें. फकत एका रुप्यांक सुकी भाक्री तशेंच चण्याचो सार एक तर्नी मिरसांगेसवें खावंक. त्या दिसाच्या सात रुप्यांनी सयत ह्या स्वपणांच्या शेरांत जियेव्येत म्हळ्ळो संधेश दीवंक तो पेचाडतालो. त्या खातीर मयन्याचो रेलवेचो पास आसलो जाल्ल्यान टिकेटिचो खर्च ना – तो म्हाका समजायतालो. गोकूलधाम सोसायटिथावन बोरिवली स्टेशनाक अडेज फरलांगाची वाट आसा. तशेंच मरीन लायन्स स्टेशनाथावन दफ्तराक अर्धें मयलाची वाट. हांगासर ह्या काणियेंचो प्रमूक विशय म्हळ्यार, सर्कारी

क्यांटिनाक अपल्या सुरातेक गळसून कसो मनीस एकामेका गळसिता (Exploit करता) म्हणचो. एका दिसा मयन्याक हजारांनी पाग जोडुंक हांवें हे मांदून घेवंक आसलें. आनी भुकेसवें पयली भेट जाल्ली हेच वेळार.

जोपडीं आमकां नवीं न्हय, आमच्य गांवांनी सयत आमी तीं पळेल्यांत. जेदनां रसत्याचें काम चालू जाताना, तें काम करुंक म्हणून आयिल्ले; बीदर, गुलबर्गा, अनी हेर जिल्ल्यांतलो लोक ताणीं काम करून आसचेलागिंच रसत्यादेगेन च्यार गुंटे पुरून, त्या गुंट्यांचेर टर्पल वा पर्द्यांनी पाकें भांदून, तांचेसवं हाडल्ल्यो पोटल्यो दवर्न दीस सारतालो; बायलां, भुर्गीं, तशेंच दादले सगळे चडताव जावन एक ना एक काम कर्न आसताले. हीं थीर जोपडीं न्हय. थोडे दीस संप्तच तो लोक अपपलीं जोळगीं/पोटल्यो घेवन अन्येका सुवातेर वसती करतालो. पूण जोपडप ी म्हळ्यार जोपडीं न्हय. चडुणें लांब काळ पऱ्यांत लोक आपापल्या कुटमासवें वसती करता. ल्हाल्हान कुडांच्यो, अशीर रसत्याच्यो चाली त्यो. कुडांनी खाकूस नांत. चालिच्या कोनश्यांनी एक–दोन खाकूस आसतात आनी कांय दोनशीं–तिनशीं कुडांक एक–दोन म्हण आसच्या त्या खाकुसाकयी एका सकाळीं लायन आसता. सकाळीं उटून डब्बो घेवन त्या लायनिचेर उभो रावुंक आसा आनी अपली सर्त येताना तो खाकूस वापरुंक आसा. पावसांत हांगाची परिगत विपरईत; पावसाचें म्हेळें उदक तशेंच गटारआंनी भरल्लें उदक ह्या चालिंनी व्हाळता, देकून त्या उदकावयल्यान चलून वचुंक फुटकर नळे, टैल्स वा फातर दवरताले आनी खाक्साक वेचो लोक चन्नायेन त्या फातरांचेर पांय दवरून चल्तालो. थोडीं भुर्गीं येवन त्या फातरांचेर बोसोन हागून वेतालीं, कोणायकी उलंवचेपरीं ना. तितलेंच न्हय, थोडेपावटीं हेर थोड्यांनी फात्राचेर पांय दवरताना फात्राच्या सकला आसचें म्हेळें चिकलाचें उदक 'पचक' कर्न उसळतालें. म्हेळें आनी आंग हिंवळांवची घाण सदांची. पूण सगळीं हेच जिण्येक सवय करून जियेंवचें अनिवारय. हांगासर गरीबी, पिडा, भूक सदांची. पूण ह्या सर्वां मधें जिण्ये संघर्श आसा, अपणान मुकार येजय, आमच्या भुर्ग्यांक मुकार हाडिजय, चडीत शिकयजय म्हळ्ळीं स्वपणां आसात. देकून आज सयत हर रितिच्या शोषणाक पयली शिकारी जांवचो लोक होच. जांव तो दंगो, जांव तो जाती–धर्माच्या नांवान वा हेर कसल्याय निबान.

थोड्या जाग्यांनी चालिची लांबाय उभारून, त्या १० x १० वा १५ x १५ फूट कुडांत सयत म्हाळय. चड करून पावसांत गटाराचें वा पावसाचें उदक चालिभितर येतेल्यांनी चड करून असल्या वेवसतेक कर्चें अनिवाऱ्य. चड करून लोक, असल्या माळयेंनी सयत भाड्याक दिता. असल्या माळयेंत दीस काडल्लो उडास अजून आसा.

मुंबय श्हेर अवतारांचें श्हेर. चरित्रेचीं पानां पळेल्यार सयत गमता ह्या श्हेरांत वेळाकाळाक तेकीद नमून्यावार अवतार जातेच आयल्यात.

नांवाचो आवतारः

१६व्या शेकड्यांत 'मोंबायन (१५२५)', 'बोंबे (१५३८)', 'बोंबायन (१५५२)', 'बोंबायम (१५५२)', 'मोनबयम (१५५४)', 'मोंबायम (१५६३)', 'मोंबायम (१६४४)', 'बंबाये (१६६६)', 'बोंबाईम (१९६६'), 'बोंबेये (१६७६)', 'बून बे (१६९०)' आनी 'बोन बहिया'. कोली आनी आग्री कुळियेचे मराठी मोगोर मासळी पागून जियेवन आसल्ल्या ह्या गांवची कुलदेवता 'मुंबादेवी' म्हणून मराठी भाशीक कोली समुदाय मांदतालो. पोर्चुगीस भाशेंत 'बोम बे' म्हळ्यार बरी कुद्रो म्हळ्ळो अर्थ जाता. १९९५ इस्वेंत जेदनां शीवसेनाचें राज सुरू जालें, तेदनां बोंबे आसलें नांव बदलून मुंबय करताना हांव हेच मुंबंयत आसलों.

बोंबे व मुंबय म्हळ्यार फकत एक कुद्रो (Island) न्हय, बगार, सात कुद्रे;

बोंबेचें ऐसले (Isle of Bombay) हो कुद्रो मलबार हील थावन डोंग्री पऱ्यांत आसा.
कोलाबा (Colaba).
ल्हान कोलाबा (Old Woman's Island (Little Colaba).
माहीम (Mahim).
मजगांव (Mazagaon).
परेल (Parel).
वरली (Worli).

पूण मुंबय म्हळ्यार फकत कुद्रो न्हय, मोळबाक तेंकचीं भांदपांय न्हय. मुंबंयत आज पासून लागीं लागीं अर्धी मुंबयभर जोपडप ी आसा. इंगलिशांत दन्व् सब्धाचो अर्थ 'गलीज जागो', हिंदी भाशेंत 'गंदी बसती', मराठिंत 'जोपडप ी'. मायानगरी मुंबय्ंयत ४२% जागो ह्याच जोपडप ेंत जियेता (लगबग ९० लाक लोक). भारतांत १०४ लाक लोक अजून जोपडप ेंनी जियेता (म्हळ्यार लगबग १०% लोक).

संसारांत तिस्री व्हड जोपडप ी (धारावी) मुंबंयत आसा. हीं थोडीं संसारांतलीं व्हड जोपडप ी;

१. ओरंगी (Orangi, Karachi. Pakistan)

२. नेजा (Neza; Mexico)
३. धारावी (Dharavi, India)
४. खिबेरा (Kibera, Nairobi, Kenya)
५. खायेलिसशा (Khayelitsha, Cape Town (South Africa)

धारावी जोपडप`क १८८२ इस्वेंत ब्रिटिशांनी घडली. सद्याक धारावित ७००,००० थावन १,०००,००० लोक जियेता. कांय पांच हजार रितिचीं उध्यमां चलून आसात आनी वर्साचो वयवाट ५,००० कोरोड थावन १०,००० कोरोड रुप्यांचो म्हळ्यार अज्याप ना.

जोपडप ी कित्याक?

संसारांत जियेतलो मनीस एकामेका वेवेगळे प्रकार करून जियेता. हे प्रकार धर्माचे आसुयेता, जातिचे आसुयेता, भासेचे आसुयेता वा बोलियेचे. एकाच भासेचे, बोलिचे सयत एका मनान जियेवंक सकानांत, बगार कुळियेचे वर्ग करतात; ब्राह्मण, शूद्र, वैश्य, क्षत्रीय असले वर्ग. शिकपी वर्ग हे सब्ध व्हापारिनांत तरयी, तांचीं कर्मां तिंच; उण्यार उणे दोन वर्गाचे तरयी खंडीत आसतात; पयलो: काम करयतलो, दुस्रो: काम कर्तलो. काम करयतलो दुडवाचो मनीस, तो संसारांतलें कितेंय मोलावंक सक्ता म्हळ्ळ्या चिंत्पाचो. काम कर्तलो अपली जिणिंच संघर्शाक लागून आसची म्हळ्ळे चिंत्पान काम दितेल्याच्या हाताची बावली जशी रंगमांचियेवयली कटपुतळी कशी जियेता. देकून चडताव देशांनी, प्रत्येक जावन आमच्या भारतांत खंच्याय शेरांत जितलीं ऊंच भांदपां आसातकी, तितलिंच विसतार जोपडीं अनी जोपडप ी सयत आसतात. एकामेकाशिवाय दोनयी वर्गाचे अधुरे. उंचल्या भांदपांनी जियेतेल्यांचीं कामां; जांव तांच्यो गाडियो धुवंक, गाडियो धांवडावंक, तांचीं घरां नितळ करुंक, तांचीं वसतरां धुवंक, तांच्या वसतरांक लांड्री करुंक, तांकां फूल–फळां, वोर्वी हाडन दीवंक सर्वाक असलोच काम कर्चो वर्ग जाय. आनी काम दितले जितले मापान असल्या काम कर्तेल्यांचें रगत पियेतात तितले दाटे–मोटे जातात, जशें गायेच्या आंगाचें रगत चिंवच्या किरांटेपरीं.

१० x १० व १५ स १५ फुटिच्या ल्हान ल्हान कुडांनी चडताव जियेवन, थंयच काम करून जियेंवचो लोक चड करून मुंबय भायलो. जावंक पुरो तमीळनाडू, आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, केरळा, बिहार, युपी, गुजराथ, कल्कत्ता, पंजाब अशें देशाच्या वेवेगळ्या राज्यांतलो लोक दीस्पडतो ग्रास सोधून आयिल्लो हांगासर वेवेगळ्या रितिचें उदपादनाचें काम करता. चामडें, प्लासटीक, मोडक्यो, वसतरां, खेळावसतू हें प्रमूक.

दीस्पडतो ग्रास जोडुंक देशाच्या वेवेगळ्या कोनश्याथावन आयिल्लो लोक विवीध रितिचो संघर्श करून जियेता. सगळे फ्ल्याटांनी जियेनांत, सगळे जोपडप ेंनी जियेनांत. पूण जो लोक जोपडप ेंनी जियेता तांचेलागीं आतां समाजीक अंतर (Social distancing) म्हळ्ळो विकल्प ना. जोपडप ी सोड्यां, मुंबंयत अजून हजारांनी कुटमां रसत्याच्या सांकवा पंदा टेंटांनी जियेता. हीं जोपडीं न्हय, सगळो दीस तीं ट्रेयनांनी, वा रसत्यांनी खचऱ्याची बेगां विकून, वा पेन्नां, पिन्नां, बप्पिनां, तुवाले, पर्स आनी खेळावसतू विकून दीस काडता, रातचें येवन रसत्याच्या देगेल्या फूटपातिचेर निदता. आनी ह्या लोकडावनांत व्हडलो मार खेल्लोय ताणिंच. चडताव लोक युपी/बिहारचो. घरां आसचीं आपल्या घरांनी बसलीं पूण हांचेलागीं घरां नांत तर हाणीं कंय बोसचें? रेलवे प्ल्याटफोर्मांनी थोडो लोक चोरियेंत दीस काडून आसा.

थाणे स्टेशनाक दिसाचें १००० ट्रेयनां येतात आनी लगबग ६.५४ लाक लोक पाशार जाता. आनी त्या स्टेशनाच्या प्ल्याटपोर्मां आज रितीं. विटिंत (छत्रपती शिवाजी टर्मिनस) लगबग ६.३६ लाक लोक पाशार जाता. आनी त्या स्टेशनाच्या फ्लेटफोर्मां आज रितीं. अंधेरी (६.०४ लाक लोक पाशार जाता), दादर (५.७७ लाक लोक पाशार जाता), चर्चगेट (५.०५ लाक लोक पाशार जाता), बेंड्रा (४.९१ लाक लोक पाशार जाता), विवार (३.९५ लाक लोक पाशार जाता), कुरला (३.८१ लाक लोक पाशार जाता), कल्याण (३.६० लाक लोक पाशार जाता) पूण आज ह्या स्टेशानां रितीं.

मुंबयचें लायफलायन बंध. बिएसटी तशेंच हेर बस्सां बंध. हें शेराभितरली अवसता तर, पर्गांवचो लोक पाटीं गेल्लेपरीं ना म्हणतच जो लोक जोपडप ेंनी जियेता, तसल्यांचे मुकले दीस भोव मारेकार जावन उदेंवच्यांत सवाल ना. फूटपातिंनी वसतरां, मोचे, फळां, खाणां, व्हाणो, वसतू विकून दीस काडचो हजारांनी लोक आज काम नासताना, रावुंक सुवात नासताना, खावंक, न्हावंक नासताना कंगाल जाला. दुडवादीक लोक बंगल्यांनी जियेता. माध्यम वर्गाचो लोक फ्लेटांनी जियेताना ह्या पिडेन पयलें शिकार करुंक मेळचो लोकच गरीब. धारावी तसल्या जोपडप ित वयरस रिगलां म्हळ्यार खरेंच जावन मारेकार दीस फुडें येंवचें नख्खें (जर्तर जोक्तीं क्रमां घेतलिंनांत तर). लागशिल्यान सायन कोलिवाडा, कुरला, चेंबूर, मांकूर्ड, गोवंडी, भिवंडी तशेंच वडाला, नागपाडा, अग्रिपाडा..... मुंबयच्या वेवेगळ्या प्रांत्यांनी आसच्या सर्व जोपडप ेंक ही पिडा विसतारुंक चड वेळ ना.

ह्या मारेकार पिडेन खरेंच मनशाकुळाक जागयलां. मनशाक परत एक पावटीं अपणान सांडल्ल्या काळाक परत याद करिशें केलां. पूण हांतलीं लिसांवां मनीस कितलो शिकला वा शिक्ता म्हळ्ळें कोणयी सांगुंक सक्ता तर तो जावनासा 'वेळ'.

# मनशापणाक सकला देंवयिल्लें लोकडावन

सकाळिंची नीद सुटच्यादिंच सुकण्यांचो आवाज मतीक उल्लास दीवंक लागतानांच एंबुलेन्साचो आवाज जागो करताना मनांत एक प्रश्न उदेतालें; आज कोण मेलो? कांय तो मेल्लो आमच्या सोसायटिचो वा शेजाऱ्याच्या सोसायटिचो? तो मेल्लो हिंद्वांचो? क्रिसतांवांचो व मुसलिमाचो? तो ह्या राज्यांतलो? वा भायल्या राज्यांतलो? आनी त्या मेल्ल्याची कूड आतां ताच्या कुटमाच्या हातीं दितलीं वा मुन्सिपालिटिचीं वरून पुर्तलीं व लासतलीं?

गवजेच्या मुंबय शेरांत पाटल्या दोन मयन्यांनी दिसाक एक हादसा. हें शेरच हादसाचें शेर तरयी, फाटल्या दोन मयन्यांनी मनशान मनशापणाक कितलें सकला घालुंक जाता म्हळ्ळ्याची परिक्षा कशी दिसली. कांय मयन्यादीं एका फांत्यार घर सोडन गेल्यार रातिच्या मध्याने पऱ्यांत धांवणी; जोडुंक, कमावंक, पुंजावंक आनी दाळुंक. ह्या धांवणेंत चिंतुंक वेळ ना; अपलीं-पेलीं कोण, बरें-वायट कितें? मनशाधर्म म्हळ्यार कितें? आमी शिकून आयिल्लीं नयतीक मोलां आमच्या धांवणेंत खंय सोडून अयल्यांव? कितेंच चिंतुंक वेळ नासताना धांवतेल्यांक मधेंच घरांनी कयद केलें; दोळ्यांक दिसानासच्या एका वयरसान सगळी धर्तीच कांपयली.

मायानग्री मुंबय शेर माफिया शेर. हांगा सर्कार कोणायचोय येंव पूण राज चल्चें माफियाचें. हें आज-काल थावन न्हय, तेंपादिंच हें ह्या शेरांत वसती कर्तेल्यांक सवयेचें जालां. उदकाक माफिया, बिलडर माफिया, साकर-कोबू माफिया, पियाव-बटाटे माफिया, फळ

माफिया.... आनी जेदनां असले संकश्ट उदेवन मनीस लाचार, कंगाल जाता तेदनांच ह्या कोर्पोरेट माफियान सर्काराच्या मजतेन लोकाक पिळचें, पयलेंच परिसतितेन पिळून रोस काडलेल्या कोबाच्या चिंवडांक सयत परत गाण्यार घालून पुर्तो नप्पत नार करून मनशापणाचो खचरो केल्यारी हांचें पोट भराना, हांचें गुदांव भराना.

हेच गांवांत, हेच सोसायटिंत, हेच फ्लेटांत हें म्हजें पांचवें वरस. जशें हेच शेराच्या चडताव गांवांनी जांवचेपरीं; मार्च मयनो अखेर जाल्लेपरिंच उदका माफिया आनी बिलडर माफिया कार्‍याळ जातात. आमकां पिंयेवंक येवंक जाय जाल्लें उदक बिलडरांचीं बिलडिंगांक उभीं करुंक वेता, बाकिचें उदक उदका माफियाचे आपल्या व्यांकरांनी भरून आमकांच हाडन विक्तात. उलवंक गेल्यार आयकतलीं नांत. मुन्सिपालिटिलागीं निबांची प ी केदनांच संपल्ली ना. आवाज उटयतल्यांक एकच दुडवांत मोलायतात वा भेश्टांवणेंत चूप करतात. तेदनांय चूप जायनातल्यार ह्या शेरांत मोडीं पडुंक चड वेळ ना. मार्गायेच्या ह्या शेरांत सगळ्याच्याकी सवायेचें म्हळ्यार मनशाच जीव. मार्च उन्नोन एपरील संपलो म्हणतच उदकाचें मोल चडत, सोसायटीक कशेंय चडतीक मोल दीवन व्यांकरां हाडयतात तर हेरां एका बाल्दी उदकात लेगून लोक लायनीर उभो रावता. आनी आमकां पिंयेवंक आसचें उदक आमच्या घामा–रग्तासवें पियेल्ले हे भडवेच आमचेर राज्वटकी चलयतात. पूण ह्या वर्सा माय मयनो अखेर जालो पूण ह्या वर्सा व्यांकरां नांत, बिलडिंगां नांत देकून दरबसत उदक. पूण ह्या दोन मयन्याच्या घर–बंदिखानेंत हेर माफियान मनशांक पिळचें काम हातीं घेतलां.

एक किलो बेंडे ४० रुप्यांचे आसले आतां १०० रुपय. एक किलो बीन्स ६० रुप्यांचे आसले आतां १४०. १ डजन केळीं ३० रुप्यांची आसलीं आतां ६० रुपय. एक लीटर दूद ४० रुप्यांचें आसलें आतां ४६ रुपय. १०० रुप्यांक १ किलो चिकन मेळचें आतां किल्याक २८० रुपय. ६५० रुप्यांक १ किलो मटन मेळचें आतां ८५० रुप्यांक. ६०० रुप्यांक मेळची १ किलो सुर्मायेक आतां १२०० रुपय. आनी हें ब्ल्याक मार्केटिंग सगळें हेंच माफिया वेवसतीत रितीन करता. पयलें; दीस्पडर्‍यो गर्जेच्यो वसतू मेळानाशें करता. पयलेंच दाळून दवरल्ल्यांक तांचेलागीं आसचो समान दोडत्या मोलाक विकुंक सलीस जाता. तांतुंय एक विचारल्यार एक ना, आनी सभार मेडिकलांनी सयत विकून गेल्लीं वा वेचीं वख्तां सयत एक्सपायरी डेट उत्रल्लीं म्हळ्यार कोण पात्येत? हें मिडल क्लासाक लुटची रीत तर बाकिच्यांची हाल हाच्याकी भिरांकूळ; जो लोक चालिंनी, कोलोनिंनी रावता, तांचेलागीं करुंक काम ना, दीस्पडतो ग्रास ना, भायल्या शेराथावन आयिल्लो तर तांचेलागीं खावंक सयत गत ना. सर्कार टिविंनी फकत आश्वाशनां दिता; सगळ्यांक फुंक्याक तांदूळ, गोंव, तेल, साकर दितां म्हण पूण हकीगतेंत हें हेच माफियाचे खावन सोडतात. जोक्तीं

दसतावेजां आसूनयी, रेशन कार्डां वा हेर कार्डां करुंक सलीसाचें काम न्हय. हांतुंय दल्लाळांमुखांत्र हांचें पोट भरुंक लोंच दीवंक पडता. आनी ह्या परिगतेंत बांगलाच्या कितलेश्यांक नांवां बदलून हांगा हाडची माफिया भोव सक्रीय रितीन काम करून आसा; बांगलाच्या नफीसा, नदीमाक ह्या शेरांत उशा वा रेका तशेंच नितीन वा जतीन नांवार आधार कार्डां आनी प्यान कार्डां सलीसायेन तयार जतत. आनी असलीं फेक कार्डां कर्न ह्या शेरांत घोळचीं कांय लाकांनी लोक येवून एका ल्हान भाड्याच्या कुडांत धा–भारा जणां जियेता आनी दीसभर घरां घरांनी वचून काम करता. आनी ह्या भिरांकूळ परिसतितेंत व्हडलो मार पडल असल्यांचेर. पूण हांची काळजी कोणेंच घेंवचेपरीं ना; सर्काराक हांची पर्वा ना कित्यक म्हळ्यार हीं वोटबेंक न्हय. तशेंच तांच्या देशाक सयत हांची फिकीर ना. आतां करुंक काम ना, दीवंक भाडें ना, जेवंक खाण नासताना हो लोक कंगाल जाल. कांय हांतलो थोडो लोक रिसक घेवन फळ–वसतू विखुंक बसलो तर, माफियाचे मनीस 'स्व–रक्षणाच्या निबान' येवन हांकां तोणक्यांनी मारतात. असयांच्या पिडेक व्हख्तां जांव, हांच्या मोड्यांक मेल्ल्यांच्या प`र जांव घेवंक सर्कार तयार ना. सर्कारी अंकडे सांगचेपरीं दिसाक पन्नास–साठ मोर्नां, पूण हकीगतेंत हो आंकडो उण्यार उणे पांच–स वांटो चड आसा. हां! हांतूं पोटाक नासताना मेल्ल्यांचें लेक भिल्कूल ना. कितलें वीपऱ्यास जिवीत ह्या शेराचें.

गोवा मोडेल?

आधल्या मयन्यांत सर्कारान सांगलें ह्या शेरांत गोवा मोडेलापरीं कोरोनाक मुटिंत हाडिजय: अन्येक विडंबन, परत माफियाच्या मुटिंत सर्कार. सांगुंक जिल्ल्याचे बोर्डर सील जाले, घरांतलो मनीस घरांत उरलो. गर्जेच्या वसतुंचीं मोलां दोडतीं जालीं. आनी एकेका गांवांनी, एकेका सेकटरांनी वचून परिक्षा कर्चे निबांनी अयिल्ल्यांनी केल्ली परिक्षा अशी आसा; हांचेलागीं एक थर्मोमीटर जांव ना, एका मीटर पयस बसून सोसायटिच्या एकेका फ्लेटांत जियेतेल्यांचीं नांवां, प्राय, आनी संपर्क नंबर घेवन वेतात आनी असल्या सर्वेक गोवा मोडेल म्हणतात बेकूफ. हें सोडा, आतां कोणयी पिडेसत आसा तर ताका आस्पत्रेंत भर्ती करुंक खंचीच आस्पत्र तयार ना. देकून कोणयी कोरोनाच्या तापाची लक्षणां आयलीं म्हणतच तांकां वरून लोनावलाच्या मुन्सिपालिटी आस्परेंत चेप्तात. थंय नितळ खाकूस सोडा, नितळ म्हण सांगचें एकयी ना. एका रितीन हांगा अर्धो मोर्चेपरास थंय पुर्तो मोर म्हणून आस्येत. पूण ही हकीगत कांय काल्पनीक कथा न्हय. देकून लोक सयत तपासणी करुंक मुकार येवंक भिंयेता आनी हेच भिरांतेक भंडवाळ करून जायते वयज अपलो दंदो चलयतात, सामान्य शेळ–तपाक सयत कोरोना नेगेटीव रिपोर्ट जाय तर ५०० रुपय. कोरोना पोसिटीव आसल्यारयी, नेगेटीव रिपोर्टाक एक हजार रुपय. ह्या वेवसतेंत कमांवचेय आसात आनी ताणीं मनशापणाचीं सर्व मोलां लुटून खेल्यांत.

मनशामोलांची देंवणी

नासिकांत एका सर्जनान काम करून आसल्या आस्पत्रेंत खूप सेवा दिली देकून ताणें रांवच्या सोसायटिच्या लोकांनी ताका ताळियो पेटून स्वागत केलो आनी फुलांचे हार चडयले. थोडेच दिसांनी आरोग्य सेतू एपामुखांत्र कळून आयलेंकी, त्या सर्जनाक कोरोना पोसिटीव म्हणून. तेच घड्ये सोसायटिची मोबायलाचेर मेसेज आयली 'दयकरून सोसायटीक येनका, तुजी रावपाची बंदोबसत कर'. ह्या सर्जनाक सेलफ-क्वारंटायनाची पर्वणगी आसली देकून तो अपल्या घरांतच सेलफ क्वारंटायन जांवच्या इराद्यान पाटीं येताना सोसायटीन ताका रीग दिलिना. ही खबर पोलिसाक, जडजाक आसूनयी तांच्यान कितेंच करुंक जालेंना देकून तो सर्जन पाटीं अपणान काम कर्च्या आस्पत्रेक गेलो, पूण थंय एक खाट सयत ना, एक वेंटिलेटर सयत न, एक मास्क सयत ना. अखरेक त्या आस्पत्रेच्या स्टोर रुमांत अपणाक सेलफ क्वारंटायन करुंक तका पडलें. हें मनशापणाची वीद-वावळी.

असलेच जायते दाकले दिव्येता. हें शेर गांवांतल्यांक मुंबय शेर तरयी हांगा प्रमूक जावन दोन मा-शेरां आसात; पन्वेल थावन वाशी दऱ्यो पऱ्यांत 'नवी मुंबय' आनी वाशी दऱ्यो उतर्तच मुंबय - अशें जेराल रितीन सांग्येत. मुंबंयत चाली-जोपड्यांनी जियेंवचे जायते गांव आसात तरयी प्रमूक जावन धारावी एका गांवांत जियेतेलो लोक अख्ख्या मंगळुरांतल्या लोकाच्याकी चडीत. आनी नवी मुंबयांत सयत असल्या चाली-जोपड्यांनी जियेतलो लोक जायतो असा. तांतूं प्रमूक जागो जावनासा वाशिंतली अठक्ह मार्केट; ह्या मार्केटिंत काम कर्चो लोक सगळो व्यापरिसत न्हय, दल्लाळ आसात, आनी विख्लेले आसात तशेंच कूली काम कर्पी आसात, जे समान उकलन मार्केटिभायर पऱ्यांत हाडून गाडियांनी घाल्तात. चडताव लोक युपी बिहारिचो वा भायल्या राज्यांतलो. हांकां रांवुंक, निदुंक म्हण दुस्री सुवात ना, तेच मेळांत, तेच घाणिंत तांची जिणी. जेदनां APMC wholesale मार्केटिंत कोरोना रिगलें, सभारांक ह्या वायरसान ग्रासिलें.

इतलें सर्व घडताना मांयगांवांत बोंबोय थावन कोणेंच गांवाक येनाशें करुंक आवाज उटून आसा, गलफाक गेल्ल्यांनी सयत पाटीं येनाशें करुंक आवाज उटतच आसा म्हळ्ळें अन्येक धारूण सत. आमचो गांव देव-धर्माचो गांव, मंदीर-इगर्जांनी आमच्यो पुजा-रेतिरो चडल्यात पूण इतलें सर्व चडूनयी, आमचेभितर आमचें मनशापण कशें देंवलां? आनी कित्तून देंवलां? हें मात्र ह्या घड्ये आमी आमकांच विचारुंक जाय जाल्लें सवाल.

# बहुसंस्कृती (Multiculture) आनी साहित्याचेर ताचो प्रभाव

संस्कृती म्हळ्यार एका समाजेच्या वा समुदायाचे विचार, पद्दती आनी समाजीक वर्तन म्हण्येत.

भारत देश संस्कृती, परंपरा तशेंच संपरदायापासत संसारान वळकुंचो देस. आदिमागा थावन म्हळ्यार इंडस न्हंयच्या भंवतोणी जियेवन आसल्ले, म्हळ्यार क्रिसत पूर्व ३३०० थावन क्रिसत पूर्व १३०० पऱ्यांतल्या नागरिकतेचेर दीश्ट घाली तर तेदनांय सयत विभिन्नता दिसून येताली. जांव ती विभिन्नता धार्मीक रिती-रिवाजिंनी, समाजीक आचरणांनी वा वेवेगळ्या संपरदायांक लागून.

भारत देशांत पारंपरीक नद्रेन देकचें तर, हिंधुइसम, बुद्दिसम, सिखहिसम, जैनिसम तशेंच उपरांत जायतीं हेर म्हळ्यार क्रिसतांव, तावोइसम, मुसलीम, झोरासट्रियनिसम (पार्सी), बहायिसम (पर्शियन), इरानी,  सर्णायिसम (आदिवासी), जुडेयिसम (जुदेव), एथीसम (नासतीक) थोडीं. ह्या संपरदायाची पाठभुंय (Background) धर्मीक चिंत्पांत आसुयेता, संस्कृतीक आसुयेता वा आपणायिल्ली (Adopted) आसुयेता पूण भारत देशाच्या चडताव राज्यांनी, प्रांत्यांनी एकाच्याकी चडीत संस्कृतीक पाळता, समजता वा व्हळकता.

मंगळुरी मुळाचो चडताव लोक, फकत कर्नाटक राज्याच्यो संस्कृतीक मात्र पाळिना, जायतो लोक हेर राज्यांनी, देशांनी जियेला आनी आयच्या जागतीक संसारांत खंच्याय

प्रांत्याची संस्कृती जांव, ती अपल्या खुशे अनुसार पाळता वा अनुकरण करता व आपणायता. हेर राज्यांची वा राश्ट्रांची संस्कृती सोड्यां, आमच्या राज्यांत सयत जायत्यो संस्कृती वेवेगळ्या प्रांत्यानुसार आमकां पळेवंक मेळतात. मयसूर दसरा उत्सव कांय तेंपादीं फकत मयसूराचो एक उत्सव जावन आसलो आतां मांगळुरांत सयत दसरा उत्सव जाता. शबरिमलै परंपरा केरळांत कांय शेकड्यांनी चलून आयिल्ली रीत–रिवाज आतां मंगळुरांत सयत लोकांक व्हळकिची जाल्या. होली फेस्ताचो संभ्रम आदिमागा थावन उत्तर भारताचो संपरदाय आतां मंगळूर प्रांत्यांत नवो जावन उरुंक ना. वेवेगळ्या संसकृतिविशीं बरंवचें तर तेंच एक अध्ययन लेक जायत.

मंगळुरी कोंकणी मुळांत सयत जायत्यो संस्कृती आमी वाचून, पळेवन, पाळून आयल्यांव. थोड्यो धार्मीक तर थोड्यो समुदायीक, भाशीक आनी थोड्यो सांसकृतीक संपरदाय. प्रमूक जावन मंगळुरी कोंकणी प्रांत्यांनी पळेवंक मेळच्यो थोड्यो प्रमूक संस्कृती;

तुळू/तुळूव संस्कृती: तुळू भास उलयतेल्यां पयकिंत सयत वेवेगळ्या धर्माचे आसात म्हणतच हांगासर ती संस्कृती फकत धर्माच्या बुन्यादिचेर ना. बगर संसकृतिच्या, समाजीच विचारांच्या तशेंच पाळच्या बुन्यादिचेर आसा.

यक्षगान/बयलाट: एक सगळी रात–भर एका निर्दिश्ट काणी, कल्पनाचेर सादर कर्चें संगीत–नाच आनी नटनाचें प्रसंग वा दाकवप.

भूत कोल: वेवेगळ्या समाजेच्या विचारांक सरी जावन त्या त्या लेकाच्या त्या त्या नमुन्याच्या भुताचेर कर्चें आराधन वा संभ्रम.

मार्नेमी: चौथी परबेवेळार कर्चो संभ्रम वा पाळची रीत–रिवाजेचें फेस्त.

कांबोळ (कंबळ): दांवडा रेड्यांक जोडी करून केदाच्या गाद्यांत धांवडांवचो खेळ/स्पर्धो.

वागावेस (पिलिवेस): मार्नेमी फेस्तावेळार लोकांनी आंगार वागाचो वेस घालून, घराघर भंवोन प्रसतूत कर्चो खेळ/रीत–रिवाज.

करडी नाच (करडिवेस): आस्वल (करडी)चो वेस घालून कर्चो नाच.

कोंब्याकाट (कोरिक ा): काटाच्या कोंब्यांक एकामेका झुजंवचो खेळ वा जुगार.

सोर्पाची पुजा (नागारधने): सोरोपाक दूद वोतून कर्ची पर्गट पुजा.

पार्दन (पडदने): गादे कोसचेवेळार कोसतेल्यांन पाड्यांक/रेड्यांक गांवचीं गाणां व पदां.

कोरी रो ी (खाण): हें तुळू समुदायचें प्रमूक खाण. जशें क्रिसतांवां दुक्रामास–सान्नां, मुसलिमां बिरियाणी.

कोंकणी संस्कृती.

कोंकणी भास उलयतेल्यां पयकिंत सयत वेवेगळ्या धर्माचे आसात म्हणतच हांगासर ती संस्कृती फकत धर्माच्या बुन्यादिचेर म्हणुंक जायता. पूण कोंकणी भाशिकांपयकी कांय २२ प्रमूक वेवेगळे समुदाय आसात; मंगळूर प्रांत्याच्या कोंकणिंत सयत मेळचे प्रमूक समुदाय; गावड सारस्वत, मंगळुरी क्रिसतांव, दयवदन्य, कुडमी, खार्वी, चारोडी, गुडिगर (तेंपलां भांदपी), गाबीत, नवायती (भटकळ), राजपूर सारस्वत, चित्रापूर सारस्वत, कासरगोड कोंकणी...

व्हडलें फेस्त (सांत–मारी फेस्त): चडताव गांवांनी क्रिसतांव समाजेन तांच्या इगर्जेक प्रमूक केंद्र करून पाळचें दोन दिसांचें फेस्त.

दिवाळी फेस्त/परब: वर्सान वरस हिंद्वांनी आचरण कर्चें फेस्त.

युगादी: हिंद्वांनी नवें जेंवचें

नवें जेंवचें: क्रिसतांवांनी नवें जेंवचें

शिगमो: कुडमी लोकांचें संस्कृतीक फेस्त वा आचरण. लोकवेद पदां, गाणांक संगीत, वाजंत्रांनी सजवन चोवदा दीस म्हणासर संभ्रमुंचें आचरण वा फेस्त.

मांडो – गोंया थावन देंवोन आयिल्ली सांपरदायीक संगीत, नाचाचें फेस्त.

बायला – काजरां–सोभाणांनी जांवचो नाच–संगीताचो दभाजो.

सिस्म – ब्रह्मावर प्रांत्याचेर अजीक च्यार दाकड्यादीं घाल्ली धर्मीक बंधड.

इंकविजिसांव – पोर्चिगिसांनी गोंयचेर राज्वटकी चलयताना घाल्ली भाशीक बंधड.

तशेंच थोड्यो हेर प्रमूक संस्कृती/समुदाय.

ब्यारी संस्कृती: चड जावन मुसलिमाचो एक समुदाय.

कोर्गोर (कोरग): ही समुदाय समाजीक रितीन भोव कीळ वर्गाचीं म्हणून लोकांनी चिंतची.

म्हार (महर): म्हारांनी रांवच्या गुडसुलाक खोमटां म्हणतात.

आदिवासी (सिद्दीस): चडताव जावन हीं रान्वटी मनशां.

ह्या समेस्त समुदाय, संपरदाय, परंपरा, जात, धर्म, समाज वेवेगळ्य प्रकारांनी एकामेका जोडून जियेवन आयल्या. एक संस्कृती फकत एकाच समाजेची जावन उरुंक ना देकून ह्या प्रांत्याचो चडताव लोक अजून एकापरास चडीत संकृतीक पाळून जियेता.

साहित्य कांय सर्गाथावन देंवून आयिल्लें न्हय, साहिती कांय धर्तेच्या गर्भाथावन उदेल्ले न्हय. एक साहिती वा साहीतकार ह्याच समाजेचो, समाजेथावन, समाजेखातीर आसचो म्हणतच ताचें साहीत सयत ह्या समाजेच्या संवेदनांक आटापचें म्हणतच साहितीन सयत

एकाच संसकृतिचेर मात्र बरयजय म्हणून ना. कोंकणी साहित्य विसतार आसा. कोंकणी पत्रिकोध्यम सुर्वातल्ल्या काळाथावन सांगचें जाल्यारयी, १८८९ इस्वेंत पुणेंत सुरू जाल्ल्या 'उदेंतिचें साळक' उपरांत १३१ वरसांतलें साहित्य विसतार जावनासा. गोंयांत रोमी तशेंच नागरी लिपिंत सयत जायतें साहित्य आसा. केरळाच्या कोच्चिंत मलयाळम तशेंच नागरी लिपिंत जायतें साहित्य आसा, कर्नाटकांत कन्नड तशेंच नागरी लिपिंत सयत जायतें साहित्य आसा म्हणतच 'साहित्याचेर बहुसंस्कृतीक प्रभाव' साहित्याक हांवें फकत कन्नड लिपियेचें साहित्य घेतलें तरयी उल्लेक कर्चें साहित्य जायतें आसा. पूण हांव विंचणार मटव्योकाणियो मात्र ह्या अध्ययन लेखनाक घेतां. (हांगासर म्हजो शेवोट फकत हेर संसकृतिचो साहित्याचेर प्रभाव मात्र शिवाय काणियेचें अध्ययन न्हय.)

कोंबो आनी झूजः राकणो साहितीक स्पर्ध्यांत इनाम लाभल्ली स्टीफन पिंटो कुंटल्पाडी कार्कळ हाणें बरयिल्ली मटवी काणी ही. कोंब्या काटाक सांकेतीक बुन्याद करून समाजीक घडणुकेक काणियेरुपार बरयिल्ली काणी ही. धार्मीक चिंत्पांत सांगचें तर कोंब्याकाट एक जुगार देकून कोंब्याकाटाक वेचें जांव तांतूं वांटो घेंवचो जांव एक पातक. (हांगासर हांव अपराद म्हणाना, गुन्यांव म्हणाना, बगर पातक म्हणतां, कित्याक म्हळ्यार हें एक धर्मीक चिंत्पाचें अडवारलेलें काम). कार्कळ गांव घाटामुळाक लागसिलो गांव जाल्ल्यान कृशी थंयचर प्रधान, लेक कृशीक जाल्ल्यान गाद्या मेरेंनी, तोटां-भाटांनी घोळून जियेतेल्या लोकाक कोंब्याकाट एक प्रमूक मनरंजनाचें माध्यम. हांगासर धर्म जांव, जात जांव लेकाक येना बगर चड करून तुळू भाशीक लोक एकटांय जाता आनी ह्या कोंब्या काट स्पर्ध्यांत भाग घेता.

कोंबो आनी भींः केवीन डी'मेल्लो कार्कळचो अन्येक काणियेगार सयत ह्या कोंब्याक एक सांकेतीक रितीन घेवन वेगळ्याच चिंत्पाची काणी बरयता. हांगासर स्टीफन पिंटोन बरयिल्ल्याच्याकी अथव्याच दिशेन बरयता. समाजीक वर्ग, पूण मनशा अबलेस समाजेन केल्ल्या उंचल्या वर्गाच्या दादल्याक सकयल्या जातिच्या वर्गाच्या दादल्याथावन संतत मुकार वरुंक कर्ची गुपीत येवजण आसा. ह्या तशेंच केविनाच्या हेर काणियांनी सयत कोंब्या काट वाचुंक मेळता. सामान्य वर्गाचो लोक अपली वयचारीक चिंत्पाक एकामेका वांटून घेंवचो जागो तो जाल्ल्यान असल्या परिसराक भोव लागशिल्यान पळेवन, पार्कून, जियेवन अनभोग केल्ल्या केविनाच्या काणियांनी तुळू संसकृतिचेर जायतें वाचुंक मेळता.

केल अम्माः क्याथरीन रोड्रिगस कटपाडिची 'दायज.कोम साहितीक स्पर्धो २००५' चेर इनाम लाभल्ली काणी. ह्या काणियेचें पाठथळ सयत म्हारांच्या खोमटाक सांकेतीक बुन्याद जावन घेतल्ली काणी. क्याथरीन रोड्रिगस एक नाटकिसत, तुळू भाशेंत तिणें जायतें बरयलां

देकून तुळू संस्कृतीक तिच्या काणियांनी तशेंच बर्पांनी वाचुंक मेळता. केल म्हळ्यार तुळू भाशेंत खोमोट (एका तेंपाधीं म्हारांनी रांवचें मातियेची वणद आसून कोलवाचें पाकें आसचें गुडसूल).

रेडे: स्याम बोळियेची मटविकाणी कांबोळ (कंबळ) आनी रेड्या धांवणेक सांकेतीक बुन्याद करून पिंत्रायिल्ली काणी. ही काणी थोड्यांनी अध्ययनाक घेतल्या आनी वेवेगळ्या स्थराचेर हाची पिंत्रावणी केल्या. पूण ह्या लेकनाक हांवें ही काणियेचो उल्लेक केला कित्याक म्हळ्यार ह्या काणियेंत सयत तुळू संस्कृतीक पिंत्रावणी केल्ली आमी वाचुयेता.

खांदी खुरीसः कांय तेंपादीं एका समाजेंत प्रदुवार तसल्या अपरादिंक समाजीन पर्गट रितीन दिंवची सजा जावनासली खांदी खुरीस. वल्ली वग्गाच्या ह्या काणियेंत ह्या संसकृतिचो बरो उल्लेक आसा. ही काणी कन्नड भाशेक तर्जण जाल्या आनी सभार हेर भाशिकांक ह्या आधल्या संसकृतिची वळोक मेळ्ळया.

व्हडलें फेस्तः डाएडवर्ड नज्रेताचो समग्र काणियांचो जमो. ह्या जम्यांत सयत सभार काणियांनी क्रिसतांव रिती-रिवाजिंक पिंत्रायिल्लें दिसून येता.

खोडः कन्नड लिपिंतल्या कोंकणी मटव्या काणियांचेर चडताव जावन वाचुंक मेळच्यो काल्पनीक रितिच्यो काणियो, वेवेगळ्या शयलिच्यो समाजीक चिंत्पाच्यो कथा; कांय संवेदनां, मौल्यीक, नयतीक बुन्यादिच्यो तर कांय लिसांव, तर्कांक उभजांवच्यो. पूण समाजीक विघ्नां, खर्गांक मटव्या काणियांनी पिंत्रावणी केल्ल्यो काणयो मेळच्यो भोव अपरूप वा पातळ. साहितीक स्पर्ध्यांनी अपरूप रितीन असल्यो काणियो मेळतत. पूण कोंकणी संसकृतेच्या बुन्यादीक भोव अपुर्भायेन हेर प्रांतीय भाशेंनी बरयिल्लें आमी वाचुंक मेळता. ही एक खोड वा ऊण, कांय ह्या दिशेन काणियेचें अध्ययन कर्तेले मेटां काडुंदीत म्हळ्ळेच म्हजे आंवडे.

[२०२० इस्वेच्या मार्च मयन्यांत मंग्ळुरांतल्या मिलाग्रीस कोलेजींत चलल्ल्या अंतर्राश्ट्रीय सम्मेळनांत सादर केल्लें प्रबंध]

# काळ आनी बदलोंचीं मनशामोलां

काळ बदल्ता वा वेळा–काळाक सरी जावन संसार बदल्ता? हें प्रश्न विसकळांवचें तर संसार बदल्ता वा मनीस बदल्ता?

इतिहासाचो दाकलो घेव्यां; औद्योगीक क्रांतिचो (Industrial revolution) काळ आमच्या पुर्वजांनी जियेल्लो काळ. एका तेंपार चडतावां अपलें घर, अपलीं शेतां, भाटां, तोटां, बेटां म्हणून अपल्याच कुटमासवें सुकान–दुकान सांगात दिवून जियेल्लो काळ तो. पोटाच्या व्याप्तेक लागून आपापल्या जमीनेर कृशी करून जियेलो. चडतीक जाल्ल्या फळ–वसतुंक व्हरून सेजारा वांटून घेंवचो काळ तो. मान धांपुंक वसतूर, पोट भरुंक खाण, विशेव घेवंक एक पाकें आनी सांगात दीवंक घरभर मनशां, तशेंच जीवी; जशें माज्रां, पेटे, गोव्यांत गाय, पाडे, बोकडी, दुकोर... शिकप उणें आसलें आनी शिकप दिंवचीं माध्यमां सयत उणीं आसलीं, इस्कोलां उणीं, आसतीत तरयी, इस्कोलाक वचुंक मयलांगटले चलून वचुंक आसलें. घरांनी धर्मीक रिती–रिवाजी, वेळानुसार मंदीर/तेंपलांनी पुजा–पाठ, काणिको दिवून दीस सारल्ल्या दिसांनी चडताव लोक काम करून आसलो. तेदनां मशिनांचो सोध जालो, आनी सुर्वेर मनीस चिंतुंक लागलोकी, हीं मिशिनां अपणाचें काम होगडायशें करता म्हळ्ळी भिरांत उदेली. मिल्लां उदेलीं आनी मिल्लांचें मालक लोकांक कामाक लावून जियेलो. मुनाफो म्हळ्ळी धांवणी भोवशा चडीत वेगान धांवुंक लागली, मुनाफो कमावंक चडीत उदपादनाची गर्ज आसली, चडीत उदपादन जावंक चडीत लोकांक्नी काम कर्ची गर्ज आसली; देकून भुर्गीं, बायलां सयत मिल्लांनी काम करुंक लागलीं. लोकांक त्या मिल्लाक गर्ज पडचें दीवंक सर्कारान फर्माण दिलें देकून सभारांनी अपली क?शी करून आसच्या जाग्यांनी कापूस दिंवचे रूक वाडवंक धरलें, इतलेंच न्हय, घरांनी आसले दादले शेरातेवशीन पावले. कामाक लागून शेरांनी थोडे दीस/हफ्ते/मयने जियेले, कोणे अपल्या कुटमाक सयत शेरांनी वेलें म्हणतच 'श्हेरीकरणाक' चडीत प्रामुख्यता लाभली. पूण तेदनांय कुटमा भांद जिवे आसले, मनशा मोलां वयर आसलीं, सत–नीत, पात्येणी–भर्वसो जिवाळ आसलो, भोव महत्वाचें; भूक आसली, पाकें कोलवाचें तरयी सूक–शांतेचीं पिलां–फळां तांतूं आसलीं. पुर्वजांनी तांचें पोट भरलें मात्र न्हय, अपल्या मुकल्या पिळगेन पोटाक नासतां उपाशीं पडानाये म्हळ्ळया इराद्यान जोडलें, पुंजायलें आनी जोगासाणेन सांबाळ्ळें. हांतूं आसत–जागो–संस्कृती–भास सयत आसली.

उपरांत आयलो माहेते क्रांतेचो (Information revolution) काळ, हांतूं लोकांनी अपल्या जियेंवच्या रितिचेर वोरावंक धरलें. तांचीं पोटां भरल्लीं पूण तांकां फ्लेटां, घरां, गाडी घेवंक आसली. समाजीक अंतसत गर्ज आसली जाल्ल्यान चडीत शिकून चडीत कमांवचे दिशेन ताणीं वावर केलो. ह्या काळार समाजीक अंतसत चड प्रमूक जाली देकून अपल्या भुर्ग्यांनी सयत चडीत शिकुंक वाटो तयार केल्यो, नवीं इस्कोलां, कोलेज्यो जाल्यो. मयलांगटले चलून वेच्या बदलाक तांकां इस्कोलाच्या बस्सांनी वा खासगी गाडियांनी इस्कोलाक वेची सवलताय लाभली. टिवी आयली, कंप्यूटर आयलें, लोक चडीत जाण्विकायेन भरलो, अपल्या समाज–वर्तुलाभायर पळेवंक, पार्कुंक लागलो आनी एका रितीन चडीत गिन्यान अपणावंक सकलो. श्हेरीकरण ह्या काळार दोड्डा मापान चडलें देकून गांवांनी शेतां–भाटां पणगील पडलीं. गांवांनी फेकटरी उदेल्यो देकून शेतांनी घोळचीं उणीं/नां जालीं. घरांनी वसती कर्चीं उणीं/नां जालीं. लोक पर्गांवाक गेलो, चडीत कमावंक लागलो, कोण अपलो गांव, अपली समाज मात्र न्हय, अपली भास–संस्कृती सयत विस्रून गेलो. पूण अपरूप मनशाभांद आसलो, सूक–शांती पातळ जाल्ली देकून मनशामोलां सयत असकत जावन कुस्कोन आयलीं. हांगासर मुनाफो कमांवच्या दिशेन एकामेकाक शोषण (exploit) कर्चें दोडते मापान जालें. भळवंत चडीत भळवंत जाल्लेपरिंच असकत्यांक लाचार आनी कंगाल करून सोडलें. समानता म्हळ्ळी फकत आदर्श बुकांनी सब्ध जावन उरले. अपल्या पुर्वजांसवें तुलन करताना ही पिळगी मातशी आळशी जाली; चिंत्पान जशें जिण्येरितिंत.

उपरांतलो काळ आयचो काळ; समाजीक क्रांतेचो (Social revolution) काळ. आतां मनीस भुको ना, मनशालागीं पोटाक आसा, मनशाक समाजीक अंतसत सयत आसा; रावुंक घर/फ्लेट आसा, भवुंक गाडी आसा, सलीसायेन दुडू गर्ज पडल्यार तो कमांवच्यो वाटो आसात जाल्ल्यान आयच्या काळार मनशाक अपलें समाजीक स्टेटस सांभाळचें प्रमूक जालां. चडीत सवलतो मनीस आशेता, अपूण कांय ल्हान न्हय, अपूणच वर्तो, अपूणच शाणो, अपूणच भळवंत म्हल्लें चिंतप सामान्य जालां. आतां इस्कोलाक वेचीय गर्ज ना, अपल्या घरांनी बसून शिकप जोडच्यो वाटो सलीसायेन मेळतात. एका तेंपार आमच्या पुर्वजांनी जियेवन/पात्येवन/मांदून आयिल्ल्या जिण्ये रितिंचेर, विचारांचेर लब्दोन रांवची गर्ज ना. जशें मान धांपुंक वसतूर पुरो, फोट भरुंक पेज पुरो म्हळ्ळें चिंतप उन्नोन येवन जियेंवची रीत हेरांक दाकवपाची जाल्या. देकून कुटमा भांद, मनशा भांद सयत दाकवंक सेलफी काडून समाजीक जाळिजाग्यांनी पोसट कर्चेंच सदांचें जालां. कुटमा नातीं सयत दाकवपाचें जालां. एका तेंपादीं सत–नीत, भास–संस्कृती म्हणून मांदून आयिल्ल्यांक त्या संग्तेंनी नवीं व्याख्यानां (Definition) सोधल्यांत. चडताव

पोकोळ/डोंगाक सताचो रंग सारवन समाजीक जाळिजाग्यांनी एका रितिचो हैप (hype) कर्चें आनी ताका हजारांनी लैक/शेर/कमेंट कर्चेंच लोकामोगाळायेचें जालां. हें सर्व वोरावंक मनशालागीं वेळ ना जाला; अशें म्हणून दिसाची चोवीस वोरां आसलीं आतां वीस व धा वोरां जावंक नांत पूण मनीस धांवुंक लागला शेवोट नेणासच्या दिशेन.

ह्या तीन काळांचो उल्लेक हांगासर कित्याक? औद्योगीक काळ न्हय, हांव जियेवन आयिल्लो काळ माहेतेचो काळ, पूण आतां समाजीक काळ जाल्ल्यान ह्या दोन काळांत बदलून आयिल्लें मनशा चिंतप समजुंक, पार्कुंक चड त्रास नांत. पूण ह्या तीन काळांचेर खोलायेन न्हय तरयी भारीकायेन नदर घाली तर; औद्योगीक काळार मनीस जितलो उणो शिकपी, जितलो कश्टी, जितलो असकत आसलोकी तितलोच भळवंत रितीन अपलें कुटम, अपली भास-संस्कृती, अपलीं नातीं सांभाळुंक सकल्लो काळ. माहेत काळांत हीं मातशीं सदीळ जावन कुटमां मधें तूट-फूट येवून वांटे-फांटे जावन एका घरांत वणती उभ्यो जाल्यो. चडावत जावन 'हांव, म्हजें, म्हजीं' चिंत्पाभंवतोणी उदेवंक लागलें. सेजार सोड्यां, अपल्या कुटमासवें सयत वांटून घेवंक एकारितिचो सुरात उदेलो. भाव भावाक पर्की जालो, आवय-बापूय भुर्ग्यांक नाका जालीं देकून उतर प्रायेर तांकां आश्रमांत लोटचें सयत चडून गेलें. अपल्या आवयकच आश्रमांत लोटून मर्जेय जियेतेल्यांक आतां आपली 'आवय-भास' कंय पडोन गेल्या? ह्या काळार ही परिगत तर आतांचो काळ समाजीक काळ, डिजिटल काळ, आनी सर्व सवलतो, यंत्र-तंत्र आसूनयी मनीस वेळाचो गुलाम जाला. इतले सर्व भांदपासांक रेवडावन सयत अपूण शातिवंत म्हण हेरांक दाकवंक पेचाडता देकून अपणान वयर येवंक तो हेर कोणायकयी सकला घालुंक नर्गाना. धर्म-सत-नीत सगळें दाकवपाचें जालां.

पूण सक्कड संपलां म्हणून सांगचो म्हजो इरादो न्हय. कशें आमच्या पुर्वजां थावन देंवून आयिल्ल्या चिंत्नांक नवीं रुपां लाभल्यांत म्हळ्ळें वेक्त कर्चो. कोंकणी भास एका तेंपार आमच्या पुर्वजांनी तकलेर चडयिल्ली, उपरांतल्या काळार ती मधें देंवयिल्ली आतां सकला देंवयल्या. आनी ही भास परत आमी उभारुंक जाय, आनी हें चिंतप आमचो कायदो म्हणून समजून घेतलेल्यांनी लागीं येंवची गर्ज आसा शिवाय आवय-भाशेक दंदो कर्तेल्या दळदीर?यांच्या गोमट्याक दांत्या-फातर भांदून गुंडियेंत लोटून घालिजय म्हळ्यार कांय गुन्यांव जायत?

पूण व्हडलें सवाल - माजराच्या गळ्याचेर कांपीण (bell) भांदीत कोण?

सगळें वेळाकाळाचेर सोडतां

# अजब वल्लीचो गाज – अजब पडसाद



वल्ली क्वाड्रस एक अजब वल्ली म्हणूंक हर्कत ना. कारण एखादो मनीस कितलेपत आनी खंयचीं कामां करूंक शक्ता हाका कांय शीम मेरो आसतात. ज्यो त्या मनशांचीं काम कर्पाची तांक, पात्रता, आवाठो, आयाम, आवड, निवड, छंद अशा खूबशा गजालींचेर विसंबून आसतात. पूण म्हज्या दृश्टीन वल्लीबाबाच्या कामांक शीम मेर ना. ती हूपून तो खूब फुडें पावला. ताणे सात्त्यान केल्ल्या आनी कर्च्या, कोंकणी आव्यची सेवा म्हणा वा काऱ्य वा समाज निरिक्षण हाचे वेल्यान काडिल्लो हो तर्क.

१९८५ वरसां ''काणीक'' पत्राचो जोड–संपादक जावन वावर, दायज.कोम, पयणारी.कोम, हांतूत वावर, सुमार ४५ पुसतकांचे लेखन, प्रसतावना, लेख, प्रबंध? समिक्षा, विशलेशण, राषट्रीय, आंत्राषट्रीय साहित्य संमेलनांनी उलावपां, पेपर वाचन अशा तरेकवार आंगान काम करतल्या मनशाक अजब वल्ली म्हणल्यार अतिशयोक्ती जावची ना.

इतलेंच न्हंय तर ताच्याल फुडें वचून संपादकीय स्तंभय सांबाळता. आयज मेरेन 'मोळबावयले सपण' आनी 'मुखामुखी' अशीं दोन संपादकीय पुसतकां उज्वाडांक आयल्यात. आतां 'पडसाद' हें तिस्रें संपादकीय पुसतक उज्वाडाक येता. आनी ताजी प्रसतावना बरोवपाचें वजें वल्लीबाबान म्हजेर घाला. वजें अशें इतल्याच खातीर म्हणता, की, ह्या पुसतकांत वल्लीबाबान जे विशय हाताळल्यात ते पळयतना दिसता की, वल्लीबाब कोंकणीचोच न्हंय तर हेर सामाजीक, धार्मीक, इतिहासीक, वैचारीक, संसारीक, स्वभावीक, संसकार, संस्कृती, नवीं प्रसार माध्यमां, आक्स्मीक येवपी संकटां आनी तांचे परिणाम, संघ्रश आदीं विश्यांकडेन कितले गंभीरतायेन पळयता आनी विचार करता.

मास्क, शिक्षण आनी योग्यतायेचो विचार कर्तना, कोंकणीच्या डिजिटल फुडारचे म्हत्व आनी गरज जाणून ती चालींक लायता. जाप नाशिल्ल्या सवालांक स्वताच जापो सोदता आनी सोदूंक लायता. थकानातल्या पयणितल्यान वन्ना, जशे आयलें तशे गायता म्हणत कोणाचेर विसंबून रावनासतना प्रामाणिकपणान कोंकणीचो वावर करता.

मिसांव, तेसांव, पाशांव म्हळ्ळे तेतेसांवाक जागून मनशाचे वैचारीक आनी भलायके विशीं आपले मत उक्तायता.

हांसतल्याचे दांत दिसतात म्हणत आपल्याक खटकपी, न पटपी, मतां बिनधासतपणान मांडून कोंकणीच्या फुडारांविशी चिंत्पाक लायता. रडूंक मेळ्ळयार आमी सम्सेत म्हणत कोंकणी भास नाजावन वच्ची न्हंय म्हण आमच्यांनी कितें करूं येता? हाचो उपाय सूचयत कोंकणी खोंकली आनी साहित्यीक स्पर्धा हातुंतली पारदृशकता आनी प्रामाणिकपणा हांचो आलेख मांडता.

समाजांतले आनी जिणेंतले विवीध प्रस्न, विचार, घटनां, संकटां, अणभव, टिका, समिक्षण, कमतरताय, गर्जो ह्या सगळयांचेर खोलायेन विचार कर्पी आनी कर्पाक लावपी वल्लीबाब सात्त्यान वावर कर्पी कोंकणींतले निषटावंत कार्‍यक्ते अशें हांव म्हणन.

**मास्क शिक्षण आनी योग्यता**

हांतूतली नाग्रिकतेची व्याख्या विचार कर्पाक लावपा सार्खी. रानटीं जिणेंतल्यान मनीस गांवगीऱ्या जिणेंत कसो पावलो? पयलीं सैमाकडेन नातें दवरून जीण कशीं जग्तालो. शेतां–भाटां हेंच जिणेचे ताट म्हण कसो मानतालो. आनी आतां कालांतरान सगळयो पार्पारीक संव्यो, संसकार वगळून अर्थहीन संस्कृतीचे कशें गुलाम जालात हें तांणी पोटतिडकेन मांडला. धर्मांतरा वेळार गोंयाभायर वासतव केल्लया लोकांक शिक्षण नाशिल्लें तरी तांणी कोंकणीचे रोपें रूजोवन कोंकणी फुलयली फळयली. पूण आज शिक्षीत लोक कितें करतात? हाचेर तांणी उज्वाड घातला.

**डिजिटल कोंकणीचो फुडार**

लिपीक लागून आमी आमकांच पयसावल्यात. एके लिपींतले साहित्य दुस्रे लिपींत वाचूंक मेळना? इतलेंच न्हंय तर आमचे लिपींतच आमी पर्कीं जाल्यात.वाचन, तोखणाय, समिक्षा, विशलेशण हें वाचून न्हंय तर मनीस पळोवन जाता. हे तांणे खर उतरांनी मांडला.

अशे परिस्थितींत डिजिटल माध्यम कितले गर्जेचे हाची ताका जाणाविकाय जाली. फकत जाणवले म्हणून वग्गी रावलो ना. तें कृतींत हाडून दाखयलें. हे वेळार ‘बोले तैसा चाले, त्याची वंदावी पाउले’ ह्या ग्यादीची याद जाली. कारण वल्लीबाबान काल्ची कोंकणी, आयची कोंकणी आनी फाल्याची कोंकणी हाचेर खोलायेन विचार केला, हे तांच्या वावरांतल्यान दिसून येता.

सध्या व्हेंटिलेटराचेर आशिल्ले कोंकणींतले प्रिटिंग माध्यम डिजिटल माध्यमां वर्वी भविंश्यांत कोंकणीक बरो फुडार उत्तो कर्चे नद्रेन एक बरो सबल प्रकल्प मानूं येता.

हर एका शेतांत उदा. शिक्षणीक, धार्मीक, साहित्यीक, वैचारीक, सांसकृतीक, राजकीय शेतांनी आमची पिकां मुखार हाडूंक जाय, हो विचार आमकां खूब कितें सांगून बता.

### जापीं नातलीं सवालां

भोंवतीक संसारात ’तात्वीक संसार’ ना आनी तात्वीक संसारांक ‘भोंवतीक संसाराचें मोल ना. हें पटोवन दिल्ला वल्लीबाबान, Life isn't about finding yourself. Life is about creating yourself. ह्या जोर्ज बर्नाड हांच्या उतरांचो आदार घेवन दाखोवन दिला. मनशान जीवंत आसतना केल्लीं बरी वायट कर्णी हेंच मनशाचें जीवन. तो कितलीं वर्सा जियेता हें व्हड नही, हे सांग्तना तांणे संसारांतल्या विवीध मळार भरीव वावर केल्ल्या प्रसिद्ध आनी मानादिकांची वळेरी, तांणी जगिल्ल्या पिरायेसमेत स्पश्ट केल्या तांतूत ४२२ वरसां ४६४ दीस जगिल्ल्या बायलेचोय उल्लेख केला.

हे संपादकीय वाचतना वल्लीबाबाचे ज्ञान, गाढो अभ्यास, जिज्ञासा, उमळशीक अणभव, सामाजीक तळमळ आनी हावेस हाची प्रक्रशान जाणीव जाता.

### थकानांतले पय्ण

खंयचीय गजाल मनशाले आचार, विचार, संसकार, वागणूक, कर्तव्य आनी कर्तत्व हाचेर आदारून आसता. मनीसपण हांतूतल्यान दिसता जाणवता. वल्लीबाब हे श्रेणीत मोडता. ही अतिशयोक्ती नी. कारण वल्लीबाब फायदो नुक्सान हाचो ताळमेळ घालिनासतना आपलो वावर करता. पूण आपले सभावध्मा प्रमाण कांय जाण तांतूत खोडो घल्पाचें काम करतात. आनी वल्लीबाब ते अणभवता. पूण वल्लीबाब, मराठींत एक ग्याद आसा, ’निंदकाचे घर असावे शेजारी’ ल्हान भुर्ग्याक दिश्ट लाग्नये म्हण काळो तिबो लायतात. तशें वल्लीबाबाचे काऱ्याची दिश्ट काडपाचे काम हे लोक करतात. ताजेन नवी ऊरबा नवी चेल्ला घेवन आपले काऱ्य चालूच दवरचे सुदारणा म्हणा फोशन म्हणा आमी अधोगतीच्या मार्गार

कशे पावत चल्ल्यात. हे अणभवासयत खर आनी वासतववादी विचार ह्या पुसतका भितर लेखकान पोटतिडकेन मांडल्यात.

### हांसतल्याचें दांत दिसतात

'हांसतल्याचे दांत दिसतात' ह्या जाणटेल्यांच्या ग्यादींची भुर्गेपणांतली याद आनी जाणटेपणांत ताचो आयिल्लो अणभव आनी उमगल्लो अर्थ लक्षांत घेवन लोकांच्या थोमण्याक जुमानिनासतना निसुवार्थीपणान प्रसंगार आपले बोल्सांतले दुडू मोडून दारोनदार भोवन कुवेटांत 'कोंकणी अभियान समिती' घडयली. आमचे हक्काचे कोंकणीचें वाठारांत आमकां कोंकणीचें काम करूंक जड वता. पूण वल्लीबाबान देशाच्या भायर हें काम करून दाखयलें. आज थंयच्या कपेलां–इग्रजीनीं कोंकणी मीस चल्ता. आनी ह्या मीसाक चडानचड लोक माठे होडिकेन येतात. वल्लीबाबाक कोंकणी मायन दिल्लें हे वर्दान.

हेरांक दुशण दिवचे परस, लिपी, बोली प्रांत हांचेर विचार करत वेळ व्हगडावचे परस सगळयांचे सांगातान कोंकणीक जोडचे हीच खरी कोंकणीची सेवा अशे मानून समॅस्त लिपींक तेको दिवचे काम वल्लीबाबान हातांत घेतला. कोणय कितेंय म्हणू वा हासूं कोंकणी चडांत चड लाकांमेरेन कशीं पावतली? हेंच आमी चितूंक जाय. 'हांसतल्यांचे दांत दिसतात' पूण आमी कोंकणी उलाव्या, कोंकणी बरव्या, कोंकणी फुलोव्या आनी कोंकणी तिगोव्या. अशे वल्लीबाब म्हणता.

### पारंपारीक विमर्सो एक विचार

हांगा लेखक मनीसजिणेचो खोलायेन आनी नितिमत्तेक धरून विचार करता. संसारांतल्या हरेक जिवांक आपलो म्हण मूळ सभाव आसता. मनीस जरी बुद्धीजिवी म्हण मानलें तरी दरेकाले विचार वा प्रतिक्रिया वेग्वेगळयो आसतात. पूण दरेकान सामाजीक आनी नैतीक जबाबदारी पाळप हें महत्वाचें.

मनशाचे कूडीक जशे खाण जेवण गर्जेचे. तशेंच मतीकय खाण जेवण गर्जेचे आसता जे ताका साहित्य, संगीत, लाकवेद, संस्कृती, आध्यात्म, मनन, चिंतन आदीं गजालींतल्यान मेळता.

तेच परी मनशाक समिक्षणची आनी विम्र्शाचीय गरज आसता. समिक्षणात खोडी आसूं शक्ता पूण समिक्षक खोड्यारो नासता. मूळ अभिव्यक्तिचेर जेन्ना समिक्षक चूक वा उणेवण सोदून काडता, तेन्ना सामाजीक नद्रेन ती चूक सुदारप गर्जेचे आसता. देखून समजाक विम्र्शक गर्जेचो तितलोच उप्युक्त आसा.

साहित्यीक विम्र्शातय अषेंच आसता. चूक उणेपण दाखेवची. पूण रीत वेगळी. विम्र्शक रचनेचो स्वाद अणभव घेता आपले विचार त्या स्वादाक मेळयता आनी समिक्षण करता. तेन्ना वाचप्यांक वेगळोच स्वाद मेळता. देखून विशलेशण समिक्षा गर्जेची मागीर जांव ती साहित्याची वा हेर प्रकारची.

कोंकणी भास आळोवन वचनाशे कर्च्याक आमचें पात्र

भास हो मेंद्वाचो दिवो अशें इंगलीश तत्वज्ञानी जोन स्टूवर्ट मिलाचें मत.

खिसत पूर्व सुमार ८०० इस्वेंत संसारांत सुमार २०,००० भासो आसल्यो. आयज तो आंकडो देवन ६९०० चेर पावला. संसारात सुमार पंद्रा दिसांनी एक भास मरता. वा ना जातात. अशें संशोधक आनी तज्ञांचे मत. ह्या हिसबान मुखाल्ल्या शेंकडयांत सात हजार भासो ना जातल्यो हो तांचो अंदाज.

भारतांत सध्या ७८० भासो आसात. ज्यो ८६ लिप्यांनी वापरतात. तांतल्यो ४२० भासो मान्यतापराप्त आसात. तांतूंतली कोंकणी ही एक भास. फाटल्या २० चरसांत २५० भासो गळून गेल्यात.

भार्तीय भासां बाबतींत लेखकान सखोल अभ्यासपूर्ण अषें संशोधन केला. तांचे म्हण्या प्रमाण भास ना जावपाक शारीकरण आनी पाश्चात्यिकरण हे मुखेल मुद्दे. आनी विचार केल्यार हे सामकें खरे.

कोंकणी भाशेचेंय फुडें कितें जायत हो हूस्को तांका आनी पऱ्यायान आमकां सगळयांकच आसा. हाचेर आमी कोंकणी लोकांनी गंभीरपणान विचार करून उपाय अंम्लात हाडची गरज आसा.

**कोंकणी खोंकली आनी साहित्यीक स्पर्धा**

आयचो संसार स्पर्धात्मक संसार. संसारांत हेर सगळयो विद्या शिकोवचीं शाळा आसात पूण साहित्य शिकोवपाची शाळा ना. साहित्य एक सामाजीक काळजेची प्रजना, ती दैवी देणगी.

दरेका मळा प्रमाण साहित्यीक मळारय स्पर्धा चल्ता. स्पर्धा म्हणल्यार एके रितीचें माप. वेळाकाळाक मतींत धरून बरप चिंतप कितले प्रसतूत आसा, तें वेळाक पूरक जावन चल्ता कांय फाटीं उरला हें पार्खून घेवक स्पर्धा हेंच माध्यम आसा. साहित्य हो हव्यास न्हय तर साहित्य ही एक जबाबदारी. कोंकणींत साहित्य स्पर्धेचे मळार जे खेळ चल्तात, दिवंक जाय म्हण केन्ना केन्ना कोणाकय कशींय इनामां दिली वतात. खरे आनी योग्य साहित्य साहित्यीक कुशीक उरतात.

कोंकणीक स्पर्धा गर्जेची. ती वयर सर्चे खातीर जिखचे खातीर आसची. दूसऱ्याक सकयल देंव्यचे खातीर न्ही. अशें लेखक तळमळीन सांगता.

आटवे वळेरींत कोंकणी आनी आमची खोंकली

२० एगसट १९९२ वरसां कोंकणी भार्तीय संविधानाच्या आटवे वळेरींत पावली. साहित्यीक म्हणता आटवी वळेरी एक कारण, एक संद पूण गोंयांत कोंकणी राजभास करूंक कोंकणी म्हाल्गडयांन केल्ली चळवळ हीव्य तितलींच कार्णीभूत आसा. आनी हें सत्यय आसा.

आमी लिप्यांच्या भोंवऱ्यांत घुस्पल्यात देखून कोंकणी भास कशीं फुल्तली हो हूस्को लेखकान उक्तायला, आनी ताची जाप वेळाकाळाचेर सोंपयला.

लोकडावन

कारोना महामारीचे काळार सगळे कडेन लोकडावन जालें. सगळे घरांभितर कैद जाले. पूण माफिया मात मेकळेच उरले. तांका कैद कर्चे कोरोनाकय शक्य जाले ना, वा सर्काराकय शक्य जाले ना.

कारोना आळबंदा हाडूंक 'गोवा मोडेल' चे नांवाखाला शिमो सील जाल्यो. दिसप या गर्जेचीं मोलां दोडतीं जालीं. सर्वसामान्य मनीस पिडलो तर सामको गरीब मनीस उपासान मेलो. मनशाक मनशाची जात कळ्ळी. मनीसपण उमगलें.

लेखक म्हणता तांचे सोसायटींतले एका सर्जनान, आपले होस्पिटलांत कारोना पिडेसतांची निसुवार्थीपणान दीस्रात खूब सेवा केली. सढळ हातान आदार दिलो. सोसायटीन तांचे ताळ्यो मारून स्वागत केले. फुलांहार घातले, तांका माथ्यार घेवन नाचले. पूण...... त्या सर्जनाक कारोना जाला म्हण कळतकच ह्याच सोसायटीन तांका सोसायटींत

येवपाक मनाय केली. हें मनशांचे मनीसपण आनी दिन्वास उक्तावपाची तरा. मनीस फकत आयचेंच चिंत्ता. काल्चें वा फाल्यांचे चिंत्पाचे भानगडेंत पडना.

मुंबय शारांत कोणाचें कशें राज्य चल्ता, कोणाक कशी वागणूक मेळता, वेळकाळाची संद सादून कोण कोणाक कसो पिडता वा नाडता, रेशन कार्डाचो, आदार कार्डाचो उपेग कोणाक कसो जाता वा केलो वता. हांचे लोकडावन काळावेलें सविसतर आनी तपशीलवार, काळीज हालोवपी वर्णन लेखकान केला. जाची झळ आमचे साक्र्या सर्वसामान्यांनीय सोंसला, अणभव घेतला आनी त्रासय भोगल्यात. हाचे वेल्यान लेखक हो समाजाचो हार्सो हें सिद्ध जाता.

**बहू संस्कृती**

संस्कृती म्हणल्यार एका समाजाचे वा समुदाचे विचार, पद्धत, आनी सामाजीक वर्तनां. भारत देश संस्कृती, परंपरा, संपरदाय प्रधान देश. एक बहूधर्मीय देश. जो एका परस चड संस्कृती पाळता.

लेखक हांगा कांय मंगळुरी संस्कृती वळख करून दिता. उदा. दस्रो तुळू संस्कृती, यक्षगान, भूत्कौल, कर्डा नाच, कोंब्याकाट, नाग्रपंचम बैल पोळो.....

कोंकणी उलोवपी लोक वेग्वेगळे धर्मांचे आनी २२ मुखेल समुदायाचे आसात. तांतूत व्हडलें फेस्त, दिवाळी, संसार पाडवो, नवें, शिमगो, मांडो, सिस्म, इंकवीजिसांव अशो जाय त्यो संस्कृती समाज तांचे रिती–रिवाज हांचो उल्लेख केला.

समॆस्त समुदाय, सपरंदाय, परंपरा, जात धर्म वेग्वेगळे तरांनी एक्मेकांक जोडून जियेतात हें लेखकान उदाहरणांसयत स्पश्ट केला.

साहित्यीक कांय सर्गावेल्यान देंवन आयिल्ले वा धर्तरेच्या गर्भांतल्यान उदेल्ले नात, तर साहित्य वा साहित्यकार समाजाचो, समाजांतल्यान आयिल्लो समाजाखातीर आसता. देखूनच साहित्यीक बहूसंस्कृतीचो आसूंक जाय. कारण ४८८९ वरसां पुण्यांत सुरू जाल्ले 'उदेंतिचें साळक' हाचें उपरांत ४३२ वरसांतलें कोंकणी साहित्य विसतृत्व जावन आसा.

गोंयांत रोमी–नाग्री लिपींत, कोचींत मल्ल्याळम–नाग्री लिपींत, कर्नाटकांत कन्नड–नाग्री लिपींत जाय ते साहित्य आसा. म्हणच कोंकणी साहित्यांचेर बहू संस्कृतीचो प्रभाव आसा.

**काळ आनी बदलांची मनशांमोलां**

काळ बदल्ला कांय वेळाकाळाक भरीक पडून तनीस बदल्ला? थोडे भितर संसार बदल्ला काय मनीस बदल्लया हो प्रस्न लेखकाक पडला. हांतू भितर लेखक 'उद्योगीक क्रांतीचो काळ' जो आमचो पूर्वज जियेले. उपरांत 'म्हायती काळ' जांतूंत मनशांक शारांची ओड लागली. आनी तिस्रो 'समाज क्रांतीचो काळ' सूख सोयिचो आनी कुटुंब नातीं सोडून सेलफी कडेन पाविल्लो. सत–नीत, भास–संसकृताय सोडून लायक / षेर / कमेंटस हाचेर भर दिवपी.

पूर्वजांपसून चलत आयिल्ल्या चिन्नांक नवीं रूपां लाबल्यात. हें खरें. एका तेंपार पूर्वजांनी कोंकणी भास माथ्यार घेतिल्ली. उपरांतच्या काळांत तीं मदीं देंव्यली. आनी आतां ती सकल देंवला. परत ही भास वयर उबारूंक जाय. आपल्या फायद्या खातीर न्ही, तर गरज म्हणून. आव्य भाशेचो धदो करतल्यांच्या गळ्यांत फातर बांदून बांयत उडोवंक जाय अशें म्हणप लेखकाक गुन्याव दिस्ना. पूण 'मांज्राच्या गळ्यांत कोण घांट बांदतलो' देखून लेखकान सगळे काळाचेर सोपयला.

लेखकान कोंकणी भास आनी साहित्य मळार खूब वावर केला. उदा. डिजिटल साहित्य, ई–बूक, साहित्य सर्ती, कोंकणी पतरांक तेको, गांवागांवांत कोंकणी वावर, अध्ययन समिक्षा, कोंकणी अभियान समिती, सांसकृतीक कार्यावळीं, प्रवचन/षिकवण, कविता ट्रसटाचे पुर्सकार, कविता सर्ती पुसतक प्रकाशन आदींचो आस्पाव आसा.

एकूणच 'पडसाद' चो सारांश घेन्ना लेखकाली कोंकणी भास, तिजो फुडार, समाज, जीवन काळाची गरज, मनीस धर्म, झूज–संघ्रश, साहित्य, बहू संस्कृती प्रभाव बदलते काळ आनी मनीस हांचेर खोलायेन उज्वाड घाल्लो दिसून येता. पुसकत जर दरेकान बारीसाणेन वाचलें तर आयचे काळार चल्पी बदल्त्या प्रवाहाचेर थोडोभव विचार जावन समाजांत बरे आनी पूरक बदल घडूं येतात वा विचार जांव येतात.

सगळयांनी हें पुस्मक मुद्दम वाच्चें.

**उषा राणे,**

अध्यक्ष (अखील भारतीय कोंकणी परिशद)

# आशावादी प्रकाशन

यदाहं जीवमि, अहमाशंसे



## वल्ली क्वाड्रस, अजेकार

१९८८ इस्वेंत 'काणीक' पंद्राळ्याचो सह-संपादक जावन अडेज वर्सां वावर करून, दायज.कोम (२००३ थावन २०११) तशेंच पयणारी.कोम (२०१५ थावन २०२२) संपादक जावन वावर केला. आशावादी प्रकाशन (२००१ थावन ४९ पुस्तकां प्रकाशीत केल्यांत). 'मोळबावयलीं सपणां (२००५)', 'मुखामुखी (२०१६)' दोन संपादकीयांचे संग्रह ह्या आदीं प्रकाशीत जाल्यात.

कन्नड, रोमी तशेंच नागरी लिपियेंनी कोंकणी तशेंच इंगलीश, कन्नड, तुळू आनी हिंदी भासेंनी सयत बरयता. गोंय, मंगळूर युनिवर्सिटी, कोलेजिंनी तशेंच राश्ट्रीय/अंतरराश्ट्रीय साहितीक कामासाळांनी वांटो घेवन प्रबंध/उलवपां सादर केल्यांत. डिजिटल माध्यमांत ई-पुस्तक (२००५), आडियो पुस्तक (२०१७) आनी सभार वेबिनारां चलयल्यांत.

एब.बी.ए. पद्युत्तर शिकप जोडून एक्सीस कंपलायन्स लिमिटेड म्हळ्ळ्या बहू-देशी कंपणेंत 'ग्लोबल ऐटी ट्रान्सिशन मुखेसत' आनी 'Country Manager' हुद्द्यार आसलेपरिंच 'श्रीनिवास युनिवर्सिटी कोलेज आफ इंजिनियरिंग एंड टेक्नोलोजीस' हांगासर 'प्राद्यापक जावन' काम करून पी.एच.डी.ची तयारी करून आसा.

– आशावादी प्रकाशन